Price ₹20/- (₹25/- Outside Goa)

मासिक बिम्ब

कोंकणी समाजाचें पडबिम्ब

मार्च २०१४

राजकारण्यांक कदेलावेल्यान हालोवंक परिशदेच्या कदेलार युवाशक्त जाय

Buy a Luxury Villa with its Own Private Plot



The Highland Villas

PORVORIM - GOA

The Highland Villas is a residential enclave that is unique in its very concept of private, independent plots within a secure complex with all amenities. The beautifully designed villas, combined with our very central location and the concept of plot ownership assures you of lasting asset value.

Design Combinations

- 3BHK + Car Porch + Open Terrace
- 3BHK + Car Porch + Open Terrace + Maid's Quarters
- 4BHK + Car Porch + Open Terrace + Maid's Quarters
- 4BHK + Family Lounge + Car Porch + Open Terrace + Maid's Quarters

MEMBER OF CREDAI GOA

Club House

Classy Streetscape

Well-equipped Gym

Tennis Court

Children's Park

Basketball Half-Court

Project approved by leading Housing Finance Institutions

Construction work in full swing and some villas nearly ready for possession

HIGHLAND CONSTRUCTIONS PVT. LTD.

www.highlandvillasgoa.com

501, Citicentre, Patto Plaza, Panjim, Goa 403 001 INDIA.Tel/Fax: +91-832-2437296
Mobile: +91 99234 12021 & +91 80077 42020 E-mail: highlandvillasgoa@gmail.com

NATIONAL AWARD WINNER FOR **BEST HOLIDAY HOMES 2010**

indoco

INDOCO REMEDIES LTD.

A Suresh G Kare Enterprise

Constantly Evolving...
Consistently Excelling

- Fully integrated, research oriented Indian Pharma Company headquartered in Mumbai, with a workforce of over 4300
- 1,50,000 sq.ft R&D Centre housing over 200 scientists
- 8 manufacturing facilities, 5 for finished dosages and 3 for APIs
- Successfully poised in the Indian Pharma market with 8 specialized Marketing Divisions
- Ranked 24th by CMARC (Prescription Ranking) & 28th as per AWACS (SSA Ranking)
- Strong presence across 80 countries including USA & UK

Regulatory Approvals

USFDA
UK-MHRA
TGA-Australia
JAZMP - Slovenia
DRU - Botswana
FDB - Ghana
SBD-Yemen
MPB - Sudan
Health Canada
Darmstadt - Germany
MCC-South Africa
INVIMA - Colombia
NDA-Uganda
TFDA-Tanzania
MCA - Zimbabwe
PPB-Kenya

febrex plus
CYCLOPAM
SENSODENT-K
ATM
GLYCHEK
Methycal
ROSUCHEK-D
OMEGACHEK
Vepan
cital
OXIPOD
SENSOFORM
OSTEOCHEK
Lorchek-MR
HOMIDE
RENOLEN
CLOBEN-G
karvol plus
TUSPEL PLUS
MCBM-69
INFLACHEK-D
Clamchek

Indoco House, 166, CST Road, Kalina, Mumbai - 400 098, India. Tel.: +91 22 2654 1851 / 55 Website: www.indoco.com

कोंकणी मासिक

बिम्ब

१३ वें वर्स

HINDU PHARMACY
हिन्दु फार्मासी
पणजी
फोन : २२२३११७३

वर्स: १३ अंक: ३
◆
मार्च २०१४
◆
मोल २० रुपया
◆
मुखेल संपादक
दिलीप बोरकार
◆
मुद्रक आनी प्रकाशक
दिलीप बोरकार
◆
छापणावळ
इम्प्रेशन्स, बेळगांव
◆
वेवस्थापक
कामिनी किणी
◆
अक्षर जुळवणी आनी मांडावळ
श्वेता नायक
◆
वर्गणीचे दर
वर्सुकी ३५०रु./३ वर्सां १००० रु.
खंयच्याय म्हयन्या सावन वर्गणीदार जावं येता. वर्गणीचो चेक 'BIMB MONTHLY' ह्या नांवान धाडचो
◆
संपादकीय पत्रवेव्हाराचो पत्तो
'धर्म लक्ष्मी', सांत लॉरेन्स,
आगशीं-गोंय ४०३२०४
दूरध्वनी: ०८३२ २४३८३५५
Email:bimbkonkani@yahoo.co.in

ह्या अंकांत उक्तायिल्ले विचार त्या त्या बरोवप्याचे आसात. संपादक मंडळ ताचे कडेन सहमत आसतच अशें ना.

संपादकीय / ३
प्रतिबिम्ब / ४
पुनर्नवा / ११
कथा - उदय नायक / १३
उस्तवारी - नं. ध. बोरकार / १७
भुतकाळाचे बिदींतल्यान २ - रमेश भ. वेळुस्कार / २०
पोसो - काश्मिरी पावसकार / २४
उमाळे - सुजाता सिंगबाळ / २६
पडवेर - कुसूम अगरवाल / २८
कथिका - संदेश बांदेकार / ३०
दिका - विन्सी क्वाद्रूस / ३२
इंद्रधोणू - आशा शानभाग / ३६
अश्रेकणी - हर्षा शेटये / ३२
आंकरी - जॉन एम. आल्फोन्सो कार्मेलीत / ३८
गरनाल - कृ. म. सुखठणकार / ५७
वोंवळां - शर्मिला प्रभू / ६०
खळांतली आंबली - सुधा आमोणकार / ६२
तेफळां - रुपा कोसंबे / ६४
कथा - हर्षा शेटये / ६६
भोंवडी - सुचेता कामत पै / ६९
ओह माय गोंय - गजानन जोग / ७१
भलायकी - राज वैद्य / ७४
उतरकुवाडें - संतोष हळर्णकार / ७५
रवीन्द्र विचार - रवीन्द्र केळेकार / ७६
प्रियदर्शन - दिलीप बोरकार / ७७

५

शीर्षकथा
◆दिलीप बोरकार

५४

मनसंवेदना
◆सुनिल हरी पालकार
◆रमेश वेळुस्कार
◆आर. रामनाथ
◆रेखा मोहन राव
◆शालन नायक
◆रुपाली किर्तनी

४३

भुरग्यांचें आंगण
◆माया खरंगटे
◆सोनिया सुभाष शाह
◆शोभा शिवा फुलकार
◆रजनी भेंब्रे
◆अलका सिनाय असोळडेकार
◆उषा ज. कामत
◆प्रकाश पाडगांवकार
◆स्मिता तिंबले

Newly Opened Mobile Store ATTRACTIVE RATES
ESSENTIAL MOBILES
(Mobiles, Accessories, Recharges, Repairs)
Viva Carnival
LG Nexus 5 G2
Nokia Lumia
Samsung Galaxy Note
Sony Experia
I Phones 5s 5c
Micromax Canvas Bold
ESSENTIAL (MOBILE DIVISION), Shop No. 32, Kamat Arcade, Next to LG Shoppe, Near Madhuban Complex, St. Inez, Panjim. Tel: 2223066 Mob: 8605673366

संपादकीय

परिशद आतां तरण्या रगताकडेन दिवंक जाय

अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचें २९वें अधिवेशन बेळगांव शारांत भरता. अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेकडेन आमची लागणूक आसा देखून २८ फेब्रेर ते २ मार्च अशे तीन दीस भरपी हे परिशदेक येवकार दिवप हें आमचें कर्तव्य थारता. तेच वांगडा चड येवकार दिवपाची गरज आसा ती आयच्या तरण्या रगताक. आयज तरणें रगत परत एकदां 'गोंय राखण मंच' बॅनराखाल रस्त्यार देंवलां. 'इंग्लीश व्हाय? कोंकणी जाय' अश्यो घोशणा दीत. आदल्या काँग्रेस सरकारान इंग्लीश माध्यमांच्या शाळांक अनुदान दिवपाचो निर्णय घेतलो तेन्ना हें रगत 'गेट वेल सून' अशी घोशणा दियत रस्त्यार आयलें आनी वेंचणूके वेळार हे चळवळीन काँग्रेपक्षाचो फोंड खणलो. आदलें सरकार सत्ते भायरें जावंक आनीक जायतीं कारणां जरी आसलीं तरी भारतीय संस्कृतायेची चाड नाशिल्ल्या काँग्रेस सरकाराक ह्या मुखार सत्तेर रावंक दिवपाचे नांत अश्या हावेसान तरणी पिळगी मुखार सरिल्ल्यानूच काँग्रेसच्या 'विनेबल' म्हुण मिरोवपी उमेदवारांक आपटी खावंची पडली. गोंयच्या हिता आड जो कोण वावुरता ताका बुद्द शिकोवंक भायर सरपीच सदां 'विनेबल' आसता हें हे युवाशक्तीन दाखोवन दिलें.

पेटून उठिल्ले हे युवाशक्तीचो, तिका फुलोवन गोंयच्या भारतीय जनता पक्षान पुरायेन फायदो घेतलो. तेन्ना भारतीय संस्कृतायेचें कातडें ओडून हे चळवळीक तेंको दिवपी ह्या पक्षाचें

खरेलें रूप हे युवाशक्तीक कळूंक नाशिल्ल्यान भाजपांतल्या लांडग्यांक वेंचून हाडून सत्तेर बसोवपाक हातभार लायलो ते हेच युवाशक्तीन. आयज ह्या लांडग्यांच्या आंगावेलें भारतीय संस्कृतायेचें कातडें विटून विरविरलां आनी भाजपाचें संस्कृती बचाव रूप उगडें पडलां. गोंय भाजपचो सर्वेसर्वा मनोहर पर्रीकारान तर आपले लिपयल्ले खावपाचे दांत सुळे कशे भायर दाखयल्यात आनी ह्याच विश्वासघाताक लागून युवाशक्त पेटून उठल्या.

इंग्लीश शिकून मनीस व्हड जाता हे भ्रामक कल्पनेन गोंयचो क्रिस्तांवूच न्हय तर बरोचसो हिन्दू समाज लेगीत इंग्लीश माध्यमाच्या शाळांक अनुदान जाय म्हुण मागणी करता हें सत जावन आसा. तांचे मागणेकडेन आडनदर केली जाल्यार मतांचेर परिणाम जाता हीय खरी गजाल. तांचे तकलेर बशिल्लें इंग्लीश माध्यमाचें भूत काडप सरकाराक जशें जमचेलें ना तशें कोंकणी चळवळीकूय तें जमूंक ना. जी गजाल समाजाच्या वायटाक पडटा तरी समाज ती आपल्याक जायच म्हुण आग्रो धरता तेन्ना ती मेळपाची ना म्हणचे ना अशें कडक धोरण सरकारान आपणावचें पडटा आनी त्या धोरणां आड कितलेंय खर आंदोलन जालें तरी तें मोडून काडपाची शक्त सरकाराकडेन आसची पडटा. पूण मतां पासत सतत दिमी मारून राविल्ल्या सरकाराक तें शक्य नासता. म्हणटकच मतां आशेन दिमयेर चलप्यांच्यो दिमयो फोडपाखातीर आयज जी शक्त मुखार आयल्या ते शक्तीक येवकार दिवन तांच्या हातांक आनी ताळ्याक बळगें दिवपाचें काम कोंकणी परिशदेचें आसा.

कोंकणी परिशद जरी कोंकणी चळवळीक विचार दिवपाचो वावर करता असो जरी दावो परिशदेचे म्हालगडे करतात आसले तरी आयच्या काळार विचारां वांगडाच आचारांची आनी कृतीची गरज आसा. चळवळीक विचार दिवपाचें काम परिशदेंतले परिसंवाद करतात अशें भोवतेक परिशदेच्या जाळवणदारांक दिसता आसुंये! परिसंवादाच्या नांवान कांडप आनी मागीर फुडली परिशद ये मेरेन सुस्त न्हिदप हेंच तर आयजवेर परिशद करीत आयल्या. फाटल्या पांच-धा वर्सांत परिशदेन आपलो विचार खंय खंय पावयला अशें जर परिशदेच्या अध्यक्षांक विचारीत जाल्यार तांचेकडेन जाप आसतशी दिसना.



म्हणटकच आयज युवाशक्तीकडेन परिशदेचो वावर दिवंक जाय. परिशदेंत जे म्हालगडे आसात ताणीं विचार जेरूल दिवंचे. पूण ते घेवचे काय ना हें युवाशक्तीचेर निंबून आसा. आयज युवाशक्त विचार करूंक लागल्या आनी गोंयच्या हिताची तिका जाणविकाय आसा. गोंयच्या हिताआड वचपी केद्याय शक्तीवंत सरकाराक आमी सत्तेभायर करूंक शकतात हें हे शक्तीन दाखोवन दिलां आनी कोंकणी आड गेल्ल्या, युवाशक्तीचो विश्वासघात केल्ल्या भाजपाचे लोकसभा वेंचणुकेंत दोनूय उमेदवार हारोवपाची भीष्मप्रतिज्ञा केल्या. हे युवाशक्तीची आपूण पर्वा करिना अशी दर्पोक्ती मदांधपणान पर्रीकारान केल्ली आसली तरी ती वेंचणुकेच्या निकाला उप्रांत देंवतली. विश्वासघात आनी फटींगपणाचें जैत सदांच जावंक शकना हें युवाशक्त दाखोवन दितली.

त्या उप्रांत पर्थूनय प्रस्न येता परिशदेचो. फुडली परिशद ये मेरेन हे युवाशक्तीक कोची ते वसई मेरेनच्या युवकां कडेन संपर्क करचो पडटलो. जर ७५ वर्सां आदीं माधव मंजनाथमामाक जें शक्य आशिल्लें तें आयचे युवाशक्तीक अशक्य न्हय. परिशद पोटलावन बसल्यात त्या जाण्टेल्या विचारवंतांक कुशीन काडून आनी जमना जाल्यार परिशदेवरींच नवी चळवळ उबारून कोची, बंगळूर, मंगळूर, कारवार, सिंधुदुर्ग बी वाठारांतल्या दरेक कोंकणी घराब्यांतले युवाशक्तीक भायर काडचें पडटलें. सिंधुदुर्गासावन कारवार, सुपा, हल्याळ मेरेनचो कोंकणी वाठार गोंयांक जोडून गोंयचो आंवाठ वाडोवंचो पडटलो. तेन्नाच इंग्लीशी फाटल्यान लागिल्लें नितीभ्रश्ट सरकार आनी इंग्लीश माध्यमाची मागणी करून शबय घालपी संस्कृतीभ्रश्ट समाजाचेर अंकूश दवरून कोंकणी राज्य निर्माण जावंक पावतलें.

हें फक्त शक्य आसा आमी युवाशक्तीचेर विश्वास दवरलो जाल्यारूच! तेच दिकेन परिशदेंत विचार जावंदी!

■

– दिलीप बोरकार

प्रतिबिम्ब

भुरगीं आमचो फुडार....

गरीब वा गिरेस्त कोणूय जावं पूण ल्हान भुरगीं आमच्या मोगाचीं. एके बागेंतलें फुल जावन आसा सोबीतकाय, तेचपरीं भुरगीं जावन आसात घराब्याचो उजवाड आनी खुशालकाय. तेचभशेन ल्हान भुरगीं आमच्या देशाचो फुडार, ही गजाल शंबर टक्के सारकी. आतां हीं भुरगीं कशे तरेन वाडचीं हें मात चिंतपाची गरज. तांकां आमी समजून घेतात काय? तांच्यो गरजो आमी पूर्ण करतात काय? फावो तें शिक्षण तांकां मेळटा काय? शाळांनी ज्यो सवलती दितात त्यो तांकां फायद्याच्यो काय? भुरगीं ल्हान आसतना आवय-बापायन हांसून खेळून भुरग्यांक कितें बरें तें शिकोवंक जाय. आतां सगळेंच शिक्षण आवय-बापूय दिवंक शकना, म्हणटच भुरग्यांक शिकपाक शाळांनी वा स्कुलांनी घालतात. थंयसर तांकां शिकोवपाचें काम शिक्षकांचें. शिक्षक जें कितें शिकयता तें भुरगीं मतींत दवरतात. थोड्या भुरग्यांच्या मतींत तें वचना म्हण तांकां कडेन दवरूंक फावना. मनीस केन्ना कोण जायत तें कोणाच्यानूच सांगूंक जायना. नाका म्हण काडून उडयिल्लो फातर शेवटाक बुनयादिचो फातर जालो हें आमच्या पवित्र पुस्तकांत लेगीत मेळटा, हें आमीं विसरूंक जायना. प्रयत्न करून आनी तांकां निटायेर हाडूंक जाय. तांचे लागीं आशिल्ल्या गिन्यानाचो योग्यतरेन वापर करूंक शिकोवंक जाय.

आतां सरकारान भुरगीं शिकचीं म्हण नवो उपाय काडला. भुरगीं परिक्षेक नापास जालीं जाल्यार तांची पर्थून परिक्षा घेवप, खरेंच तीं भुरगीं परतीं परिक्षेक बसून पास जातात काय? आतां हो उपाय खरेंच भुरग्यांखातीर फायद्याचो? जायतीं भुरगीं म्हणटात, शिकपाक कित्याक जाय, नापास जालीं जाल्यार पास करतात न्हय, नापास कांय करूंक जायना. Mass Promotion सरकारान कायदो काडला हें भुरगीं भेस बरीं जाणात. आनी हाकाच लागून तांचें शिक्षणांत लक्ष ना हें भुरग्यांच्या तोंडांतल्यान आयकूंक येता.

आतां शाळांनी भुरग्यांक जायत्यो सवलती मेळटात. General, SC, ST, OBC आनी खरें म्हणल्यार जायतो आदार जाता. दुसरें म्हणल्यार हाचेर आनीकूय जायतें घडटा. जशेपरीं थोडीं दुसऱ्यांक म्हणटात, तूं ST मरे, तूं OBC मगो, उपरांत त्या भुरग्यांक उर्णेपण दिसता.

Mid day meal ही येवजण चालीक लावन सरकारान एकदम बरें पावल मारलेलें. सगळीं खुशाल जाल्लीं. भुरग्यांच्या पोटाक भूक लागताली आनी उपरांत तीं कसलीय खावड खातालीं. भायली खावड खातकच कितें जाता हें आनीक सांगपाची गरज ना. आतां शाळांनी मेळटा म्हणटच भुरगीं घेतालीं. पूण भुरग्यांक खंय खबर तें खाण तांकां विखापरी जातलें म्हण? हालींच कितल्याश्याच स्कुलांनी हें खाण खावन भुरग्यांची हालत बिगडून तीं हॉस्पीटलांनी उरलीं. कित्याक जेवणाचेर लक्ष ना, त्या खाणांत विखारी जीव पडून कितलेच फावट भुरग्यांची हालत गंभीर जाल्या आनी उपरांत तांची आवय-बापूय दुकांनी रडटात हेंवूय आमीं पळेलां. हाकाच लागून आतां जायतीं भुरगीं हें खाण घेनांत. जाल्यार कित्याक? हाचेर आमी लक्ष दिवंक जाय. भुरग्यां पासत इतलें करतात तरी आसतना उमत्या कळशार उदक असलीच गत हांगासर जाल्या. अधिकाऱ्यांनी हाचेर लक्ष दिवंक जाय आनी भुरग्यांक बरें निवळ खाण दिवंक जाय. कित्याक आमचींच भुरगीं तीं आनी आमीच तांचो सांबाळ करूंक जाय. हाकाच लागून सरकारान हाचेर लक्ष दिवंक नवी समिती वेंचून काडल्या.

गांवांतल्या सरकारी प्राथमिक शाळांनी कोणूच भुरगीं ना जावन ह्यो शाळा बंद जावंक पावल्यात. जाल्यार कित्याक भुरग्यांक ह्या शाळांनी घालिनात काय? ह्यो सरकारी शाळा बंद पडूंक कारण कितें? थोडीं म्हणटात सरकारी शाळांनी भुरग्यांक इंग्लीश सारकी शिकयनात म्हण आमी भुरग्यांक इंग्लीश स्कुलांनी घालतात. आतां आपलीं भुरगीं म्हणटच आवय-बापूय आपल्या भुरग्यांक बरें शिकोवपाक घालतलीं हातूंत दुबाव ना. पूण हांगासर मातशे आमी दोळे उकते दवरूंक जाय. गोंयच्या जायत्या म्हान मनशांनी आमकां पुर्तुगेजांच्या गुलामपणांतल्यान सुटका मेळोवन दिवंक आपलो जीव वगडायलो. आपले मांय भाशेची राखण करूंक दिस-रात वावुरले. पूण आतां हेच मांय भाशेक आमी फाट करतात. भुरग्यांचें मुळावें शिक्षण तांचे मांय भाशेंत जावप गरजेचें. हेर भासो शिकच्यो न्हय अशें हांव म्हणना पूण जेन्ना आमीच आमची मांयभास शिकचीं नात तेन्ना हेर भासो शिकून कसलो फायदो? जेन्ना भुरगीं एक ते चवथी मेरेनचें शिक्षण सरकारी प्राथमिक शाळांनी घेतात आनी फुडलें शिक्षण घेवंक स्कुलांनी येतात तेन्ना तांकां इंग्लीश माध्यमांत शिकिल्ल्या भुरग्यांची

लज दिसूंक लागता. भाशेच्या माध्यमाकलागून तांचो एकामेकांकडेन संपर्क जावंक पावना. ज्या भुरग्यांक इंग्लीश भास उलोवंक कळना तांकां गांवांतलीं अशें म्हणटात. ह्या इंग्लीश भाशेक लागून जायतीं भुरगीं लजेन आपलें फुडलें शिक्षण घेवप सोडून दितात. हेर राज्यांनी तशेंच देशांनी अशें ना. कित्याक तांकां पर्याय दिल्ले आसतात. एकतर तांणी इंग्लीश भाशेंत फुडलें शिकप करप वा आपले मांय भाशेंत. शाळांनी तशेंच स्कुलांनी ह्यो दोनूय भासो शिकोवप गरजेचें. पूण ह्यो भासो शिकोवपाक त्या-त्या विशयांत कुशळ आशिल्ल्याच शिक्षकांक निवडप हेवूंय गरजेचें. Undergratuate teacher म्हणटात आनी तांकां खंयचोय विशय शिकोवपाक दितात. अशें कशें जांवक शकता म्हण विचारल्यार जाप मेळटा आतां पावस खंयच्याय म्हयन्यांत झडटा न्हय! आनी हाकाच लागून आतां चडशीं भुरगीं कोंकणी मुळाक्षरां सारके तरेन काडनांत. कोंकणी भास आनी व्याकरण शिकोवप हें दुसऱ्या खंयच्याय विशयांत कुशळ आशिल्ल्या शिक्षकाचें काम न्हय. इंग्लीश शिकयता आसतना शिक्षकान भुरग्यांकडेन सक्तीन इंग्लीशींतूच उलोवंक जाय आनी कोंकणी शिकयतना कोंकणी शिक्षकान भुरग्यांकडेन कोंकणी भाशेंत उलोवंक जाय. अशें केल्यारूच भुरगीं दोनूय भासो शिकूंक पावतलीं आनी आपल्याक जाय त्या क्षेत्रांत यसस्वी जातलीं.

आमचीं भुरगीं आमची गिरेस्तकाय, व्हडविकाय, तांचें बरेंपण आमीं चिंतूंक जाय कित्याक तींच भुरगीं आमचो फुडार. ■

– बासिल्य त्रावासो
कुडचडें – गोंय. मो. : ९७६७२५०७२३



- दिलीप बोरकार

शीर्षकथा

राजकारण्यांक कदेलावेल्यान हालोवंक परिशदेच्या कदेलार युवाशक्त जाय

२८ फेब्रुवारी ते २ मार्च २०१४ ह्या काळांत बेळगांवची कोंकणी साहित्य परिशद, अखिलभारतीय कोंकणी परिशदेचें २९वें अधिवेशन घेता. अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचें हें अमृत महोत्सवी वर्स. परिशदेक ७५ वर्सां पुराय जातात. ७५ वर्सां म्हळ्यार प्रगल्भतायेची तेंगशी. पूण हातांत जें आमंत्रण पडलां ताचेर आशिल्ली तीन दिसांची भरगच्च कार्यावळ पळयत जाल्यार तातूंत कसलेच तरेची प्रगल्भताय दिसना. दिसता तो फक्त तीन दिसांचो उत्सव. परिशदेचो जल्म ज्या उद्दिश्टां पासत जालो तीं उद्दिश्टां पाऊणशीं वर्सां सरलीं तरी अजून शार्ती पावूंक नांत. म्हणटकच आमी परिशदेच्या नांवान जी कितें भोगावळ चलयल्या तिचो खर्‍यानीच कितें उपेग आसा काय परिशदेचें अधिवेशन घेवंक जाय म्हुण तिचें आयोजन करून आपलोच थातोमातो करपाचो कांय लोकांचो हो डाव आसा हाचेरूय विचार जावपाची गरज आसा.

नाय म्हळ्यार हे परिशदेंत कोंकणी माध्यमप्रस्नाक वाचा फोडूंक 'कोंकणी शिक्षण : दिशा आनी दशा' हो विशय परिसंवादांत घेतला. हो विशय चर्चेंत घेवपाक पविशदेक ७५ वर्सां

रावचें पडलें? हो विशय हे आदीं केन्नाच भासाभाशेक येवंक ना? येवंक ना जाल्यार कित्याक येवंक ना? आयिल्लो जाल्यार आयज गोंयच्या कोंकणी शिक्षणाची दिशा चुकून तें हे दशेर कित्याक पावलें? आयज कोंकणी शिक्षणाची दशा कितें जाल्या हें आमकां सगळ्यांक खबर आसा. ताचीं कारणांय आमकां खबर आसात. पूण आमकां दर परिशदेक चवर्णाखातीर एक विशय लागता हें जालेंच, पूण कांय लोकांचो माचयेर आस्पाव करून घेवपा खातीरूय वेवस्ता करपाची गरज आसता. परिसंवादाक हे विशय परते परते येतात ताचें फाटलें कारण तेंच आसता.

शिक्षणाचो विशय कोंकणी समाजाक आदर्श समाज करपाक खूब म्हत्वाचो. त्या विशयाचेर दर परिशदेक विचार जाला. आदल्या खंयच्याय अध्यक्षांचें भाशण चाळून पळयात. खंय ना खंय ह्या विशयाक स्पर्श जाल्लोच आसा. पूण ह्या विशयाक दिशा दिवपाचो वावर प्राधान्य तत्वाचेर जावंक जाय आशिल्लो तो मात जालोना. कोंकणी भाशा मंळान आपले परीन थोडी धडपड केल्ली पूण ती ॲकडॅमीक पावंड्याचेर. खरी गरज आशिल्ली ती लोकांक हे बाबतींत जागृत करपाची. तें काम भाशा मंडळा वांगडाच कोंकणी अकादेमीचें आशिल्लें. पूण 'अकादेमी' हाचो अर्थूच खबर नाशिल्ल्यांच्या हातांत ही अकादेमी उरली आनी फक्त कदेल तापोवन मलिदो खावपा पुरतीच अकादेमीचें अस्तित्व उरलें. सरकार अकादेमीक अनुदान दिता तें पगारदारांक पोसपाक न्हय तर लोकांमदीं वचून तांकां शिक्षित करून दिका दाखोवपा खातीर आसा म्हणपाचें भान अकादेमीन केन्नाच बाळगिल्लें ना. तेच पासत आयज शिक्षण हे दशेक पावलें. लोकांच्यो उरपंज्यो इंग्लीश माध्यमाखातीर

कोंकणीचो प्रस्न बेगीन सुटत सो दिसना.

भायर सरूंक लागल्यो. आनी आमी मात अजून परिसंवाद घेतात. कितें म्हणपाचें हांचे अकलेक!

कोंकणी परिशदेचे कोंकणी मनशाचेर खूब व्हडले उपकार आसात. कोंकणी समाजा सारको कुडके कुडके जावन धा कडेन शिंपडिल्लो, हुमटल्लो, विघटीत भाशीक समाजाक जागृत करून एक भास, एक लिपी, एक साहित्य, एक समाज ह्या सुत्रान एकठांय येवपाची गरज आसा हो मंत्र हे परिशदेन दिलो. पूण ह्या मंत्राक कोंकणी समाजा भितर प्राण फुंकपाक फावो त्या प्रमाणांत यश मेळूंक ना म्हणपाचें जाणवता आनी तेच पासत आयज जीं परिशदेचीं अधिवेशनां दर दोन वर्सांनीं भरतात तांकां भोगावळ अशें खंतीन म्हणचें पडटा.

आयोजक आपले परीन रातीचे दीस करून आयोजन घडोवन हाडटात. तांच्या ह्या वावराक नांवां दवरप म्हळ्यार तांच्या वावराचेर आनी निश्ठेचेर दुभाव घेवप अशें निखालूस न्हय. तांचेर दुभाव घेवप म्हळ्यार स्वत:च्या कर्तृत्वाक उणाक लेखप. तरी लेगीत परिशदेकडल्यान जी अपेक्षा म्हज्या सारख्या सर्वसामान्य वावुरप्यान बाळगिल्ली ताका परिशदेची खंयचीच मोख पुर्णायेक पावल्या म्हणपाचें दिसना तेन्ना उलयल्या बगर आनी बरयल्या बगर रावूं नज जाता. तेच पा जेन्ना जेन्ना परिशदेच्या आयोजनाच कार्यावळ हातांत पडटा तेन्ना परिशदेक कोण वेंग मारून रावल्यात तांकां हालोवंचें पडटा.

१९३९ वर्सा अखिल भारतीय पावंड्या कोंकणी चळवळ परिशदेच्या नांवान सु जाल्ली ताचें कारण कितें आशिल्लें? चळवळीची खऱ्यानीच गरज आशिल्ल काय कितें? हाचो नियाळ करपाची सद्य वेळ आयल्या. कोंकणी चळवळीचो का हो ७५ वर्सांचो जरी धरलो तरी ह्या काळां जी कितें मोख आमच्या द्रश्ट्या जाण्टेल्यां धरिल्ली ती पुराय जावंक पावली का कितें हाचो जेन्ना विचार जाल्लो दिसन तेन्ना परिशद म्हळ्यार 'कांय लोकां स्वताक नाचोवन घेवपाची कार्यावळ म्हणटल्यांचीं तोंडां कोणाच्यानूच बंद करूं जावंचिनांत.

अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य परिशद कारवारांत १९३९ वर्सा स्थापन जाली. थंय पयली बसका ८ आनी ९ जुलय दिसा जाली. परिशदेचो संस्थापक आनी पयलो येवकार अध्यक्ष माधव मंजुनाथ (शणै) शानभाग आशिल्लो विश्वनाथ पांडुरंग प्रभू हो अध्यक्ष आशिल्लो. कोंकणी विश्वकोश म्हायती दिता त्या प्रमाण परिशद स्थापन करप फाटलो हेत आशिल्ले ते अशे –

१. कोंकणी भाशा उलोवपी विंगड विंगड प्रातांतल्या लोकांचो एकवट घडोवन हाडप.

२. लोकांभितर कोंकणी भाशेचो मोग वाडोवप.

३. कोंकणी भाशा एकरूप करूंक वावरप.

४. कोंकणी भाशेची मूळ आनी राष्ट्रीय लिपी देवनागरी हीच कोंकणी भाशेंत उपेगांत हाडप.

माटवांत फुडाचां फाटलीं कदेलां अजुनय रिकामींच दिसपा फाटलें कारण सोदूंक जाय!

५. कोंकणी सरस्पत आनी संस्कृताय वाडोवप आनी पातळावप.

हांव पयल्या णव बसकांक खासा विटनेस ना. पूण आयकून, वाचून ह्या परिशदांची म्हायती म्हाका घडल्या. आमी कोंकणी उलोवपी लोक भारतांतल्या हेर भासो उलोवपी लोकांवरीच संस्कृतायेन आनी संस्कारान व्हड म्हणपाची वळख म्हाका म्हायतीन दिल्या. पूण ह्या कोंकणी लोकांच्या वांट्याक धतरेवेल्या हेर खंयच्याच लोकांच्या वांट्याक येवंक ना असलीं अरिश्टां आनी संकश्टां आयल्यांत. एकसंघ आशिल्ल्या कोंकणी समाजाक चार वेगवेगळ्या राज्यांनी आनी पांच विंगविंगड सांस्कृतिक परंपरांनी वांटून घाले. कोंकणी मनशाचो एक वांटो फिरंगी संस्कृतायेंत घुसमटत, चिड्डत रावलो जाल्यार दुसरो मराठी संस्कृतायेंत विरगळ्ळो. तिसरो वांटो कर्नाटकाच्या आल्याशिऱ्याक वचून रावलो जाल्यार चवथो एक वांटो केरळांत वचून मल्याळी संस्कृताये पोंदा आपल्याक तिगोवन दवरूंक धडपडपाक लागलो. ह्या वेगवेगळेकडेन फाफसल्ल्या कोंकणी समाजाक जर असोच देवाक सोडून दिल्लो जाल्यार एक दीस तो मोस्त्राक लेगीत दिश्टी पडपाचो ना म्हणपाची जाणविकाय आमच्या शणै गोंयबाब, माधव मंजुनाथ सारख्या म्हापुरसांक जाली आनी जळामळाक शिंपडिल्ल्या, वेगळ्या परंपरांनी वाडिल्ल्या कोंकणी समाजाक संस्कृतायेचे नदरेन एकठांय हाडपा पासत ही परिशद जल्माक आयली. कोंकणी मनशाक एक भास, एक लिपी, एक साहित्य, एक संस्कृती' ह्या एकाच सुत्रान बांदून रावून एक खाशेली परंपरा निर्माण करपा पासत आपलेंशें व्यासपीठ गावलें.

ह्या व्यासपीठाक ७५ वर्सांचो इतिहास आसा आनी हे परिशदेक लागून विस्कळीत जाल्लो कोंकणी समाज थोड्या प्रमाणांत काय जायना एकठांय आयलो. जे भाशेक व्याकरण ना, लिपी ना, साहित्य ना इतलेंच न्हय तर ती भासूच न्हय अशें म्हणत हिणसायताले ते भाशेच्या पुतांनीं ह्या ७५ वर्सां भितर हे भाशेक हेर भारतीय भासांमदल्या म्हत्वाच्या भासांवरींच एक साहित्यिक भास म्हणपाची मान्यताय जोडली. तिका साहित्य अकादेमीची मान्यताय मेळोवन दिवन तिच्या गिरेस्त भयण भासांचे पंगतीक तिका बसयली. तिका तिजो हक्काचो प्रदेश दिलो. प्रदेशाच्या राज्यभाशेच्या सिंवासनार बसयली. विश्वविद्यालयांत तिका अध्ययन तयार करून दिलें. घटनेचे आठवे वळेरेंत व्हेली. इतलेंच न्हय तर ते भाशेचे मांडयेर ज्ञानपीठ पुरस्कारूय हाडून दवरलो. हें सगळें जैत फावो जालें तें शणै गोंयबाब, माधव मंजुनाथ सारख्या द्रष्ट्यानी ७५ वर्सां आदीं परिशदेच्या रुपांतल्या रोयिल्ल्या रूखाक लागून. ताचींच फळां आयज आमकां फावो जाल्यांत. पूण हीं फळां बेश्टींच



गोंय आमचें मूळ पीठ... कोंकणी आमची भास...!

देड दिसांची चवथ आनी देड दिसांचो गणप
म्हणटाले.

वर्सान वर्स चवथ येता आनी त्या दिस
गणपतीची मूर्त हाडून तिची पूजा करतात तश
परिशद जावं संमेलन ही देड दिसांची परब. गणप
हाडलो, पुजलो, ताच्यो आरत्यो केल्यो, फुगेट्
मारल्यो, गोडशीं करून खालीं आनी एकदांच
व्हरून पावयलो म्हणटकूच आमी आपापणाल
कामां करूंक मेकळे जातात. मागीर, फुडल्य
वर्साची वाट पळेतात.

कोंकणी वावुरपी आनी साहित्यिकांच्य
जिवितांतूय एका वर्सा साहित्य संमेलन आन
एका वर्सा परिशदेचें अधिवेशन असल्या रूपा
ही चवथ येता. त्या निमतान एक येवकार समिती
घडयतात, एकठांय येतात, एक अध्यक्ष वेंचू
काडटात, ताचें भाशण आयकतात, कांय थारा
हाडटात, तांचेर खूब भासाभास करतात, एकामेकांचो शीण काडटा
आनी संमेलन, परिशद सोंपली म्हणटकच घरा वतात आनी
आपापणाल्या कामांत गुल्ल उरतात. अध्यक्ष म्हुण असल्या एक
मनशाक वेंचून काडटात की जो देड दीस संमेलन, परिशद सोबोवंक
कदेलार बसता. गणपती म्हुण तो येवं पूण देड दिसांचो न्हय. नवे
संमेलन, परिशद येसर आनी नवो अध्यक्ष वेंचून काडीसर हो
अध्यक्ष संमेलनाची, परिशदेची घुडी आपणाल्या हातांत घेवन

मेळूंक नांत. तीं मेळोवपा पासत त्या रूखाची मशागत करूंक त्या उप्रांत कितल्या तरी पिळग्यांनी आपल्या रगताचें उदक करून तो रूख शिंपला. पूण हेंवूय तितलेंच खरें, त्या रुखाक लागिल्लीं फळां खावपाचे धुंदींत त्या रूखाक लागपी रोठो मात कोणाचे नदरेक पडलोना. जांकां फळां चाखूंक मेळनांत ताणीं दुस्वासान ह्या रूखाचीं मुळां हुमटुवपाचो वावर सुरू केला हाचेकडेन कोणाचें लक्ष गेलेंना. हाकाच लागून जी मोख नदरे मुखार दवरून हो परिशदेचो रूख लायिल्लो तो आतां मातये भरवण जावपाकडेन पावला. त्या रुखाची जाता ती आतां पूजा. तो रूख भितरल्यान पोखरला हाची कोणाक जाणविकाय ना. आसल्यारूय पूजा करपाचे भोगावळीक लागून तांकां जें सूख लाबता त्या सुखाक संवकल्ल्या ह्या म्हालगड्यांक रूख नासलो तरी पूजा चलतूच उरतली म्हणपाची खबर आशिल्ल्यान तांची वेवस्तीत आडनदर चल्ल्या. देखून तांकां पुजेंतल्यान, घंटानादांतल्यान, पंचपक्वानांतल्यान साबुद्दीर हाडून परत एकदां शेंस मारपाची गरज उप्रासल्या.

रवीन्द्रबाब केळेकाराकडेन कोंकणी परिशदो, लेखक संमेलनां हांचेविशीं गजाली मारतना रवीन्द्रबाब आयच्या ह्या परिशदांक आनी संमेलनांक

सगळ्या कोंकणी समाजाक आमी एकठांय हाडूंक जाय...!

अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेक खंयच्याच विशयाचो पारसो ना

– डॉ. तानाजी हळर्णकार



अ. भा. कों. प. ही एकमेव राष्ट्रीय कोंकणी संस्था. गोंय, महाराष्ट्र, कर्नाटक आनी केरळ अशा चारय प्रदेशांतल्या कोंकणी लोकांची ही प्रातिनिधीक संस्था. ह्यां चारय प्रदेशांतल्या, कोंकणी भास, साहित्य, शिक्षण, संस्कृताय आनी समाज हांचे संबंधिच्या दर एका प्रस्नाकडेन परिशद निगडीत रावल्या. आतां मेरेन जितके म्हणून कोंकणीचे प्रस्न उप्रासले तांचो प्रतीध्वनी परिशदेंत निनादल्याबगर रावूंक ना.

गोंयचें कोंकणी राज्य, राजभास कोंकणी, संविधानाच्या आठव्या परिशिश्टांत आस्याव, साहित्य अकादमीची मान्यताय, प्रादेशीक अकादमी स्थापना, कोंकणी शिक्षण अशे साबार विशय एका परस चड फावट परिशदेच्या व्यासपिठार आयल्यात.

ज्या विशयांक धरून कोंकणी चळवळी जाल्यात, आंदोलनां घडल्यांत त्या विशयांचेर पयलीं परिशदेच्या व्यासपिठार चर्चा जाल्या. थंयसून प्रेरणा आनी मार्गदर्शन घेवन उप्रांत वेगवेगळ्यां संघटणांनी प्रत्यक्षांत आंदोलनां चलयल्यांत. परिशदेन प्रत्यक्षांत खंयच्याच आंदोलनाचें नेतृत्व केलें ना आसलें, तरी अशां आंदोलनांक परिशदेकडसून नैतीक आनी वैचारीक बळगें प्राप्त जालां. परिशदेन अशा आंदोलनांक विचार दिला, बुद्द दिल्या आनी मनीसबळय दिलां.

शिक्षणाच्या माध्यमाचो विशय जायते फावट परिशदेच्या वर्सुकी संमेलनांत तसो खाशेल्यां बसकांनी विचार मंथनाखातीर आयला. २८फेब्रुवारी १ आनी २ मार्च २०१४ जातल्या परिशदेच्या बेळगांवांत जावपी २९व्या अधिवेशनांतय हो विशय पर्थुन येता. 'कोंकणी शिक्षण-दिशा आनी दशा' ह्या परिसंवादांत शिक्षण-माध्यम धरून, कोंकणी शिक्षणाच्या सगळ्या आंगांचे विचार मांडपा खातीर शिक्षणतज्ञांक आमंत्रीत केल्यात.

शिक्षण ह्या विशयावयल्या परिसंवादांत, शिक्षण-माध्यम हो उप-विशय मध्यवर्ती सुवातेर उरप सभावीक जाता. कोंकणीच्या मळार वावुरतलो अशे उमेदीचो आसूंक जाय आशिल्लो.

आयज आमी संमेलनाच्या जावं परिशदेच्या अध्यक्षपदाचेर कोणाक बसयतात तें फाटले कांय अध्यक्षांची वळेरी पळयल्यार कळटलें. जांकां फुडलें कांयच दिसना, जांकां हाताक धरून माचयेर व्हरून बसोवंचें पडटा असल्यांक तांची सिनियोरिटी पळोवन हें पद दितात. तें आपले उपरांत कोणाक मेळचें हें पयलींच थारता आनी ते नदरेन मागीर सगळी वेवस्ता घडोवन हाडटात. परिशदेचे अध्यक्ष, सचिव, भांडारी धरून सगळे वांगडी हे ब्युरोक्रॅट्स मनोवृत्तीचे आसतात. तातुंतले कोण निवृत्त सरकारी अधिकारी, बॅन्क अधिकारी वो शिक्षक आसतात.

तांचे जोडीक एक मोरपांख आसता तें ते कवी वो लेखक म्हुण. पूण मनोवृत्ती ब्युरोक्रॅट्सांची आसता ती कशीच तांचेपासून पयस जायना. हांची निर्णय घेवपाची दरेक क्षमता बोटचेपी आसता. सत्ताधाऱ्यांक तर आमी दुखयनात मू? ते दुखले जाल्यार कोंकणीक जो आर्थिक पालव मेळटलो तो मेळचोना, सरकाराच्या आड उलोवंक फावना, आपूण तांच्या काळे यादींत पडटले. निश्क्रिय जाले म्हुण कितें जालें? जाण्टे ते. तांकां आतांच परिसंवादांत संद दिवंक जाय. असले विचार करून मसुंडेची वाट चलप्यांक ह्या परिशदेंत आसपावन घेवपाचें घडटा. फक्त दोळ्यांक उदक लावपा खातीर एक दोन नव्या रगताक संद दितात. हें नवे रक्तूय सद्या असल्या अडेच्या मोठेपणाक संवकल्लें आसा. ते शाळा कॉलेजींतले शिक्षक आसतात आनी तांचीय मोख ह्या ब्युरोक्रॅटीक विचारसरणीच्या लोकांनी घाल्ले वाटेवेल्यान चलपाचीच आसता. ह्या आदीं कोणाच्या लक्षांत गेल्लें नासत जाल्यार हे परिशदेक मुजरत नदर मारून पळयात.

आतां तरी परिशदेच्या जाळवणदारांनी वो आयोजकांनी परिशदो आनी संमेलनां म्हळ्यार आपलेच भितर कंपू करून आपले मर्जेंतल्या 'कातडीबचाऊ'क कदेलां तापोवंक दिवपाची संद असो जो अर्थ लावन घेतला तो सोडूंक जाय. परिशदेचें अध्यक्षपद म्हळ्यार कायलींतली ल्हाय कशी? जाण्टेपणांत वो निवृत्ती उप्रांत हेर कांयच काम ना म्हुण कोणाचें तर अस्तित्व तिगोवन दवरपा पासत हें पद तांकां दिवप म्हळ्यार परिशदेच्या उद्दिश्टांक चुट्टी लावप. १९३९च्या काळांत हिन्दुस्तानांत सगळीं देशी संस्थानां विलीन जावपाचें वारें व्हावंक लागलें. स्वतंत्रतायेचें झूज चलोवपी कॉंग्रेसीन तशी शिटकावणी दिल्ली. महात्मा गांधीन भाशेच्या तत्वाक धरून प्रांत घडोवपाचो पाखो घेतिल्लो. तांचेर पातयेवन संयुक्त कर्नाटक, संयुक्त महाराष्ट्र, संयुक्त आंध्र, गुजरात बी नवे प्रांत मागपाक लागिल्ले.

परिशदेंत विशाल गोमंतकाचो प्रस्न येवंक जाय.

– रवीन्द्र केळेकार

विशाल गोमंतकाचो प्रस्न अजून सुटूंक ना. कर्नाटक, महाराष्ट्राचें सीमेप्रस्ना वेल्यान झगडें चल्लां तें शिमेर. सामकें तेंकून. फाल्यां केंद्रान ह्या झगड्याचें कोम्पोझिसांव केलें आनी कारवार, सुपा, हल्याळ हो वाठार काडून महाराष्ट्राक दिलो जाल्यार?

सीमा प्रस्न महाराष्ट्राचो न्हय. कर्नाटकाचोय न्हय. कित्याक कारवार, सुपा, हल्याळ वाठार दोगांचोय न्हय. तो वाठार आमचो. गोंयचो. कांय इतिहासीक अपघातांक लागून तो एकल्याकडेन उरला. दुसरो तो घेवंक भायर सरला. आनी आमी तुमचें झगडें आमकां लागना म्हुण खांके वरशे करून बसपाचें?

आमच्यांत सत्व आसा जायत जाल्यार आमी केंद्र, महाराष्ट्र आनी कर्नाटक ह्या तिनूय सरकारांक सांगूंक जाय, आमकां विचारले बगर ह्या प्रस्नांचो सोक्षमोक्ष लायत जाल्यार खबरदार...

(रवीन्द्रबाब केळेकार हांचे कडल्या वार्तालापांतल्यान ताणीं उक्तायल्लें मत)

माधव मंजुनाथ शानभाग ह्या द्रश्ट्या कोंकणी मनशाक कोंकणी लोक नव्या हिन्दुस्तानांत आयज आसा तसोच धा कडेन शिंपडिल्लो उरतलो काय एकठांय येवन एक खेरीत 'कोंकणी प्रांत' घडयतलो? हो प्रस्न पडलो. बाकीच्या प्रांतां मुखार भाशेचो कसलोच प्रस्न नाशिल्लो. कन्नड, मराठी, तेलुगु, गुजराती ह्यो 'भासो' म्हुण मान्यताय पाविल्ल्यो आनी तातुंतल्यान साहित्य निर्मिती जायत आशिल्ली. कोंकणी भाशेक भासूच न्हय म्हणपी लोक खासा कोंकणी लोकांमदींच आशिल्ले. हें सगळें पळोवन 'कोंकणी परिशद' घडोवन हाडपाचो विचार तांचे तकलेंत आयलो आनी ते पासत माधव शानभाग वसई सावन कोची मेरेन भोंविल्ले. समाजांत पत आशिल्ल्या लोकांक वचून मेळिल्ले. तांकां त्या वेळार फावो तसो येवकार मेळूंक ना. गोंयकारांनी तर तांकां पिशांत काडून फकाणां मारिल्लीं अशें रवीन्द्र बाब सांगीऽ. पूण माधवश निर्शेनासतना वावुरले आनी पयली परिशद घडोवन हाडली. तांच त्या वावराचें फळ म्हुण आयज कोंकणी ह्या स्तरार पावली कोंकणींत भरभरून साहित्य आयलें. पुरस्कार आनी राजकी मान्यताय मेळ्ळी. पूण हेर उद्दिश्टां पुर्णायेक पावंक शकलीं नां कारण कितें तर माधव मंजुनाथ शणै आनी शणै गोंयबाब सार तळमळीन काम करपी अध्यक्ष परिशदेक लाबलेनांत. १०वे परिश मेरेन अध्यक्षानी अध्यक्षपदाची लागणूक गांभिर्यान घेवन त्य पदाक न्याय दिलो. जशी कोंकणीक मान्यताय मेळून पदां, पुरस्का आनी मोठेपणां मेळपाची वेवस्ता जाली तेन्ना अध्यक्ष परिशदेच उद्दिश्टां विसरून ह्याच गजालींत घुस्पून उरले. जांकां तें मेळन जालें वा मेळूंक कळाव जावंक लागलो तेन्ना आपले भितरून धोशी सुरू जाल्यो.

हें सगळें आतां पळयत जाल्यार आमी आमकांच प्रस्न विचारू पळोवपाची वेळ आयल्या. परिशदेचें उद्दिश्ट आशिल्लें कोंकण भाशा उलोवपी विंगड विंगड प्रांतांतल्या लोकांचो एकवट घडोवन हाडप. फाटल्या परिशदांक वेगवेगळ्या प्रांतांतल्या प्रतिनिधींची गर्दी जाताली ती हालींच्या काळार विरळ कित्याक जाली जाण्टेले सोंपले अशें धरल्यार नवी पिळगी कित्याक दिसना?

दुसरें उद्दिश्ट आशिल्लें कोंकणी भाशेविशीं लोकां भितर कोंकणी भाशेचो मोग वाडोवप. परिशद हो मोग वाडोवंक अपेशी कित्याक थारली? कोंकणी परिशदेक ७५ वर्सां सरलीं तरी कोंकणी मनीस आपली भास उलोवंक लजता. कोंकणी शाळांची वेवस्ता जायना. इंग्रजीचें प्रस्थ वाडत आसा. सरकार तर लोकांचे इत्से प्रमाण इंग्रजी माध्यम आमी दिलां अशें सांगता. परिशदेचे आदले अध्यक्ष जे कोण हयात आसात ते हाची जाप दियीत?

तिसरें उद्दिश्ट कोंकणी भाशा एकरूप करूंक वावरपाचें आशिल्लें. फाटल्या दोन तीन अध्यक्षांनी ते पासत कितलो प्रयत्न केला? काय तें उद्दिश्ट पुर्णायेक पावून कोंकणी भास एकरूप जाल्या?

चवथें उद्दिश्ट आशिल्लें कोंकणी भाशेची मूळ आनी राष्ट्रीय लिपी देवनागरी हीच कोंकणी भाशेंत उपेगांत हाडप. ते पासत पविशदेन कितें वावर केला? परिशदेच्या अध्यक्षांनी दोन वर्सांच्या काळांत रोमी लिपीचो आग्रो धरपी, कन्नड लिपीचो आग्रो धरपी कोंकणी फुडाऱ्यांकडे वो समाजाकडे संपर्क करपाचो एकदां तरी प्रयत्न केला? हीच परिशद तोंडार आसतना मंगळुराक रोमी आनी

राजकारण्याचे विकृतायेक बुध्द शिकोवपाची ही वेळ

– राजू नायक

बेळगांव जातल्या अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या अधिवेशनांत गोंयांतल्या शिक्षण माध्यम प्रस्नाचेर हय ना हय करीत भुमिका घेवपा पासत एका परिसंवादाचें आयोजन केलां ही तांतले तातूंत बऱ्याची खबर. कोंकणी परिशदेची स्थापनाच कोंकणी लोकांचे प्रस्न, तांचे उत्फर्के आनी अस्तित्व हे विशीं जागृत भूमिका घेवन, ते दिकेन कार्य करप हे खातीर आसा. कोंकणी परिशदेक असलें क्रियाशील कार्य करूंक रस ना, हावेस ना आनी कार्यावळय नासत जाल्यार परिशदेच्या अस्तित्वाविशींच दुबाव निर्माण जातलो.

परिशदेन राजकी, सामजिक विशयावेले ठराव घेवप ना आनी तसल्या प्रस्नांक फुडाय करप ना अशेच कितें शे निर्णय घेतल्यात अशें म्हज्या कानार पडिल्लें. पूण शिक्षण माध्यम प्रस्न हो गोंयांत जरी आज राजकी प्रस्न जाल्लो आसलो तरी तो पुरायेन गोंयच्या सांस्कृतिक, शैक्षणिक मळाकडेन संबंदित आसून राज्याच्या अस्तित्वाकडेनूच ताची लागणूक आसा. कोंकणी भाशा जर फुडाराक उरतली, तिची वाड जातली जाल्यार शिक्षण ते भाशेंत चलूंक जाय. तिचो अभ्यास जावंक जाय आनी नवे पिळगेकूय तिचे तांकीचो दिश्टावो जावंक जाय. ते भायर कोंकणी ना जाल्यार गोंय ना हेंय म्हत्वाचें सत! ज्या खिणाक गोंयांतल्यान कोंकणी ना जातली त्या खिणाक आमचें अस्तित्व सोंपतलें, आनी गोंयचेंय! आमच्या फुडाऱ्यांक असलेंच धेडगुजरें गोंय घडोवपाचे दुवाळे लागल्यात म्हणून ते असल्या भासांक नखलामी करूंक सोदतात. आपलो स्वाभिमान आनी स्वत्व, अस्मिताय नाशिल्लो मनीस मेंगो जाला. राजकारण्यांक घडये तसलेच लोक आपणाल्या सुवार्था खातीर घडोवपाची वान्सा जाल्या. ते विकृतायेक बुध्द शिकोवपाची वेळ आयल्या. ते नदरेन कोंकणी चळवळीची ही कसवटणी आनी अशा वेळार परिशदेसारकी मुळावी संस्था ओगी बसत जाल्यार आमच्या लोकां सामकार योग्य संदेश वचचोना!

गोंयच्या अस्तित्वाचे जायते प्रस्न सामकार येत आसात. पर्यावरणापासून शिक्षणा मेरेन हे प्रस्न आसात. गोंयचे उद्योगीक आनी चड करून अर्थकारण इबाडन गेल्ल्याचे परिणाम आमी भोगतात. गोंयांत भायल्यांचीं लहारां निर्माण जायत आसात. तातुंतल्यान आमची भास अस्तित्वाचें झूंज लडटा. मतींत घेवंक जाय, गोंय आनी कोंकणी हांचो गोफ एकमेकांत भरमूनच उरचो पडटलो. तेन्नाच तो फुलतलो आनी चड सुंदर जायत बनलो. कोंकणी आनी गोंय उरचेंना तेन्ना परिशदेचें अस्तित्व सोंपतलें. अशा वेळार परिशदेन म्हत्वाच्या प्रस्नांक फाट करून आपलें सवंग विटूंक दिवंक उपकारना.

(राजू नायक हे अ. भा. कोंकणी परिशदेचे आदले सरचिटणीस जावन आसात)

कन्नड लिपयेंतल्या कोंकणी साहित्यिकांचें संमेलन घेवपाची तयारी चल्ल्या. हो एकवट कोंकणीचो?

पांचवें उद्दिश्ट आशिल्लें कोंकणी सरस्पत आनी संस्कृताय वाडोवप आनी पातळावप.

हांगा मात कोंकणी सरस्पतीची फाटल्या पन्नास वर्सांत आकांताळी वाड जाल्ली आसा. ती जावपाक पुरस्कार आनी अनुदान हांची रास आनी खातोड केल्या. पूण ती सरस्पत पातळावपा खातीर परिशदेन कसलोच प्रयत्न केलो ना. गोंयचें साहित्य कोची आनी कर्नाटकाक पावलें ना. तें गोंयच्याच कोंकणी मनशा मेरेन पावना. हें कित्याक लागून जावंक पावलें? ताचें एकच कारण परिशद निश्क्रिय लोकांच्या हातांत आसा. दोन वर्सां तें अध्यक्षपद घेवन अध्यक्ष आनी समिती न्हिदो काडटा.

अशे तरेन परिशदेचो वावर मुखार सरपाचो ना. आयजूय कोंकणी मनीस एकसंघ ना. तो लिपी, संस्कृताय, समाज, साहित्य अश्या आंगानी पयस पयस वचत आसा. ताका एकठांय हाडपाचें काम परिशद पोटलावन बशिल्ल्या ब्युरोक्रॅट्स मानसिकतायेच्या लोकांकडल्यान जावपाचें ना. तें काम रायटर्स जे फायटर्स आसात तांचें.

कोची जाल्ले अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य परिशदेचे बारावे बसकेक अध्यक्षपदा वेल्यान उलयतना भौ. रवीन्द्रबाब केळेकार हाणीं म्हणिल्लें, जळामळा शिंपडिल्ले सगळे आमी कोंकणी लोक आयज एकठांय येवया. एकमेकांच्या हातांत हात घालुया. एकामेकांचीं काळजां स्नेहान ओलीं करूया. आळसायेचीं, वेव्हारवादाचीं, निर्शेणीचीं, पोन्न्या संस्कारांचीं सगळीं पानां आंगावयलीं झडोवया आनी उमेदिचीं, उर्बेचीं, हावेसांची, कतृत्वाची नवी पालय न्हेसून आमच्या जिवितांतल्या रुतुराजाक मनापासून येवकार दिवया.

२९वी कोंकणी परिशद रूतराज वसंत हुंबऱ्यार पावला आसतनाच भरता. हे परिशदेंत हाचेर विचार जावंक जाय. विचार जावनूच ओगी रावंक फावना तर त्या खातीर पिशे कशे वावरूंक जाय. गोंय राखण मंच बॅनरा खाला कोंकणी युवा धोल ताशे घेवन रस्त्यार देंवला. तांच्या हातांत परिशदेचीं सुत्रां वचूंक जाय. तेंच कोची ते वसई मेरेन ह्या धोल ताशांचो आवाज पावयतले आनी परिशदेचें अंतीम उद्दिश्ट म्हळ्यार सिंधुदुर्ग ते कारवार, सुपा, हल्ल्याळ मेरेनचो कोंकणी प्रदेश एक करून 'कोंकणी राज्य' करपाचें सपन केळयतले. ■

Come, Discover India with...

YATRIK TRAVELS

Pioneers of Package Tours in Goa.

Bookings in full swing

Summer Special Tours to

ENCHANTING BHUTAN

22nd to 31st May

HIMACHAL SPLENDOUR

Starting 21st April upto May end.



EXOTIC KASHMIR

Starting 25th April upto May end.

FASCINATING NEPAL

27th April to 3rd May & 3rd May to 9th May

Individual Tours to RAJASTHAN & KERALA

Honeymoon Special Tours to KULU MANALI

Till March End

For more details & bookings contact

YATRIK TRAVELS

MARGAO: Baboy Commerce Centre, Nr Hari Mandir Ph: 2734968 / 2713455

PANJIM: Sarathi Travels, Sindhur 'B', S.V. Road. Ph. 2436943 / 6642561

CANACONA: Travel People, Mangalvan Complex, Chawdi. Ph. 2643934

E-mail: yatrik_travels@rediffmail.com

कथा

सोर्त

- उदय नायक

तेन्नाच एक चकचकीत कार तिगेल्या गाड्यामुखार थांबली. दार फटकून उगडलें. एक धवेफुल्ल कपडे घातिल्लो दादलो देंवलो. ताणें कांयवेळ मिशांचेर हात फिरयत हेवटेन तेवटेन पळयलें. मागीर तो धुलूमावशेक पळोवन हांसलो. हांसताना ताचो दायेवटेचो युलो भांगराचो दांत लिकलिकलो. ठप्प ठप्प बूट वाजयत तो धुलूमावशेच्या फुडयांत आयलो. सेंटाचो घमघमीत वास परमळलो. धुलूमावशेक त्या वासान कितेंशें जालें.

धुलूमावशेन जोरान स्टोव्हाक पंप मारपाक सुरवात केली. तेन्नाच पिकअप ड्रायव्हर सोमनाथ ताकतिकेन आयलो.

''धुलूमावशे... आगे पेढे दी बेगीन...''

''वोगी राव रे मेल्ल्या... तुजो आनी बोवाळ नाका आतां. खूब कामां आसात म्हाका. पीठ कालोवपाक जाय. भजीं करपाक जाय. मिरसांगो काडपाक जाय. कांदोय बी चिरून जालो ना अजून. चल मात्सो हांगाचो...'' ताचेर तिडकून धुलुमावशेन म्हळें. तिणें पेटयिल्ली फस्काची काडी वाऱ्याच्या झोतान पालवली. विटको पदर कंबराक खोवन तिणें ती पर्थून पेटयली. स्टोव्हाक लायली. काकड्यान उजो घेतलो. भकभक उजो पेटपाक लागलो. पेट्रॉलाचो काळो धुंवर फाफसलो. सोमनाथान तोंड कशेंशेंच केलें.

''धुलूमावशे फोट सांगना... तीन रस्त्यावयल्या सार्वजनीक गणपतीची सोर्त तुका लागल्या खंय. पयलें इनाम फारायलां तुवें..'' खर्शेत सोमनाथान सांगलें.

''तकली जाग्यार आसा मरे तुजी?'' धुलूमावशेन कंबरार हात दवरून म्हळळें. तिणें सोर्त काडिल्ली खरी पूण ती तिका लागत हें विस्वास बसपा सारकें नाशिल्लें. तिणें कायल स्टोव्हार दवरली आनी कॅनातलें दाडेल फसफसीत कायलींत रकयलें.

''आगे म्हाका त्या पंढरीन सांगलां.. पायलट पंढरी... वळखना तूं..? आमी तेका आरटिवो म्हण्टात पळय? तो... नंबराक आनी तेका पडना. खंयचेय गाडयेचो नंबर तेका पाठ... नंबरावेल्यान तो सांगता गाडी कोणाली ती... लास्ट एकूच सोर्त उरिल्ली खंय... तेका ज्यूस्त याद आसा तो नंबर... तुवें काडिल्ली ती सोर्त... ती सोर्त काड आनी पळय मुगे... चें...'' सोमनाथान आपलें म्हेळें जाल्लें कॉलर वयर करत म्हळें.

धुलूमावशी एकदम फुल्ली. सोर्त खंय दवरल्या तिका याद जायना जाली. तिचें सुरकुतें पडिल्ले हात बेठेच थरथरपाक लागले. कपलार घाम तरतरलो. तिणें पयशांचें पेटूल उगडून पळयलें... सोर्त थंय नाशिल्ली.

''खरें... खरें सांगता मुरे तूं?'' तिणें दोळे बिटबिटायत विचारलें.

''धुलूमावशे फोट सांगून म्हाका कितें मेळपाचें आसा? गाडयेची पात्रांव जातली तूं... हांव जावन जावन जातलों तुगेलो ड्रायव्हर. तेंवूय बी तुवें दवरल्यार... सोर्त सोद. आमी पळोवन येवया...'' गाड्याच्या फळ्यार बोटांनी टपटप वाजयत सोमनाथान म्हळें. हरशीं तशें धाडायल्यार धुलूमावशी रोकडीच ताचेर धेंगसो घालताली. पूण आतां ती वोगीच रावली. सोर्त सोदपाक लागली. पूण सोर्त मेळना जाली. खंय दवरता ती यादय जायना जाली. तिका एकदम खेळण्यो येवपाक लागल्यो.

''धुलूमावशे गडबड करूं नाका. टेंशन घे नाका. तुका खेळण्यो येवपाक लागल्यात. मागीर बेठेंच प्रेसांव वाडट्लें तुगेलें. घे उदीक पी हें...'' सोमनाथान फर्र करून जगांतलें उदक तिका पेल्यांत रकोवन दिलें. धुलूमावशेन तें गटगट करून पिलें. मागीर एकदम तिका याद जाली. गाड्यार घातिल्ल्या कागदाच्या पोंदा तिणें सोर्त दवरलेली ती. तिणें कागद वयर केलें. पोंदाक सोर्त आशिल्ली.

''सोमनाथ मेयळी रे सोर्त...''

''सांग सांग नंबर सांग...''

''तूंच पळय रे... म्हाका कितें कळटा नंबर आनी फिंबर...'' सोर्त ताचेकडेन दीत धुलूमावशेन म्हळें.

''सेव्हन सेव्हन टू थ्री फोर... हय गे धुलूमावशे... होच अशें दिसता म्हाका... म्हाका नंबराची सारखी याद उरता गे... मावशे... गाडयेची धनीण जालीच तूं... फूंय...'' ओंठ वाकडे करून सोमनाथान शिळोणी घातली. आजूबाजूचे गाडेकार ताका पळोवंक लागले. मागीर रोकडेंच धुलूमावशेक गाडी लागिल्ल्याचें प्रासार फामाद जालें.

''मावशे... चल या... पळोवन येवया आमी...'' सोमनाथान सोर्त धुलू मावशेक दीत म्हळें. धुलूमावशेन फर्र फर्र करून पेटपी स्टोव्ह बंद केलो. वोगीच तिचें आंग थरथरपाक लागिल्लें. उदक पिवन सुध्दां तिका ताळो अजून सुकिल्ल्या सारको दिसतालो.

''चल या...'' खर्जल्ल्या आवाजांत तिणें म्हणलें. सोर्त चेचयेंत घालून तिणें चेची किरवटीक खोयली. सोमनाथान बाजूक आशिल्ली आपणाली मोटरसायकल चालू केली. फाटल्यान घट्ट धरून धुलूमावशी बसली.

''पांडुरंगा... मात्शें गाड्यार नदर मार हां...'' तिणें पान विकतल्या पांडुरंगाक म्हळें. सोमनाथान मोटरसायकल धपक्याक फुडें व्हेली. धुलूमावशी

पडपाचीच. घट्ट धरून बसली. तीन रस्त्यार सार्वजनीक माटवाकडेन मोटर सायकल थांबली. सार्वजनीक गणपतीचो एक जाळवणदार टेबलाकडेन बशिल्लो.

''मावशे सोर्त काड...'' धुलूमावशेन सोर्त काडून बेगबेगीन सोमनाथाकडेन दिली. माटवाच्या म्हेडीक हुंबकळायल्ल्या लिस्टाचेर नंबर आशिल्ले. सोमनाथान नंबर तपासलो.

''मावशे... मावशे... तुकाच लागल्या गे पयलें इनाम... गाडी..'' सोमनाथाचो आवाज चिरकेलो. ''आरे... पयलें इनाम धुलूमावशेक लागलां...'' ताणें त्या जाळवणदाराक ल्हव सांगलें. जाळवणदारान नंबर पळयलो आनी सोर्त परत दिली.

''लागल्या खरी पूण म्हाका न्हू सारकें कळना तें. ताचे कांय कायदे आसात.... टॅक्स बिक्स कितेंतरी... तुमी एक काम करात...'' इतलें म्हळें आनी ताणें भुर्रर करून भेंब्रें भितर ओडून घेतलें. धुलूमावशेलें आंग शिरशिरलें.

''तुमी न्ही दंपारां तिनांक येयात. ते मेन कमिटिचे मुनीस तेन्ना येतले.''

''बरें... धुलूमावशे... तिनांक येवया आमी... आरेऽऽ धुलूमावशे म्हाका मेळपाचें ना पळय... त्या रमाकांतालें भाडें आसा... पूण तूं यो... गाडी लागल्या हें तर कळ्ळें न्ही... तिनांक पाव... चल या आतां...'' सोमनाथान म्हळें. ताणें तिका गाड्यार हाडून सोडली. धुलूमावशेक कितें करूं आनी कितें नाका अशें जाल्लें.

''मावशे... चयन आयली गे नंबर...'' पेट्रॉलमास सारकें करपी शीवान विचारलें.

''हय रे पुता... गाडी म्हाकाच लागला...''

''कसली गे?''

धुलूमावशेक गाडयेचें नांव कळना जालें.

''लागला रे व्हडली. पयलें इनाम तें...''

''मागीर पेढे दी मुगे...''

''दितां रे... पयलीं गाडी तरी हाडूं दी म्हाका...'' तिणें खोशयेन सांगलें. तिका आतां गाडो उगडीन दिसनाशिल्लें. तिणें सकयल दवरिल्लें चादर गाड्यार पातळायलें. केन्ना काय तीन जातात अशें तिका जाल्लें. बरें जालें गाडी लागली ती... घरा मुकावेलो तो कासार अशी

अशी करून गाडी घुंवडायता.... पों पों करून हॉर्न मारता... पयर पावस पडलो तेन्ना झुप्प करून गाडी व्हेली. सप्प करून सगळें चिखलाचें उदक म्हज्या लुगटाचेर उडयलें. थांबून सुध्दां पळयलें ना मेल्ल्यान! आतां हांव सुध्दां किरायतलें गाडी. पूण म्हाका खंय कळटा गाडी? नातू ल्हान. ताका शिकोवप. हांवूच ती शिकपी... मागीर खूब भोंवप... सातेरीक कूळदेवीक पयलीं वचून येवपाक जाय. पाव गे सातेरी मांय... तुका एकावन्न फुलांफातयो घेवन येतां आनी होट भरतां... सोमनाथाकूच व्हरप. तो बरी चलयता गाडी... सद्या तेकाच भाडें मारपाक सांगप... आनी...

तेलांत भजीं सोडटगेर फेस येवन बुडबुडे फुट्टात तशे धुलूमावशेच्या मनांत विचारांचे बुडबुडे फुट्टाले. कोणकोण येवन चवकशी करून वताले. गाडी लागल्या म्हूण तिचें अभिनंदन करताले.

''धुलूमावशे तूं आतां पात्रांव गे...''

''मावशे वाटेर मेळ्ळ्यार आमकां बी घे मात्शी गाडयेंक...''

''नातवाक शिकय. तुका आनी कोण ना. सवका चलोवपाक लाय गाडी..''

धुलूमावशी हांसताली. हांसताना तिगेल्या तोंडावेल्यो मिरयो आनीकूच दाट जाताल्यो. परती परती ती शिवाक टायम विचारताली. शिवान तीन म्हण्णाका धुलूमावशी सट्ट करून उठली. चलत तीन रस्त्यार आयली. तिका खरस मारपा लागिल्ली. वयर सुर्य तापिल्लो. धुलूमावशे हूम सुटिल्ली. सामकी बुडबुडून गेल्ली. माटव पावतगेर तिका सूऽऽऽ जालें. टेबलाकडेन तीन चार जण आशिल्ले.

''ही पळय पळय मावशी आयली... पायलट पंढरीन म्हळें. ''हांवें तुमकां सा नाशिल्लें. लास्ट एकूच सोर्त उरिल्ली म्हू म्हज्या बुकाक. त्या दिसाक धुलूमावशेनू कडिल्ली ती... हांवूच बशिल्लों न्ही हांगा... पंढरीन चावी घुंवडायत म्हळें.

''मावशे... दाखय गे सोर्त...''

धुलूमावशेन थरथरिल्ल्या हातान सोर्त काडू दिली. सोर्त दितना तिका बेश्टोच भंय दिसताल हेणी ही सोर्त व्हेल्यार बी... तुवें सोर्त दिली ना म्हळ्यार... शेः... सोमनाथाकूच घेव येवपाचें बरोबर... चुकयलेंच...

''हय मुरे तिकाच लागल्या...''

धुलुमावशेक एकदम घाम सुटल्यासारव जालो. काळजांत सूंईऽ करून कितें त तोंपिल्लेसारकें जालें. कानापाळयो तर गरम जावन गेल्यो. तिणें एक व्हडलो स्वास भरू घेतलो.

''मागीर केन्ना व्हरपाची हांवें गाडी... आत व्होरूंक येता..? म्हाका कळना चलोवपाक...

सोमनाथाक सांगूंक जाय...'' धुलूमावशेक खरस मारूंक लागली. खेळण्यो येतात काय जाल्यो. तिणें सुकोच आवंडो घोटलो.

''राव गे... केन्ना व्हरपाची.. मातशी वोगी राव... आमी हांगा वीस वीस सोर्तीचे बूक काडले मरे... कांय लागलेंच ना आमकां. हिका बरी लागली. ती बी एकूच सोर्तीक... तशी व्हरपाक मेळना गे तुका गाडी रोकडीच... ताका एक प्रोसीजर आसता. कळ्ळें?'' एक जाळवणदार तिचेर पिरंगेलो. धुलूमावशेन तेका बारीक तेळ्ळो. हो तोच. जेन्ना हांव गणपतीचें दर्शन घेवपाक आयिल्लें तेन्ना म्हाका सोर्त काड गे, काड गे करून फाटीक लागिल्लो. तेन्ना कितलो बरो करून थुळेतालो म्हाका आनी आतां केंच करता.

इतल्यान थंय आनी दोगजण आयले.

''आरे.. पयलें इनाम हे जाण्टेलेक लागलां. गाडयेचें... गाडी केन्ना व्होरपाची काय विचारता ती...'' ताणें भिंवयाचे केंस ओडत सांगलें.

''मागीर सांग मरे तिका हिशेब करून...'' दोगांमदल्या एका दाढीवाल्यान म्हळें. उलयताना ताचे दोळे बिटबिटताले.

''मावशे... तुका मुगे गाडयेचे साडेपांच लाख म्हळ्यार... अं... अं... एक लाख पस्तीस हजार भरचे पडटले...'' सोर्त परत दीत ताणें म्हळें.

''एक लाख पस्तीस हजार... कित्याक?'' धुलूमावशेक धस्स जालें. थरथरिल्ल्या हातांनी तिणें सोर्त चेंचयेंत घातली.

''अगे ताका गिफ्ट टॅक्स म्हणटात. गव्हर्नमेंटाक तो भरपाक जाय.... इन्कमटॅक्स डिपार्टमेंटांतल्यान ताचीं फॉर्मां आयल्यांत... तीं भरून धाडपाक जाय... त्या भायर तुका आमकांय बी... म्हळ्यार गणेश मंडळाक देणगी बी दिवची पडटली... धा... पांच हजार... बीन... तें मागीर तुजेर... तुजे खोशयेन दिवपाचें...''

''आवयस इतले...?''

''आमकां कितें दिवपाचें तें मागीर पळोवया... ती खोशेची गजाल गे... पूण आतां टॅक्साचें भरात... ना जाल्यार गाडी व्हरपाक मेळपाची ना...''

तेन्नाच दोगजण आयले.

''पात्रांव आमी मोटरसायकल व्हरपाक आयल्यात. हे पळय पयशे गिफ्ट टॅक्साचे... आनी ही देणगी...'' पयशांचें बंडल काडत एकल्यान म्हळें.

''आरे... तांचे फॉर्म भरून घे...'' पयशे घेत दाढीवाल्यान म्हळें.

''आजे... तूं पयशांची तयारी कर... आनी यो बेगीन... चल...''

''पूण... पूण इतले पयशे रे...'' धुलूमावशेक कितें उलोवचें तें कळनाशिल्लें...

''मावशे हय गे... आतां मातशी वच पळोवया... आमकां खूब कामां आसात. कायद्याचेंच सांगलां तुका आमी. पयशांची तयारी कर... एका म्हयन्याचो प्राज आसा तुका गाडी व्हरपाक. एक लाख पस्तीस हजार भरपाकूच जाय... कयळें? चल आतां. आमकां आतां हिशेब करपाक दी...'' मिशाळो तिचेर तिडकेलो.

येदेंशें तोंड करून धुलूमावशी माटवांतल्यान भायर सरली. चलत गाड्यार आयली.

''धुलूमावशेऽऽ पेढे दी मुगे आमकां... केन्ना दितली...?'' बारकार मिंगेलीन म्हळें.

''गाडी लागली न्हू..'' बाजूक आशिल्ल्या आनी एकल्यान विचारलें.

''हय रे पुतानो. लागली खरी! पूण म्हजें कपल...'' तिणें निर्शेवन म्हळें.

''कित जाल गे?''

''जालें आनी कितें... पयशे भरपाक जाय खंय... एक लाख पस्तीस हजार... कसलो तरी टॅक्स खंय...'' विटक्या पदरान हूम पुसत धुलूमावशेन म्हळें. तशें करतना बोट लागून तिचो पदर फर्रर करून पिंजलो.

''हय रे हय... म्हगेलो मेव्हणो सांगतालो... ताका लागली न्हू सावर्डेची गाडी... गिफ्ट टॅक्स म्हूण भरचो पडटा. तिणें कितले तरी भरिल्ले पळय... अं... एक लाख पंच्चावन हजार...''

''हें नाका आशिल्लें मुरे... गव्हर्नमेंटालें... व्रॉन्ग मुरे सामकेंच. हेजेर बी टॅक्स... मावशे... हांव दितां गे तुका एक टॅन थाऊसंड... धा हजार... पळय कितें तरी कर... न्हू रे...'' मिंगेलीन म्हळें. बाजूक आशिल्ल्यान तकली हालयली.

धुलूमावशी गाड्याकडेन आयली. तिगेलें मन साप्प लागनाशिल्लें. खंयच्यान हाडपाचे इतले पयशे..? बँकेन आसात वीस हजार... भांगर शिंगर विकल्यार आनी पन्नास हजार मेळटले... सत्तर जाले... मागीर कितले उरले? तिणें बोटां मेजलीं... आवयस... कशें जातलें? तिणें जीं सपनां पळयिल्लीं तीं पत्त्यासारकीं घोऽऽ करून कोसळपाक लागलीं...

इतल्यान सोमनाथ आयलो.

''धुलूमावशे वचून आयली गे?'' ताणें मोटरसायकल थांबोवन विचारलें.

''हयर रे... एक लाख पस्तीस हजार भरपाक सांगल्यात ताणीं...''

''बाबा..ऽऽऽ इतले?'' सोमनाथान तोंडार हात व्हेलो.

''आनी कितें सांगूं...'' धुलूमावशेन सगळी गजाल सांगली. सांगतना तिका खरस येयली. कुशीक आशिल्ल्या जगांतलें उदक ती गटगट करून पियेली. थंड थंड जालें तिका....

''मागीर कितें करपाचें?''

''पळयतां... कितें जाता जाल्यार...'' धुलूमावशेन सोडिल्लो हुस्कारो वाऱ्याचेरूच ना जावन गेलो.

''गाडी हाडपाची तेन्ना म्हाका सांग... हांव येतां...'' सोमनाथान मोटरसायकल स्टार्ट केली.

''बरें रे बाबा...'' धुलूमावशेन म्हळें. पूण त्या उतरांक जीवूच नाशिल्लो. सोमनाथ गेलो. धुलूमावशेन चेंची काडली. दोर सोडून भितर हात घातलो. सोर्त सांसपिली. भायर काडली. तीन गाडयेचीं चित्रां. खंयची आसतली काय ती.... तिचे दोळे लिकलिकले. तिणें सोर्त परती चेंचयेंत घालून चेंची किरवटेक लायली.

आतां गाडो उक्तो करपाचो काय नाका...?! ती कितलो वेळ विचार करत रावली.

***

दुसऱ्या दिसा सकाळीं इकरांक सुमार ती तीन रस्त्यार आयली. माटवांत दोगतीग जाण आशिल्ले. चेंची सांसपयत ती भितर सरली. भांगर विकून पन्नास हजार आनी बेंकेंतल्यान वीस हजार तिणें हाडिल्ले.

''पयशे हाडले? हाड बेगीन... भरया फॉम...'' मिशाळ्यान तंबाखू चोळत विचारलें.

''ना रे पुतानों... तितले जमनांत अजून...''

''मागीर कितें अशीच व्हरपाची गाडी?'' मिशाळ्यान पीच् करून कुशीन पीक उडयली.

''कितें कमी बी जाता जाल्यार पळयात मरे... सत्तर हजार बी...'' धुलूमावशेलें तोंड येदेशें जाल्लें.

''मावशे... पयशे सरकाराक भरपाक जाय... कायदो आसा न्हू...''

''वच आनी दुडवांची वेवस्था कर... मागीर यो... आनी दीस आसात न्हू... चल आतां...'' ताणें कसलें तरी रजिस्टार काडलें आनी तो हिशेब करूंक लागलो.

धुलूमावशी जड पायांनीं भायर सरली... इतले पयशे हाडपाचे खंयच्यान? बरें.... कोणाकडेन मागप म्हळ्यार ते परते दिवंक जाय... ह्या गाड्याचेर मेळणूक तरी कितली? देवा गणेसा बरी मजा केली रे तुवें म्हजी...

पोंक... पोंक... पोंक... हॉर्नाचो आवाज आनी चर्रर करून ब्रेकाचो. धुलूमावशेन कच्च करून आंग काडलें. कुशीक सरली. फातरार पांय लकून ती सकल पडली... फोंडांतल्या उदकान तिचें लुगट भिजलें. काळजांत सामकें धकधकपाक लागलें. कशीतरी उठली.

''कितें गे आजे... रस्त्यार मदींतल्यान खंय चलता..? आनी कसलो विचार करता? आमकां बिरमतीक उडियताशिली मुगे तूं? कांय जाल्नां मुगे?'' एकल्या तरणाट्यान विचारलें.

''ना.. ना...'' धुलूमावशेन तकली हालयली. तिचें उतरूच सुटनाशिल्लें. आंगाक थरथर सुटिल्लो. चेंचये कुशीक किरवटीक आशिल्लो रुमाल तिणें काडलो आनी ओलें आंग पुसपाक लागली. रुमाल चिखलान सामको बरबटलो. तिणें तो तसोच भायर शेंवटायलो.

''आजे... सवका चल गे रस्त्यान.'' घोस्स करून गाडी फुडें गेली. धुलूमावशेल्या पांयार चिखलाचें उदक उडयत.

धुलूमावशेक दिसतालें व्हडल्यान सांगचें तेंकां. म्हजी बीन गाडी येतली आतां... पूण

तिगेल्या तोंडांतल्यान उतरांच सुटना जालीं... कशी बशी ती गाड्यार आयली...

''मावशे.. खंय गेली गे... येदोळ आयली आनी रोकडीच गेली... लेट जालो मुगे तुका... आनी तुजे गाडयेचें खंय पावलां?'' पांडुरंगान तिका विचारलें.

''कपल म्हजें कांयच ना.'' धुलूमावशेचो उजवो पांय आतां दुखपाक लागिल्लो.

''आजे... भजीं काडल्यांत?'' एका गिरायकान विचारलें.

''ना रे बाबा... आतां आयलां... राव मात्सो...'' तिणें गाड्यावेली चादर कुशीक केली. स्टोव्हाक पंप मारलो. पॅत्रोल बुळ्ळ बुळ्ळ करून वयर सरलें. फस्क काडून तिणें काडी पेटयली. काकाड्याक लायली. कायल दवरून भसभसीत तेल रकयलें. परत स्टोव्हाक पंप मारलो. स्टोव्हाचो सों सों आवाज येवपाक लागलो. तोपांत पीठ उदक घालून ती खिरोवपाक लागली.

तेन्नाच एक चकचकीत कार तिगेल्या गाड्यामुखार थांबली. दार फटकून उगडलें. एक धवेफुल्ल कपडे घातिल्लो दादलो देंवलो. ताणें कांयवेळ मिशांचेर हात फिरयत हेवटेन तेवटेन पळयलें. मागीर तो धुलूमावशेक पळोवन हांसलो. हांसताना ताचो दायेवटेचो सुळो भांगराचो दांत लिकलिकलो. ठप्प ठप्प बूट वाजयत तो धुलूमावशेच्या फुड्यांत आयलो. सेंटाचो घमघमीत वास परमळ्ळो. धुलूमावशेक त्या वासान कितें जालें.

''तूं धुलूमावशी?'' ताणें बोल्सांतल्या मोबायल भायर काडून विचारलें.

''हय... कितें भजीं जाय..?'' येदें व्हड गिरायक गाड्यार आयलां तें पळोवन धुलूमावशे आनीकूच काचाबूल जाली. तिणें बेगबेगीन क मिरसांग चिरपाक घेतली.

''ना गे... भजीं नाका म्हाका...'' ता तोंड वाकडें केलें. ''हांवें आयकलां तुका सो लागल्या म्हूण...''

''अं.. हय... हय...'' धुलूमावशी गडबडली

मागीर त्या दादल्यान आशीकुशी पळयलें. मान फुडें केली. आनी ल्हव खरखरी आवाजान ताणें म्हळें, ''आजे... तुज्यान त गाडी घेवपाक जायना जाल्यार ती गाडी हां घेतां. सगळे पयशे भरून. तुजे उरिल्ले पय बी दितां तुका...'' ताणें दोळे तिचेर तिगयले

धुलूमावशेचो हात किरवटीक गेलो किरवटीक चेंची ना. खंय पडली? तिच्या पोटां गुळो आयलो. रस्त्यावेल्यान येतना थंय पडल ना मू? आवयस.. भांगराचे पन्नास हजार आसा तेंतून... आनी...

''पळय.. ही सोर्त म्हाका दी... हांव सगव पयशे कॅश दितां तुका...''

पावसाचो बारीक शिंवर सुरू जाल्लो पळयतां पळयतां वाडपाक लागलो.

''सोर्त.. सोर्त ना.. खंय...'' धुलूमावशेव कितें उलोवं सुचना जालें. तो मनीस तिच्य तोंडाकडेन पळयत रावलो. धुलूमावशी ताक थंयच सोडून चलूंक लागली. पडलें तेन्ना पुसू उडयल्लो तो लेस काय चेंची..???

''आगे, धुलूमावशे. भिजत खंय वता गे?'' शिवान विचारलें.

धुलूमावशेक कांयच आयकूंक येनाशिल्लें तिच्या मनांत विचार खवदळटाले. पावसाचें हुंवार असोच वाडत रावल्यार चेंची खंय सोदपाची..????

■

– उदय नायव

काणकोण – गोंय. मो. : ८८०५३३३९०

उस्तवारी

मनाक चटको लावन गेल्लो भाऊ सरदेसाय

- नं. ध. बोरकार

पूण भाऊ सरदेसायाचो बापूय, पचीबाब हे एक व्हडले समाजसेवक आनी नामनेचे पत्रकार आशिल्ले, हें म्हाका खूब उसरां कळलें. बिम्ब प्रकाशनान पचीबाबांचेर एक पुस्तिका काडिल्ली. लोकार्पणाच्या सुवाळ्याक म्हाका निमंत्रण दिल्लें. हांव मुजरत गेल्लों. थंय उपस्थीत आशिल्ली गर्दी पळोवन हांव अजापांत पडलों. हो पचीबाब कोण? आनी वळखपाळख नासतना म्हाका निमंत्रण पत्रिका कोणें दिली?

वार आशिल्लो आयतार. फेब्रेराची दोन तारीख. 'बिम्बा'चो संपादक दिलीप बोरकार आमगेर आयलो. आयताराचो तो केन्ना-केन्नाय म्हजी खबर घेवंक मुजरत येता.

आयज ताचें मुखामळ दुखेस्त-शें दिसलें. ताणें हातांतलो बिम्बाचो अंक अचळय मेजार दवरून म्हणलें - ''भाऊ सरदेसाय गेलो ती खबर आसा तुका?''

आयकून म्हाका कच्च जालें. भाऊच्या मरणाची खबर आयकून म्हाका धक्को बसपाचें कारण, तो आमगेर खूबदां येवन गेला. पयले फावट आयला इंजिनेर म्हणून आनी गेला म्हजी इश्टागत जोडून.

आमचे मदली इश्टागत जमचे आदीं भाऊ दिलीपाचो इश्ट आशिल्लो. दिलीप म्हजो भाव. ताणें म्हजी पयली कादंबरी, 'पोको' भाऊक मुजरत वाचूंक दिल्ली.

भाऊ साहित्यमोगी आशिल्ल्यान, आनी कादंबरी दिलीपाच्या भावान बरयल्या अशें कळिल्ल्यान भाऊन ती कादंबरी अदाशा प्रमाण झडझडीत वाचून काडली. ही गजाल ताणें म्हाका फोनावेल्यान सांगली. ताणें म्हाका हेंय सांगलें की, ताका कादंबरी खूब आवडली. फुडें बरयत राव. ही तुजी सुरवात आसा. फुडें तुजेकडल्यान निश्चीतच बरें बरप जावपाचें आसा.

तेन्नाच्यान ताणें म्हाका नांवच दवल्लें, 'पोको'. हांगाच्यान म्हजी आनी भाऊ सरदेसायाची इश्टागत सुरू जाली. तो म्हज्या साहित्याचो पक्को वाचक जालो. म्हजें उजवाडाक आयिल्लें कोंकणी साहित्य ताणें मुजरत वाच्चें. आनी आपलो अभिप्राय दिवपाक चड करून रातीचो फोन करचो.

भाऊलें फोनावेलें उलोवपूय मजेशीर आसतालें. नांव सांगिनासतना, हांवें ताका आवाजाचेर वळखचो, अशी म्हजेकडल्यान ताची अपेक्षा आशिल्ली. ताणें फोनार हॅलो-हॅलो करचें आनी म्हजो आवाज आयकुनूय थोडो वेळ मौन पाळचें. उपरांत ताणें आपूण जावन म्हणचें, ''आरे हॅलो-हॅलो कितें करता, वळखूं ना म्हाका? आवाज वळखय आनी सांग पळोवया हांव कोण तो? हांव भाऊ सरदेसाय.'' ताणें आपली वळख आपणेंच करून दिवची आनी खोखो करून हांसचें.

भाऊ प्रमाण खळखळून हांसप म्हाका तेन्ना कशेंच जमलें ना. फुडेंय कितलेय प्रयत्न केले तरी तें म्हाका जमचें ना. तरी ताच्या हांशार हांव हांसलों, हें ताका कळचें म्हुण हांवें हांसपाचो असफळ प्रयत्न केलो.

फुडें-फुडें मात म्हाका ताच्या आवाजाची संवय जाली. ताणें हॅलो करचें आनी हांवें ताका भाऊ कसो आसा, अशें म्हणचें.

खरें म्हणल्यार दिलीप ताका खूब लागीं आशिल्लो. म्हजे परस चड वेळां तो दिलीपाक भेट्टालो आसूं ये. तरी तो म्हजेकडल्यान दिलीपाची आनी म्हज्या घरच्यांची आस्थेन खबर घेतालोच.

तो म्हजी आनी म्हज्या घरच्यांची खबर घेवपाक फोन करिनासलो. तो म्हजें कसलें ना कसलें साहित्य वाचल्या उपरांत म्हाका उर्बा आनी परबीं दिवपाक मुजरत फोन करतालो.

हांवें हिन्दी लेखक मुन्शी प्रेमचंद हांच्यो कथा अनुवादीत करून उजवाडाक हाडिल्ल्यो. त्यो भाऊक खूब आवडटाल्यो. ताणें फोन करून प्रत्येक अनुवादीत कथेची तोखणाय केली. भाऊ म्हज्या साहित्याचेर चर्चा करता आसतना, हें अशें आसा, तें तशें आसा म्हुण म्हज्या लिखाणाची तोखणाय करतालो. पूण हें अशें जावंक जाय आशिल्लें, तें तशें जावंक जाय

आशिल्लें अशें मात ताणें केन्नाच म्हज्या मुखार उलोवन दाखयलें ना.

म्हाका जे जे सरदेसाय भेटले, तांचेविशीं म्हजें मत्त सदांच बरें उरलां. भाऊ सरदेसाय सोडून आनी दोन-तीन सरदेसायांक हांव लागसारच्यान वळखतां. कोंकणी कवी डॉ. मनोहरराय सरदेसाय, मराठी साहित्यीक आनी शिक्षणतज्ञ मनोहरराव सरदेसाय आनी पी. व्ही. एस्., - सरकारी अधिकारी - हे तिगूय म्हाका आदरणीय. कारण ते विद्वान आसुनूय तांची समाजांत वागपाची रीत म्हाका मात्सी वेगळीशी दिसली. ते समाजांत वावुरतना, तांच्या तोंडांतल्यान आरे-तुरेची भास भायर पडिल्ली म्हज्या अणभवाक केन्नाच येवंक ना.

हाचें गुपीत हांवें एक दीस प्रो. मनोहरराव सरदेसायांक विचारलें, तेन्ना ताणीं म्हाका सांगलें कीं ती आमच्या कुटुंबाची रीत जावन आसा.

पूण पयलेच फावट भाऊ सरदेसायान जेन्ना म्हाका फोन केलो, तेन्ना ताणें म्हजें एकेरी नांव घेतलें. पूण हांव मात ताचो मान राखुनूच ताचेकडे उलयतालों. ताका तें मानवलेंना जातलें. एक दीस तो म्हजेर तापलो. म्हणूंक लागलो, ''आरे तूं म्हजेकडें उलयता आसतना 'आमी-तुमी' कितें करता? हांव पंचात्तर वर्सांचो जालां म्हुण जाणां मरे तूं, तुजीं वर्सां म्हाकां खबर आसा. हांव तुका व्हडल्या भावा सारको. हे फुडें तूं म्हाका व्हडल्या भावा सारकोच वागय.

हें आयकून हांव सामको चाट पडलों. खिणांत म्हाका आपलो धाकलो भाव करून सोडपी, व्हडलो भाव पयलेच खेप पळेतालों हांव.

ही गजाल पांच-स वर्सां आदली. मरच्या आदीं कांय दीस पयलीं, आपूण एक्यांयशी वर्सांचो जाल्ल्याची खबर ताणें म्हाका दिल्ली.

भाऊ सरदेसाय म्हणल्यार साक्षात चैतन्य! ताणें जेन्ना आपल्या आयुश्याचीं पचात्तर वर्सां पुराय केल्लीं, तेन्ना हांव एकुणसत्तर वर्सांचो आशिल्लों. असल्या वेळार एक दीस म्हाका ताच्या वांगडा म्हापशां वच्चो पडलो. म्हापशां पावतकच ताणें आपली गाडी गर्दे पसून पयस एका कोनशाक उबी केली. दार उगडून, म्हाका गाडयेंतूच सोडून लागलो तुरू तुरू चलूंक. हांव ताका पळेतूच रावलों.

तो आपलेच तंद्रेंत बरोच फुडें गेलो आनी तेच चालीन परत म्हज्या म्हऱ्यांत येवन खळखळून हांसलो. म्हज्या खांदार हात दवरून चलतां चलतां म्हाका दिसलें, की एक तरणाटो ऐशीं वर्सांच्या म्हाताऱ्याक बळयां ओडीत व्हरता.

भाऊ सरदेसाय, म्हजे दिश्टीन एक नितळ आनी उकत्या मनाचो मनीस. खूब-शे लोक आपले दोश लिपोवन दवरपाचो प्रयत्न करतात. भाऊक मात तें जमानाशिल्लें-शें दिसता.

एक दीस ताणें म्हाका म्हणलें, ''तुका कितें लागता बी?'' अशें म्हणून तो म्हज्या तोंडाकडें पळेत रावलो. म्हजेकडल्यान जाप मेळना तें पळोवन ताणें म्हणलें, ''म्हाका बाबा इल्लें लागता रे!'' अशें म्हणून तो मेकळेपणान हांसलो.

खरें म्हणल्यार हें ताका म्हाका सांगपाची गरज नाशिल्ली. ताका लागता तें आयच्या काळांत प्रतिश्ठेचें आशिल्लें. तरी भाऊच्या सुसंस्कारीत मनाक तें वायट दिसतालें. आपूण कित्येंय तरी वायट करतां, पाप करतां, हाची जाणविकाय जाताली. आपल्या दोशांची जांकां जाणविकाय आसता, ते म्हजे दिश्टीन सामान्य मनीस नासतात.

भाऊ सरदेसायाकडें म्हजी वळख हालींची. ताच्या घराब्याविशीं म्हाका म्हायती नाशिल्ली. स्वातंत्र्य सैनीक काशिनाथ सरदेसाय हांचें नांव लक्षांत आशिल्लें. सुप्रसिध्द गायिका हेमा सरदेसाय ही तांच्या कुटुंबांतली, हेंय हांव आयकून जाणा आशिल्लों.

पूण भाऊ सरदेसायाचो बापूय, पचीबाब हे एक व्हडले समाजसेवक आनी नामनेचे पत्रकार आशिल्ले, हें म्हाका खूब उसरां कळ्ळें. बिम्ब प्रकाशनान पचीबाबांचेर एक पुस्तिका काडिल्ली. लोकार्पणाच्या सुवाळ्याक म्हाका निमंत्रण दिल्लें. हांव मुजरत गेल्लों. थंय उपस्थीत आशिल्ली गर्दी पळोवन हांव अजापांत पडलों. हो पचीबाब कोण? आनी वळखपाळख नासतना म्हाका निमंत्रण पत्रिका कोणें दिली?

उपस्थितांकडें चवकशी केल्या उपरांत कळून आयलें, पचीबाब म्हणल्यार भाऊ सरदेसायाचे वडील.

सगळ्याच आवय-बापायचे गूण भुरग्यांच्या आंगांत येनांत. पूण हांगा मात पचीबाबांतलो खरेलो समाजसेवक म्हाका भाऊ सरदेसायांत दि येतालो. तातूंत कसलोच बडेजाव नाशिल्ल गर्व नाशिल्लो आनी कसलोच सुवा नाशिल्लो.

आगशी आमच्या घराचें आमी रिनोवे केलां. घर बांदून पुराय जाय मेरेन भाऊन घरा देखरेख दवरून बांदकामाचो दर्जो राखलो. ग पडटा तेन्ना भाऊ परवरीच्यान दिलीपाक घे व्हडलें गोंयां येतालो. थंयच्यान म्हाका घे आगशी वतालो.

भाऊ मुखार आपल्या कश्टांचो आ दुडवांचो प्रस्न नाशिल्लो. प्रस्न आशिल्लो आपणें हातांत घेतिल्लें काम आस्थेन आ उतराक पाळो दिवन वेळार पुराय कर दिवपाचो.

म्हजे धुवेक नव्या फ्लॅटाची गर आशिल्ली. ही गजाल भाऊच्या कानार पडली

इश्टाचे धुवेक फ्लॅट जाय, भाऊ ओ कसो बसत? ताची जाली धांवपळ सुरू. ता आपल्या इश्टांचे मजतीन आठ दिसां भि फ्लॅट मेळोवन दिलो. तोय योग्य सुवातेर आ योग्य मोलान. इतलेंच न्हय, फ्लॅट धुवेच नांवार करून घेवपाक स्वता वावुरलो. आमक कसलेच त्रास पडचे न्हय हाची पुराय जतना घेतली.

भाऊच्या मरणा आदीं ताणें म्हाका फो केल्लो. तेन्ना ताच्या उपकारांची हांवें ता याद करून दिल्ली. तर हो म्हजेच उपका मानता. हांवें ताका म्हजें काम करपाची सं दिली म्हुण!

भाऊ गेलो तो गेलो, पूण म्हज्या काळजां घर करून गेलो. आतां रातचे कोणाचेय फो येतात. पूण फोन उकलचे पयलीं याद जाता त भाऊ सरदेसायाची, 'वळखलो मरे म्हज आवाज, हांव भाऊ सरदेसाय उलयतां.'

ह्या आवाजाचो भास म्हाका आतां जात आनी फुडेंय जायत आसतलो.

- नं. ध. बोरकार
मास्कारेन्यस वाडो, गोवा वेल्हा
फोन : ०८३२-२२१८१४

सावधान सावधान

विदेशांत नोकरेक वचना?

नकली एजेन्ट/दलालां कडल्यान फटवचे नांत हाची जतनाय घेयात

विदेशी नोकऱ्या संबंदी खबरांपत्रांनी जायराती घेतात. त्यो अनाधिकृत एजन्सी/कंपन्यो/व्यक्ती दितात आनी ती दिनप्यांची म्हायती अर्धकुटी आसता जे फकत मोबायल संख्या दिल्ली आसता. ह्या जायरातींक लागून बाबते गोंयकार फटवतात. हाकाच लागून विदेशांत नोकरी करूंक इच्छुक आशिल्ले गरजेवंत फटवचे नाय म्हण भारताच्या प्रेस काऊन्सीलचे अध्यक्ष न्यायमूर्ति मार्कण्डेय काट्जू हांनी विदेशांतल्या नोकऱ्यांविशीं खबरांपत्रांनी देवपी जायरातींची आदर्श मार्गदर्शीका ता. २७/०८/२०१२ हे तारकेन जिलयल्या.

१९८३च्या इमिग्रेशन कायद्याच्या कलम १० अंतर्गत नोंदणीकृत नोकरभरती एजन्ट जो कलम १६ अंतर्गत विदेशांत नोकरी दिवपी/प्रकल्प निर्यातदार हांका तांचो परवानो क्रमांक आनी नोंदणी दाखलो जो प्रोटेक्टर जनरल ऑफ इमिग्रंट्स, ओवरसीज इंडियन अफेयर्स, नवी दिल्ली हांचे चलीन दिला तो पराय नामो, संपर्क म्हायती, पदाचें नांव/नोकरी, पदांची संख्या/दरेक वळेरींतल्यो रित्यो सुवातो आनी वेतन हांचे सयत विदेशी नोकऱ्यां संबंदान खबरांपत्रांनी जायराती दितना आसपाव करप अनिवार्य आसा. तशें नासत जाल्यार नोकरी सोदप्यांची फसवणूक जांव येता.

इमिग्रेशन कायदो १९८३चें उल्लंघन करून जो कोण अश्यो जायराती जितरावता वो उकवाडावता ती पुणव तांचे जापसरलदारीचेर आसतलें.

अशे तरेचें उल्लंघन नदरेक आयल्यार सकयल्या नाम्यार कळीत करात :

अनिवासी भारतीय वेल्हार आयुक्तांचें कार्यालय

गोंय सरकार, सचिवालय, पर्वरी - गोंय

फोन : ०८३२-२४१९४६०/६१फॅक्स : ०८३२-२४१९८१६

ई-मेल : commissionernri_goa@rediffmail.com

भुतकाळाचे बिदींतल्यान-3

दिल्लींत उक्ती जाल्ली काव्य-पाज

- रमेश भगवंत वेळुस्का

माणकुली ह्या उतराचेर जें खास वजन आयलां तें वजन मनाक बरे तरेन समजून आयल्ल्या कारणान तें बदलून माणकुल्लीं जालां. एका सामान्य मनशाची इच्छा अशी एके कुल्लेच्या प्रतिमेंतल्यान दर्या देगेर हुळहुळटा तें पळयल्यार कवितेचो एक वेगळो आयाम लक्षांत येंव येता. हें एक अनाकलनीय संवेदन.

हांव पयलेच पावट दिल्लीक पावलों तो ॲप्रेसिएशन ऑफ फाइन आर्टस ह्या कोर्साच्या निमतान. दिल्ली पळोवपाचो बेत मनान केन्नासावनूच केल्लो. दिल्ली हो जागोच असो की संवसारभरच्या लोकांक ताचें आकर्शण. म्हाकां तर म्हजे मुखार कुतुब मिनार, लाल किल्लो अशो कितल्योशोच गजाली येंवक लागलेल्यो. हुमायूं, बाबर पासुनच्यो आयकल्ल्यो आनी वाचलेल्यो यादी थंय उचंबळून येंवक लागलेल्यो. तातूंत ती तर म्हज्या देशाची राजधानी. ते भायर ती कितल्याशाच महत्वपूर्ण अशा राजकीय, साहित्यिक आनी सांस्कृतिक मळावयल्या व्यक्तिमत्वांची भूंय. महाभारत धरुन हे भुंयेचें योगदान मनांत आलाशिच्याक रावलें. न उलयतांय तें मनांत रावूंक शकता हेंय म्हाका खबर आसलें. आनी जेन्ना म्हाका ह्या कोर्साचें आमंत्रण मेळ्ळें तेन्ना तर म्हाका खूब्ब उमेद जाल्ली. कितल्योशोच गजाली म्हाका पळोवंक मेळटल्यो हाची म्हाकां मनांतल्या मनांत उमेद जाल्ली. आनी ह्या सगळ्या खातीर म्हाका कसलोच खर्च लागपाचो नासलो. मनांक उमेद जातकूच तकलेंत कितें कितें येत कांयच सांगू नजो.

मनांत दिल्ली भरुन गेल्ली. तितल्यांत म्हाकां एकदां हांव शिरदोनचे वेळेर गेल्लेकडें, हांवेंच रेंवेर बरयल्ली एक कविता याद जाली. ती म्हजेकडें खंयच्याच पेपरार वा कादेर्नार बरयल्ली ना. रेंवेर बरयल्ल्यो गजाली लोकांच्या दोळ्यांत आनी मनांत कश्यो उरत, पूण हाची जाप मात म्हाकां विचारची न्हय. कविता अशी आसली.

कुल्ली रेंवेर धांवत उल्ली

म्हाकां पळोवन ती
भियोन गेल्ली
ती म्हण्टाली
हांव माणकुल्लीं
वचूंक म्हाका जायरे दिल्ली

कविता म्हण हे कवितेक विशेश म्हत्व आसा काय कितें, असो वा ह्या सारकिल्ले प्रस्न कोणाच्याय मनांत उप्रासूं येतात. पूण एकाद्रे गजालीक म्ह दितना आमी तें कित्याखातीर दितात, तें जाप जावप गरजेचें. ही कविता बरयल्ली तो का आसलो १९६७-६८ तलो. हांव आनी म्ह इश्ट बेतू शिरदोनचे वेळेर अभ्यासाखाती बसलेले. आमी दोगूय एकाच वर्गांत शिकताले आमी शिरदोनचे शिमित्रीसकल्या खडपांचे बसलेले. आनी तेन्ना हांव तसो कवी बी कोणू नासलों. अभ्यासा उपरांत वेळेवयल्यान चल येतना सहज म्हण बरयल्ली ही कविता. 'ही कवि जाली मरे.' बेतून म्हटलें. तशी ही म्हाका आयल्ली पयलीच कोंकणी कविता आसली. आनी म्हाकां लेगीत खबर नासलें.

ना म्हटल्यार एक दोन कविता आ बरयल्ल्यो. त्योयबी मराठींत. कविता बरयल्ल्य खऱ्यो पूण त्यो कविता जाल्या काय कितें मात म्हाका खबर नासलें. ती गजाल हांव मरा प्राथमिक शाळेंत शिकतालों तेन्नाची पाठ्यपुस्तकांतल्यो कविता वाचून म्हाकां कविता बरयन दिसलेली. आनी हांवें तसो प्रयत्नूय केल्लो. हांवें ते खातीर



शब्दार्थाचे पटयेंतल्यान कवितेखातीर शब्द सोदपाचो यत्न केल्लो. आनी त्या प्रयत्नातूच त्या कवितांचें अबॉर्शन जाल्लें. म्हाकां जें बरोंवक जाय आसलें तें म्हज्या पाठ्यपुस्तकांतल्या धड्यांनी ना हें म्हाका बऱ्याच वर्सांनी कळ्ळें. मदल्या काळांत गोंयांवयलो पुर्तुगेजाचो शेक ना जालो. गोंयान स्वातंत्र्याची अनुभूति घेतली. हांवें पुर्तुगेज शिक्षणा उप्रांत इंग्लेज शिक्षण सुरु केलें. पिलारच्या फादर आग्नेलो स्कुलांत, जें सेमिनारींत चलतालें, थंय एक पावट आमच्या इंग्लीश शिकोवपी शिक्षकान कविता बरोवपाचो अभ्यास दिल्लो. कांय भुरग्यांनी इंग्लीश कविता बरोवन हाडलेल्यो. बाकीच्यांनीय त्यो बरोवन हाडच्यो असोय आदेश शिक्षकान उल्लेल्यांक दिल्लो. म्हाकां तर जाणी कविता बरोवन हाडलेल्यो तांचें कौतुक दिसलेंच आनी म्हज्या प्राथमिक शाळेंतल्या असफळ प्रयत्नांची याद जाली. हांचें कौतुक दिसपाचें आनी एक कारण म्हटल्यार तांणी कविता इंग्लीशींत बरयल्यो. इतले मजगतीं आपली भास, परकी भास, परदेशी भास हे संबंदान जायतें वाचपाक आनी आयकुपाक गावल्लें. होय परिणाम मतींत आसलो म्हणुनूय म्हाकां तांचें चड कौतुक दिसलें. आनी हे फाटभुंयेर हांवेंय एक कविता बरयली पूण ती हिंदींत आसली. कारण ते वेळार स्कुलांत मराठी आनी कोंकणी दोनूय विशय शिकयनासले. हिंदी शिकपांत आसली आनी म्हाकां इंग्लीशीपरस हिंदी बरी येता आसल्यान म्हजी कविता हांवें हिंदींतल्यान बरयली. हाचेयपरस म्हाकां कविता बरोंवक येता हो अट्टहासूय थंय जमेक आसलो, अशें म्हटल्यार अतिताय जांवची ना. कविता बरयली आनी ती इँग्लीश सराक दाखयली. ताणें ती पळयली. ताणें ती वाचली काय ना, हें म्हाकां कळूंक ना. तो फकत हांसलो. गुड् यू रोट इट्. दॅट्स व्हेरी इंपॉर्टंट. फायन. अशें म्हणून सरान कवितेचो कादेर्न म्हज्या हातांत दिलो. इंग्लीश विसयाचो अभ्यास दुसरेच भाशेंतल्यान करप आनी ताका मान्यतायूय मेळप हो एक आगळेच तरेचो प्रसंग म्हणूंक जाय. खरें म्हटल्यार हाका अभ्यासांतलो खास पाठ म्हणपाक जाय. दुसरे दिसा सरान म्हाकां ती कविता क्लासांत वाचपाक लायली आनी ह्या विशयाचेर पड्डो पडलो अशें मात म्हणपाक जांवचें ना. मुखार हांवें ही कविता आमच्या हिंदी शिकोवपी शिक्षकाक मि. बॅकाक दाखयली. तो बिहारच्यान आयल्लो. ताची मातृभासूय हिंदी आसली. ताका म्हजी कविता खूब आवडली. आनी तेन्ना सावन ताची आनी म्हजी इश्टागत वाडूंक लागली. म्हजे हिंदी निबंधूय मि. बॅकाक आवडटाले.

कवितेंतल्यान मनशांची इश्टागत जाता हो अणभव म्हाकां हे हिंदी कवितेन दिलो. मनांत आयल्ले विचार मनशांत कसलीं कसलीं स्थित्यंतरां घडयत आसता आनी ताचे परिणाम कितले सुंदर आसतात ताचोय अणभव म्हाकां वेगळेच तरेन अनुप्राणीत करतालो. फुडें कविता अशी आयलीच ना. हांवेंय फा. आग्नेलो स्कूल सोडून पणजे इंस्टीट्यूट ऑफ इंस्ट्रक्शनांत ॲडमिशन घेतलेलें. इतले मजगतीं आनी एक कविता पिलार आसतनाच मराठींत आयल्ली. ती हांवें पिलार कोणाकूच दाखोंवक नासली. पूण हेर कोणा कोणाक दखोवन ती कशी आसा हाचो अंदाज जरुर घेतालों. कारण पयलीं केन्ना तरी मराठी बरोवपाच्या असफल प्रयत्नांतल्यान गेल्लों. तेंय जाणा जावपाचो हो प्रयत्न आसलो. इंस्टीट्यूट ऑफ इंस्ट्रक्शनांत पावतकूच हांवें ती थंयसल्ले एके शिक्षिकेक दाखयली. तिणें म्हाकां सांगली की बरी आसा. उपरांत ती कविता खंय सांडली म्हाकां कळ्ळेंच ना. आनी ह्याच काळांत ही कुल्लेवयली कविता सहज म्हण दर्या वेळेचेर पासय मारतां मारतां बोटान रेंवेर बरयली.

कुल्ली रेंवेर धांवत उल्ली

म्हाकां पळोवन ती
भियोन गेल्ली
ती म्हण्टाली
हांव माणकुल्लीं
वचूंक म्हाका जायरे दिल्ली

हे कवितेचो आकार, हिच्यांतलीं उतरां, ह्या उतरांतलें संगीत, तांतले स्वराघात, आनी ह्या सगळ्यांच्या मेळांतल्यान निर्माण जाल्लें शिल्प, आनी कविता म्हण तिचें सैमिक अस्तित्व, तिच्यांतल्यान प्रक्षेपित जातले अर्थ, हें सगळें पळयल्यार हांव जिका म्हजी अशीच विसरुन गेल्ली कविता म्हण्टां ती कितली सुंदर कविता आसली हाचो म्हाका आतां साक्षात्कार जाता. ही कविता रेंवेंत विरुन गेल्ली कविता अशेंय कोणाच्यान म्हणूं येता. आनी हांवें जंयच्यान दिल्लीची खबर सांगपाक सुरवात केल्ली ताचो संदर्भ घेतल्यार म्हज्या मनाक लागलेले दिल्लीचे वेध ह्या सगळ्याचो सुगावोय हांतल्यान लागूं येता. ह्या सगळ्याक लागून कवितेचें म्हत्वूय एका वेगळ्या स्तरावयल्यान समजून घेंव येता. ह्या भायर ही रचना तत्कालीन भाशेचो आनी वाक्प्रचाराचोय सहज आलेख व्यक्त करता. हातूंत एक शब्द असो आसा जातूंत म्हजी वळख आसा अशें म्हजे कांय वाचक म्हणपाची शक्यता आसा. आनी तो शब्द म्हटल्यार माणकुल्लीं. माणकुली ह्या उतराचेर जें खास वजन आयलां तें वजन मनाक बरे तरेन समजून आयल्ल्या कारणान तें बदलून माणकुल्लीं जालां. एका सामान्य मनशाची इच्छा अशी एके कुल्लेच्या प्रतिमेंतल्यान दर्या देगेर हुळहुळटा तें पळयल्यार कवितेचो एक वेगळो आयाम लक्षांत येंव येता. हें एक अनाकलनीय संवेदन. खरें म्हटल्यार कवितेकडें पळयतकूच तिचे पार कितें दिसता तें पळोवप आनी तांतलें नवें दिसप समजून हो एक वेगळोच अभ्यास आसता. आनी असलो अभ्यास फकत कांय लोकांकूच आसता, अशें कांय जाणगुणांचें मत आसा. ह्या परिप्रेक्षांतल्यान हे कवितेकडें पळयतना आयज म्हजे हांवूच थटाकतां. दिल्ली वचपाचो आटाप केन्ना सावन चल्लेलो, ताचोय मानसीक आलेख, नकळत हे कवितेंत आपलें अस्तित्व दाखोवन वयता.

तर एक दीस हांव दिल्ली पावलोंच. दिल्ली पावलों तो दीस बरोब्बर २६ जानेर १९८१. दिल्लींत म्हजे सांगाताक म्हजो एक फा. आग्नेलांतलोच शिक्षक आसप होय एक योगायोग. आनी मागीर हांव बरेच पावटीं दिल्लीक पावलों. १९८५ त हांव परत दिल्लीक गेल्लों तेन्ना साहित्य अकादमीच्या ऑफिसांत गेलों आनी थंय म्हाकां तेन्नाचो इंडियन लिटरेचरचो संपादक मि. बालू राव गावलो. ताची म्हजी वळख आसली. ताणें म्हाका च्या पाणी दिलेंच आनी तेच दिसा सांजवेळा साहित्य अकादमीच्या कार्यक्रमाचें

निवेदन एक कला

- काश्मिरी पावसकार

देखून तोंडार मुमुरखो हांसो दवरून दोळ्यांनीं उलोवचें. उलयतना उतरांक अर्थाची खोलाय दिवची. हांसतें मुखामळ हो निवेदकाचो प्लस पोयंट. त्याभायर खाशेली शैली आपणावची. देखीक 'सारे ग म प' ह्या रियेलेटी शोच्या वेळार निवेदक सर्तकांच्या नांवांचेर कविता रचून एके वेगळे शैलीन सर्तकांक माचयेर सादर करून लोकांची दाद मेळयता.

तुमी वाचतात तें बरें जालें
देवाचें सांगणें खरें जालें

तुमकां समेस्त वाचकांक म्हजो मायेमोगाचो नमस्कार. आयज म्हाका निवेदन हे कलेविशीं कांय गजाली सांगच्यो आसात. आतां हें निवेदन म्हळ्यार कितें? ताची गरज कितें? 'अँकर' वा 'सूत्रधार' हो कसो आसचो? अशें कांय प्रस्न आमच्या मनांत येतात.

पुराय सुत्रांचें संचालन म्हळ्यार सूत्रसंचालन. कसल्याय कामांत सुसूत्रताय हाडपाक, मेळ बसोवपाक निवेदनाची गरज पडटा ते खातीर ताच्या आंगांत ती कला आसची पडटा. नासत जाल्यार आपणावची पडटा. फावो ती कला आत्मसात करची आसता. सादी देख घेवया. संक्राती निमतान आमी मळबांत पतंग सोडटात. तो चडांत चड उंचायेर वचचो हो आमचो हावेस आसता. अमके उंचायेर पावतकीर तो थीर जावचो ही आमची अपेक्षा आसता. ते खातीर हवेचो अदमास घेवन पतंग वयर-सकयल ओडटात. मदींच सैल सोडटात. अशें करतना मदींच तो उरफाटो जाता, तर केन्ना गुटल्यो खायत रावता. हें आमी सगलें जमनीवेल्यान नियाळतात. थंयच्यान ताचेर नियंत्रण दवरतात. त्या वेळार पतंगाची दोरी तितकीच आमच्या हातांत आसता. आनी होच त्या पतंगाचो आनी आमचो संबंद. आमच्या हातांतल्या दोरयेच्या आदारान हो पतंग मळबांत हुबता तेन्ना तो पतंग विशिश्ट अशा दोन सुवातिनी उबो-आडवो बांदतात. मदेकात ताका आनीक एक घट्ट दोरी आसता. हे दोरयेक आमी 'सूत' वा 'सूत्र' अशें म्हणटात. ह्या सुत्राबगर त्या पतंगाक पुर्णत्व येना देखून तें गरजेचें आसता.

सूत्रसंचालन हेंवूय अशेंच आसता. कसल्याय कार्यक्रमाक सगल्यांत पयलीं उपस्थितांकडेन संवाद सादपी हो सूत्रधारूच आसता. ताका पुराय कार्यक्रमाचीं सुत्रां सांबाळचीं पडटात. देखून ताणें बरी सुरवात केल्यार कार्यक्रम बरो रंगता, नाजाल्यार भंगता. चुकून कार्यक्रम लांबल्यार ताकाच तो सुत्रांत हाडचो पडटा. जो कोण हें काम करता ताकाच आमी सुत्रधार वा निवेदक अशें म्हणटात. एक मात ताका सुत्रां सांबाळची कळाशी आंगांत केळोवची पडटा. तेन्नाच तो कलाकार जावंक पावता. पूण आयचे घडयेक निवेदन ही कला वा छंद इतक्या पुरतें उरूना तर ताका आतां वेवसायाचें वा करियराचें रूप आयलां. ते खातीर गरजेचीं कांय सुत्रां हांव हांगा सुचयतां.

हांतलें **पयलें सूत्र** -उलयात. तुमकां उलोवंक येता काय ना, येतलें काय ना हे विचार मनांत हाडूं नाकात. संद मेळटा तेन्ना उलयत रावात. Idea हे मोबायल कंपनीचो एक स्लोगन आसा 'वॉक अॅण्ड टॉक' ते प्रमाण चलतां-भोंवतां, उलयत रावात. भुरगेपणांत आमी अनुकरणांतल्यान उलोवंक शिकतात. तेन्ना सुरवेक उतरां लुडबीं वतात, उच्चारण चुकीचें जाता पूण उपरांत अणभवान आनी सरावान आमची वाणी शुध्द जाता. हाचोच उपेग करून आमी मेळिल्ले संदीचें भांगर करूं येता.

दुसरें सूत्र- उलयत रावात. निवेदकान एकदां उलोवंक सुरवात केली काय उलयत रावपाक जाय. उलयतना तोंडार हांसो दवरून, आपले खाशेले शैलींत, तशेंच भावनेचेर ताबो दवरून जाय तितकेंच उलोवचें आसता. आपूण उलयतना हेर लोक कशे कान दिवन आयकतात, तांचे मुखावयले भ कशे आसतात तें नियाळून तुमी तुमचे हावभा आवाजाचो चडउतार, उतरांवेलो भर ह्यो गजा शिकच्यो आसतात. हाचेमुखार वचून तुमी उलयल्यात ताचें आत्मपरिक्षण घेवचें आसत ते खातीर जाणकारांचो फावो तो अभिप्राय घेवं आसता. मागीर आपलींच नोतां आपल्याकू कळून येतात. देखीक आमी नवो सीडी प्ले घेतकच पदां आयकुपाक म्हुण बटन अ करतात. सुरवेक स्पिकरांतल्यान आवाज घुम वा खरखरता तेन्ना आमी बेजारतात. हा सादो सोपो उपाय म्हळ्यार वॉल्यूम अॅडज करून ट्युनींग करप. गरज पडल्यार सी संचांत दोश आसल्यार सोदून काडप. निवेदनाचे तशेंच आसता. ताका आपलो आवाज सुर हाडून पिकोवचो आसता. ते खातीर वॉ बेसिनाचो पोडियम म्हुण वापर करून हारशामुख उबो रावून फावो तो सराव करचो आसत नाच जाल्यार घरच्या कोणाकूय मुखार बसोव उलोवचें आसता.

तिसरें सूत्र - पुर्वतयारी करून पर्थून पर्थ उलोवप. जे भाशेंत निवेदन करचें आसता तशेंच हेर भाशेचेर प्रभुत्व मेळोवचें आसत त्याखातीर पयलीं सगले मुद्दे रफ, मागीर वेवस्थी मांडून ताची फेर कॉपी करप. येवकार धरू उपकारा मेरेनचें बरोवन दवरिल्ल्यान ताचें पाठां जावन फायद्याचें जावं येता. सगळे तपशी बरयल्लो एखादो कागदा कुडको पोडियम दवरचो. डॉ. अजय वैद्य धरून अनंत अग हांचे मेरेनचो होच अणभव आसतलो.

चवथें सूत्र– उलोवप सभावीक, सादें, सोपें, सुटसुटीत पूण रसाळ आसचें. उलयतना उतरांची उंचाय, तीव्रताय सांबाळची. उतरांभितर सुचकताय दवरप, फावो त्या उतरांचेर भार आनी भर दिवप, नांवां मुखार फावो ती उपाधी लावप अशे कांय वक्त्याचे गूण आपणायल्यार उलोवप स्पश्ट आनी खडेगांठ जाता. शक्य तितकी नाटकी भास आनी विशेशणाचो अतिरेक टाळचो. उच्चारूंक कठिण आशिल्लीं उतरां जतनायेन वापरचीं. नाजाल्यार 'श्रीफळा'चें 'स्रीफळ' जाता. 'आवाहना'चें 'आव्हान' वा 'भोवमानेस्ता'चें 'सर्गेस्त' जावं येता. दुसरी गजाल मदीं विसव वा उसरपत घेवन, फावो त्या विरामचिन्हांचेर भर दिवन उलोवचें. देखीक हेंच वाक्य पळयात 'आमी चोर फटींग लोकांक धरतात.' वा 'आमी सगले बैल गाडयेन घरा गेले' हीं वाक्यां उद्गारतना अर्थाचो अनर्थ जावं येता.

दुसरी म्हत्वाची गजाल आयज एसएमएसचीच चड भास चलता देखून उण्यांत उण्या उतरांनीं चडांत चड अर्थ हाडपाची फिशालकाय जोडची पडटा. आयकतल्यांक श्वास घेवंक, विचार करूंक वाव दिवचो. नाजाल्यार तें वॉर ऑफ वर्ड्स जाता. जपानी लोक बॉन्साय तयार करतना वायरिंचो योग्य उपेग करून झाडांच्यो खांदयो आवळून घेतात. तशेंच कन्डेन्स् उतरांचो अदीक वापर करून भास अर्थगर्भ करची पडटा.

पांचवें सूत्र– वयलेवयर वाचूं नाकात. उलयतना संवाद सादात. उथळ उलयल्यार प्रेक्षकांच्या काळजामेरेन तें पावना. देखून तोंडार मुमुरखो हांसो दवरून दोळ्यांनीं उलोवचें. उलयतना उतरांक अर्थाची खोलाय दिवची. हांसतें मुखामळ हो निवेदकाचो प्लस पोयंट. त्या भायर खाशेली शैली आपणावची. देखीक 'सारे ग म प' ह्या रियेलेटी शोच्या वेळार निवेदक सर्तकांच्या नांवांचेर कविता रचून एके वेगळे शैलीन सर्तकांक माचयेर सादर करून लोकांची दाद मेळयता.

सवें सूत्र– उलयतना कार्यक्रमाचो वेळकाळ लक्षांत घेवन उलोवचें. निवेदन टिव्ही



वयलें, रेडियो काय लग्न, वाडदीस ह्या सारक्या घरगुती सुवाळ्यांचें, काय राजकी, समाजिक कार्यावळीचें तें विज्युअलायज करून मागीरूच उलोवचें. संद मेळळ्यार मानेस्तांचे स्पेशल अचिव्हमेंट बी आसल्यार नमूद करचे. तशेंच उलयतना कोणाक दुखयनासतना वा खाजगी जिवीताक हात घाली नासतना उलोवचें.

सातवें सूत्र– उपयुक्त साहित्याचो फावो तो वापर करचो. देखीक इंटरनेट, दिसाळीं, मासिकां, सोविनीयर वा खंयतरी आयकल्ल्या वा वाचिल्ल्या गजालींचो वापर करचो. त्या भायर सुविचार, सुभाशितां, कविता, लोकगितां, गझल, शेरोशायरी वा एखाद्री तिकली, चारोळी हांचोय वापर करचो. अशें केल्ल्यान उलोवप रसाळ जावन तोखणायेक पात्र थारता. नवीं तंत्रां वापरतना निवेदनाचे विशीश्ट गूण विकसीत करचे. देखीक समय-सुचकताय, हजरजबाबीपणा, प्रसंगावधान आदी. हांगा सूत्रधार हो केदोय व्हड पंडीत आसूं ताणें आपलें ज्ञान पाजळचें न्हय. चुकीचो संदर्भ वा अर्दवट म्हायती तरी सामकी घातकी जावं येता.

आठवें सूत्र– थरिल्ल्या वेळापयली अर्दवर पयलीं हाजीर आसचें. हाचो फायदो आसनवेवस्था, फुलांतुरे, हार, मायक, सत्काराचें सामान ह्या सारक्या गजालींचेर चाणाक्ष नदर मारूंक मेळटा. सभाघरांत नाशिल्ल्या गजालींची तजवीज करूंक मेळटा. नाचजाल्यार कसलोय बदल करचो आसल्यार बदल करूंक मेळटा.

णववें सूत्र – माचयेवेल्या मानेस्तांची तोंडवळख आसची. तांचो हुद्दो, वावर, शिक्षण, समाजीक, राजकी मळावेलें योगदान हांची वळख आसल्यार निवेदन गिरेस्त जावं येता. नाजाल्यार हांसो जाता. चुकून मनार ताण येवन शॉर्ट टर्म मेमरी लॉस जावन म्हत्त्वाची म्हायती विसरपाची शक्यताय आसता. तर केन्ना-केन्ना अती आत्मविश्वासान फजेतीय जावं येता. केन्नाय एकापरस दोन सूत्रधार आसल्यार कॉर्डीनेशनाची गरज पडटा. तशेंच मदीं ब्रेक घेवपाची एक आगळी-वेगळी स्टायल आपणावची पडटा.

धावें सूत्र – समयसुचकताय- आयत्या वेळार बदल करपाची तयारी. चर्चासत्र वा मुलाखती वेळार वक्तो सुबेज उलयल्यार ताका वेळेचें बंधन घालचें आसता. त्या खातीर योग्य वेळार चीट धाडून वा कुरू करून थांबोवचें आसता. दुसरी गजाल निवेदन चालू आसतना मदींच कोणतरी येवन कानांत फुतफुतता वा कागदा कुडको धाडून सुचोवणी करता. तेन्ना वेळ मारून व्हरचो आसता. देखीक फुलां भेटयतना कोणूय गैरहजर आसल्यार लागींचे वा वळखीचे व्यक्तीक सोदून काडून तें काम ताचेर सोपोवचें आसता. हांगा फक्त यादीचेर पातयेवन रावून काम जायना.

अशें हें निवेदनाचें दुय्यम काम वयलीं कांय सुत्रां सांबाळून मोलाचें करूं येता. तें कितेंय आसूं, अशे तरेन निवेदन हो आनंद पुराय असो अणभव करून निवेदकान उपाट आनंद भोगचो तशेंच आयकतल्यांकूय उपाट आनंद भोगूंक दिवचो. इतकें सांगून हांव तुमचो निरोप घेतां आनी तुमकां सुत्रां सांबाळपाचीं परबीं भेटयतां. देव बरें करूं!

■

– काश्मिरी पावसकार
बामण वाडो, शिवोले – गोंय.
मो. : ९४२११९२८५८

वासाकडेन नातें

- सुजाता सिंगबाळ

पावस येवचे पयलीं भोंवतणचीं पानां, बडयो एकठांय करून तांकां उजो लायतालीं. तेन्ना धुंवर सुट्टालो आनी सगळ्या पानांच वेगळोचसो वास येतालो. हांव ताका पानांचो वास म्हणतालें. पेरीच्या पानांचो वास वेगळो, लिंबाच्या पानांचो वेगळो. मेथयेची पानां वाटून चवथीकडेन मेथी घालपाक बसतालीं. मेथयेच्या पानांचो वास घरभर पातळटालो. म्हाका मात मेथयेचो वास तितलोसो आवडनाशिल्लो.

खंयच्याय नव्या शारांत पावलीं की तें शार 'explore' करूंक म्हाका आवडटा. बॅन्गलोर तशें नवें न्हय. वर्सांतल्यान एकदां तरी थंय पावप जाता. मागीर नवें पळोवपा सारकें आतां कांयच उरूंक ना. पूण भोंवतां भोंवतां 'स्पा' दिश्टी पडलो. भितर वचून वासपूस केली. खरें म्हळ्यार वासपूस करपाची गरजच नाशिल्ली. भितर सरतनाच वासान मन 'रीलेक्स' जालें. 'ॲरोमा थॅरपी' म्हणटगीर मन खोशी जालें.

फुलांच्या वासाच्या तेलान मसाज. लव्हेन्डराचें तेल म्हज्या आवडिचें. लव्हेन्डराच्या तेलान मसाज हे कल्पनेनच मन खोशी जालें.

भोंवतणचें ambience मन खोशी करतालें. भोंवतणी वासाच्यो मेणवाती पेटिल्ल्यो. 'लायट म्युजीक' लायिल्लें. लव्हेंन्डराचो वास आनी 'संगीताची धून'.

वास देहांत झिरपतालो आनी मन वासाच्या पांखार बसून भूतकाळांत पावलें.

भुरगेंपणांत पावलें. सामकें वोवळांच्या झाडामुळांत. वोवळांच्या फुलांचो वास सगळ्या फुलांपरस वेगळोच बी. तो वास शाश्वत वास. वोवळां सुकलीं तरी वास कमी जायना आनी वोवळांचीं फुलां कुसनांत. आमगेल्या घराभोंवतणी सगळ्या फुलांचीं झाडां आशिल्लीं. दर फुलांचो वास वेगळो. जायांचो वास मंद, मोगऱ्याचो मात्सो चड खर. पावसा दिसांनी हातो (कवासो) फुलतालो तेन्ना ताचो वास सगळ्या वाठाराक येतालो.

आमगेले पडवेर बसलीं की नदर सुरंगीच्या रुखार वताली. जेन्ना सुरंगां फुलतालीं तेन्ना तिजे कळे काडूंक सांजचीं रुखार चडूंक येतात तीं भुरगीं वयर चडटालीं. केन्ना केन्ना सुरंगांचे कळे काडनासतनां उरताले तेन्ना अख्खो रूख फुलतालो. सगळो वाठार परमळीत जातालो. फुलिल्ली सुरंगां रुखामुळा पडटालीं. सामको भांगराचो पिठोसो. ते हळदुवेच सुरंगां वळेसर चड सुंदर दिसतात काय ताचो वास चड सुंदर असो प्रश्न म्हाका खूबदां पडटालो... सुरंगां वळेसर गोंयची पारंपारीक वस्त. गोंयांत लग्नाक बायलो आमाड्याचेर भांगराचो सुरंगांवळेसर माळटात. म्हाका मात सैमीक फुलांचें झाड आवडटा जें वासान आनी फुलाच्या सोबितकायेन मन धुंद करता.

आमगेल्या घराभोंवतणी कितलेशेच चांफे आशिल्ले. सोनचाफो, नागचाफो. सोनचाफीं भांगरासारकीं दिसतात म्हण तांकां सोनचाफीं म्हणटात पूण नागचाफ्याक नागचाफो कित्याक म्हणटात काय? असो प्रस्न मनांत येतालो. सोरपाक बी त्या चाफ्याचो वास आवडटा म्हण 'नागचाफो' नांव पडलां आसतलें अशें म्हाका दिसतालें. नागचाफ्याचो तो रूख खूब व्हड. ताचो वास सुट्टा तेन्ना कळटालें की चाफो फुल्ला. मराठींत एक 'भावगीत' आसा. 'चाफा बोलेना'. तें पद रेडीओचेर लागतालें तेन्ना म्हाका त्या पदाचो अर्थ मनाक पटनाशिल्लो. 'चाफा बोलेना' अशें कवीन कशें बरयलें? आमगेल्या आंगणांतलो चाफो वासान उलयतालो. सामको मनांतलें म्हाका सांगतालो. मागीर चाफो उलयना कसो?

चाफो उलयतालो. फुलांची उलोवपाची भास म्हळ्यार वास. फुल वासांतल्यान उलयता. दर फुलाचो वास वेगळो. जनेलाकडेन रातराणी आशिल्ली. ती रातची फुलताली. तिजो वास घरभर पातळटालो. रातराणीचो वास मात्सो उग्र सो रातराणयेचो वास म्हाका आवडनाशिल्लो. ऋ बदलता तशीं नवीं नवीं फुलां फुलतालीं. वास बदलतालो. भोंवतणी फुलांच फुलां आनी तां वास. मन 'रिलेक्स' जातालें. सामकी 'फ्री ॲरोमा थेरपी' दर एका फुलाचो वास वेगळो फुलांची वळख फकत ताचे सोबितकायेंत ना वासांतय फुलांची वळख आसा. ज्या फुलां वास येता तीं फुलां वासांतल्यान वळख सांगतात गुलाब फुलांचो राजा. आमगेर फकत गुलाबा झाड नाशिल्लें. सगळीं फुलां फुलतात आनी गुलाबाचें फुल ना अशें कशें जातलें? तांबड्या गुलाबाचें झाड लायलें. पूण तें फुलच ना. खूब तेंपान एक फुल फुल्लें. 'गुलाबाच्या फुलाचो वास पळय गो. मिरमिरीतसो.'

''मिरमिरीत वास म्हळ्यार कितें गे?'' हां आजेक विचारलें.

तिणें 'मिरमिरीत' म्हळ्यार कितें तें सांगूं ना. वासाचें तें एक वेगळेंपण आसतलें. जायांचो वास मंद, हात्याचो वास 'मंत्रमुग्ध' करता वोवळांचो वास शाश्वत, चिरंकाल उरपी वास तसोच गुलाबाचो मिरमिरीत. देव दिश्टी पडना पूण उर्जेच्या रुपान भोंवतणी आसता. तसोच वास. वास श्वासासारको दिश्टी पडना पूण वासाकय वळख आसता. आगळिवेगळी वळख

''तुका गुलाब आवडटा. हें पयलें फूल त माळ.''

''तुका पिशेंपणां केलेबगर जायना?''

"पिशेंपणा कसलीं? तुका गुलाब आवडटा तूं माळ."

"तुजो आजो ना न्हय. मागीर हांव गुलाब कसो माळटलीं?"

म्हाका दिसतालें आजेक गुलाब आवडटा तिणें तो माळचो. आजो ना म्हण ती कुंकूम लायना, फुलां माळना. घोव जिणेंत येवचे पयलींच आमी फुलां माळटात, मागीर घोव वतगीर कित्याक माळप ना? म्हज्या मनांत प्रस्न आयलो की हांव तिका विचारतालें.

तिणें जाप दिली ती आजय याद आसा "विधवा बायलेक कसलेच वस्तीचो मोह जावंक फावना."

तिचेर जाल्ल्या पारंपारीक संस्काराक लागून तिका तशें दिसतालें. म्हाका तें तेन्नाय पटनाशिल्लें आनी आतांय. आयज म्हाका दिसता खंयचीय वस्त जर मेळ्ळी ना तर मनशाक ती चड जायशी दिसता आनी मेळ्ळी की त्या वस्तीचें आकर्शण सोंपता. मनांतल्यान वस्त नाका जाता तेन्नाच मन 'निर्मोही' जाता. फुल हें देवासारकें. देवान फुलां सगळ्यां खातीर केल्यांत. मागीर विधवेन फुल माळूंक जायना अशें कशें? असो विचार म्हज्या मनांत येतालो आनी हांव तिका तशें म्हणटालें तेन्ना म्हजे विचार तिका पिशेंपणाचे दिसताले. फुल हें देवान सगळ्या मनशां खातीर केलां आनी वासय.

बॅन्गलोर आमचो एक इश्ट आसा. तागेल्या पोरसांत कितलींशींच गुलाबाचीं झाडां. तागेली बायल गुलाबाच्या फुलांचो गुलकंद करता. सामको घरावो गुलकंद. बाजारांत गुलकंद विकूंक मेळटा पूण तिच्या गुलकंदाची रूच आनी वास हाची सर त्या बाटल्यांतल्या गुलकंदाक येना. एकदां आमी तांगेर गेल्लेकडेन ती गुलकंद करताली. त्या गुलकंदाचो वास घरभर सुटिल्लो. दर एका खाणाकय वास आसता. आगळो वेगळो. पणसाचें धोणस करतात तेन्ना धोणसाचो वास घरांत सुट्टा. भाजिल्ल्या बांगड्यांचो वासय असोच. दर एका खाणाचो वास वेगळो. लोणचें घरांत करतात तेन्ना गोड लोणचें काय तीख लोणचें तें आमकां वासावेल्यान कळटालें. गोड लोणच्याच्या वासान गोडाचो वास येतालो...



मुग भाजले की वास सांगतालो घरांत कण्ण करतात. हळदीच्या पानांचो वास सुट्टालो आनी पातोळ्यांचें आमंत्रण दितालो. वासाची ही यात्रा वासाच्या राज्यांत भोंवतां भोंवतां मन मातय थकना.

पावस येवचे पयलीं भोंवतणचीं पानां, बडयो एकठांय करून तांकां उजो लायतालीं. तेन्ना धुंवर सुट्टालो आनी सगळ्या पानांचो वेगळोचसो वास येतालो. हांव ताका पानांचो वास म्हणटालें. पेरीच्या पानांचो वास वेगळो, लिंबाच्या पानांचो वेगळो. मेथयेचीं पानां वाटून चवथीकडेन मेथी घालपाक बसतालीं. मेथयेच्या पानांचो वास घरभर पातळटालो. म्हाका मात मेथयेचो वास तितलोसो आवडनाशिल्लो. आनी मेथी घालूंक आवडनाशिल्ली. अडुशाच्या पानांचो वास म्हाका खूब भावतालो. कोकणींत, एक म्हण आसा. 'जोर रडटा पेजेक' म्हजो जोर मात अडुशाच्या उदकाच्या न्हाणाक रडटालो. जोर येवन वतगीर अडुशाचीं पानां उदकांत शिजोवन न्हावंक दितालीं. केन्ना जोर वतलो आनी त्या पानांच्या वेगळ्या वासान न्हावंक मेळटलें अशें म्हाका जातालें. आजय जोर येवन वता तेन्ना अडुशाच्या उदकाच्या वासाची याद जाता. म्हजी आजी ज्युस्त उदक आसा, चड हून बी ना न्ही म्हण हात घालून पळयताली. अडुशाच्या वासाक तिज्या मोगाचोय वास आशिल्लो. आतां पोरसांत अडुसोय ना आनी आजीय ना. उरल्यात फकत यादी.

श्रावण म्हयनो आनी वासाचें वेगळेंच नातें आसा. श्रावणांत कितलेशेच सण. सणाक वाराक घरभर फुलांचो वास, उजवातींचो वास आनी खाणांचोय वास. तुपाचो दिवो पेटून पालवता तेन्ना वेगळोच वास सुट्टालो आनी तेलाच्या दिव्याचो वेगळो वास. तिनसांजचो घरभर धूप घालतालीं तेन्ना धुपाच्या वासान मन प्रसन्न जातालें. निर्विचार, निर्विकार जातालें. ल्हान भुरग्यांक न्हाणयतगीर धूप दितालीं तेन्नाय घरभर धुपाचो वास सुट्टालो. भुरग्यांक बरोऽ धुपाचो वास येतालो. हांव भुरगेपणांत त्या वासाक भुरग्यांचो वास म्हणटालें. श्रावणांत देवसपण घरांत जाता तेन्ना धुपाचो, उजवातींचो वास येता - पवित्रसो वास. हो भुरग्यांचो वासय असोच निर्मळ-पवित्र. दोळे धांपून तो वास देहाच्या, मनाच्या कणाकणान हुंगून घेवचोसो दिसतालो. वासाचें आनी मनशाचें नातें आसता आगळें वेगळें पूण ह्या सगळ्या वासामदीं म्हाका आवडटा मातयेचो वास. पयलो पावस पडटा आनी मातयेक वास सुट्टा तो म्हाका खूब खूब आवडटा. त्या मातयेच्या वासाकडेन म्हजें जन्माजन्माचें नातें आसा अशें म्हाका दिसता. पावस पडटा आनी वास सुट्टा तेन्ना हांव सगळीं कामां सोडून वास घेयत बसतां.

कितलोसोच वेळ.. शेणिल्ल्या सारकें. म्हजोय, म्हाका विसर घडटा. वासाकडेन मन 'एकरूप' जाता. भुरगेपणांत भोंवतणी खूब जागो. पावस पडटा तेन्ना मातयेचो वास सुट्टालो. खूब चड.. कितलोसोच वेळ... अजूनय हांव पयल्या पावसाची वाट पळयतां. पावस येतलो आनी मातयेचो वास सुट्टलो.

जशें श्वासाचें आनी म्हजें नातें
तशें वासाचें आनी म्हजें नातें

तशेंच भुंयेच्या वासाचें आनी म्हजें नातें. मातयेच्या वासाकडेन म्हजें नातें आसा तें नातें सामकें 'स्वयंभू'. सामकें नॅचरल.

■

- सुजाता सिंगबाळ
पर्वरी - गोंय. मो. : ८३७८९८८५५०

आताचीं भुरगीं आवयबापायचें आयकनांत

- कुसुम अग्रवाल

रस्त्याचेर वाट मेळत तशी वेगान गाडी वा स्कुटर, मोटरसायकल चलोवपी पळयल्या उपरांत आमच्या सारक्या मनशाच्या आंगार कांटो उबो रावता. म्हणटा म्हणसर वाहन चलोवपी चालक रोखडोच दृश्टीआड जाता.

शाळा, उच्च माध्यमिक वा आमच्या रावतल्या वाड्चार लेगीत पालकांच्या तोंडांतल्यान हें वाक्य आयकप आमचे संवकळीचें जाल्लें आसा. तांच्या ह्या वागण्याक पालका इतलीच समाजवेवस्था जबाबदार आसता. तांचीं नाडेपेन्ना तांच्या घराब्यापुरतींच आसतात तेन्ना बरें आसा. आपलो बाबुलो म्हुण ताचेकडें आडनदर करतात. पूण होच स्वैराचार जेन्ना एखाद्रयाच्या घराब्याची बुनयाद हालोवन तो घराबो खिळखिळीत करता तेन्ना तें दुख्ख खूब व्हड आसता. आजसुद्धां ते घटणेचो उगडास येतकच मन सामकें चडफडटा. तांच्या निष्काळजीपणा खातीर त्या घराब्याक केदें व्हडलें दुख्ख भोगचें पडलें म्हुण ते वृत्तीची तिडक मारता.

एका सुखी पूण अपघातान उध्वस्त जाल्ल्या एका घराब्याची ही काणी–

प्रकाशान घड्याळीकडे पळयलें. देड वर जाल्लें. ताणें बेगीबेगीन खणांतलो चावयांचो घोंस काडलो. पयश्यांच्या खणाक चावी केली आनी दुकानाचें शटर सकयल ओडलें. चावी करून कुलूप ओडून पळयलें. चावी जाल्या हाची खात्री जातकच स्कुटर चालू करून तो शाळेचे दिकेन वचपाक लागलो. ताचो बारा वर्सांचो चलो सुरेश, घरा वचपाखातीर ताची वाट पळयतालो. हें ताचें सदचेंच आशिल्लें. केन्ना केन्ना दुकानार गिरायक आसल्यार प्रकाशाक मातसो वेळ जातालो. तेन्ना सुरेश पप्पाचेर रागार जातालो. 'पप्पा कितलो वेळ तुका? म्हाका भूक लागल्या.' म्हुण शिणटालो. मागीर दोगूय मम्मीन गांदून दवरिल्ल्या नुस्त्याची याद काडीत, जिबेर लाळ हाडीत घरा वताले. सात वर्सांची भयण सोनिया घरा आयिल्ली आसताली. बापूय आनी धूव-पूत वांगडाच जेवपाक बसतालीं. एकामेकांचीं फकांडा करत, शाळेच्यो खबरो रंगार येतात्यो. तव्यावयलें हुनहुनीत तळिल्लें नुस्तें आसत जाल्यार तीं पोटभर जेवतालीं.

'त्या' दिसाय प्रकाश आपल्या पुताक घेवन घरा वतालो. बापूय पुताची ही स्कुटरीचेर भोवपाची निमणी वेळ आसतली हें दोगांयनी चितूंक लेगीत नाशिल्लें. स्कुटरीचो वेगूय चड नाशिल्लो. गांवांतलो रस्तो आशिल्ल्यान येरादारीय चड नाशिल्ली. इतल्यान हॉर्न वाजयत वेगान एक गाडी फाटल्यान येवपाक लागली. हाचेर आनी कसलो सांवार आयला अशें मनांत चिंतून गाडयेक मुखार वचूं दी म्हुण ताणें स्कुटर रस्त्याचे कडेक व्हेली. ते गाडयेचो वेग खूब आशिल्ल्यान, स्कुटरीक धक्को दिवन ती तशीच मुखार गेली. प्रकाश आनी सुरेश रस्त्याचे कडेक शेवटले. प्रकाशाच्या जांगडाक मार लागिल्लो. घावो जावन भळभळीत रगत व्हांवतालें. सुरेशाक घावो जावूंक नाशिल्लो. पूण तोवूय बरोच धाडवल्लो. आपल्या पप्पाक वळवळटा तें पळोवन ताचेर आकांत आयलो. आशीकुशीक घरूय नाशिल्लें. ताणें बापायच्या बोल्सांतलो मोबायल काडलो आनी आपल्या मम्माक अपघाताची खबर सांगली. सदचे भशेन नुस्तें तळून ती घोवाची आनी पुताची वाट पळयताली. घोवाच्या अपघाताची खबर आयकून तिचे हात पांय थरथरपाक लागले. घर लागींच आशिल्ल्यान आपल्या देराक घेवन ती थंय रोखडीच पावली. रगतान माखिल्ली प्रकाशाची कूड फाटल्या सिटाचेर दवरून, ताची तकली तिणें आपले मांडयेर दवरली. दूक सोसना जावन तो वळवळटालो. हॉस्पिटलांत पावनाबरोबर दोतोरान रोखडोच इलाज करपाक सुरवात केली. रगत थांबपाचें नांव काडीनाशिल्लें. जांगडाच्या हाडाचो चुरो जाल्लो आनी भितरले शिरेंतल्यान रगताचो स्राव बंद जायनाशिल्ल्यान अशक्तपणाय आयिल्लो. दोतोरांचे प्रयत्न चालू आसात हें तांचे धावपळीवयल्यान कळटालें. प्रकाशाक जीण दिवपाचे बाबतींत दोतोर अपेशी ठरले. तेच राती प्रकाशान ह्या संबसाराक फाट केली.

कोणेतरी ते गाडयेचो पाठलाव केलो पूण ते ती गाडी वाटेर सोडून रानांतल्यान पळून गेले. आपणे धक्को दिल्ल्या त्या मनशाचें कितें जालां? हें पळोवचें अशें लेगीत तांकां दिसलें ना. तांकां जखम जाल्यार आपले गाडयेंतल्यान हॉस्पिटलांत व्हरूया ह्या मनीसपणाच्या धर्माक लेगीत जागले नात. गाडयेचो चालक धरून जे भुरगे गाडयेंत आशिल्ले ते सगले अठरा वर्सां सकयल्ल्या पिरायेचे. कायद्यान ते गाडी चलोवपाक शकनांत. तरीसुद्धा गाडी चलयताले. तांकां आवय-बापायचें सांगणें आयकुपाची संवय नाशिल्ली. तांकां जीण जगप म्हळ्यार स्वैराचार दिसतालो. तांची जीण लगाम नाशिल्ल्या

घोड्यासारकी आशिल्ली. घरच्यांचो दोळो चुकोवन ते गाडी घेवन गेल्ले. त्या तरनाट्यांची मस्ती प्रकाशाच्या घराब्याक खूब म्हारग पडली. तांच्या त्या गाडयेच्या वेगान त्या घराब्याचो सपनांचो वेग सामकोच थांबलो. इल्ल्याशा भुरग्यांक मेळटालो तो बापायचो मोग ताणीं झोमून व्हेलो. तांच्या आडांगीपणा खातीर ते बायलेक आपलो घोव वगडावचो पडलो. तिच्या मनाचेर व्हडलो आघात जालो. तिची चाळीस वर्सांची हांसती फुलती जीण भकास करून सोडली. मनशाचें मरण आज सामकें सवाय जाल्लें आसा. आमकां सगल्यांक एक ना एक दीस मरपाचें आसा. पूण आमच्या नशिबांत, जितलें जगपाचें आसा, तितलें तरी जगपाचो हक्क आमकां आसपाक जाय. भुरगीं आवय बापायचें आयकनांत ही ढाल घेवन तांचे हे नावाडगे भुरगे दुसऱ्यांचे जिणेकडे खेळपाक शकनांत. भुरग्यांची फाजील अपुरबाय करतना हो लोकांचो घात करचो ना हाची जाणविकाय पालकांनी दवरपाक जाय. आपल्या भुरग्यांक सगल्योच गजाली कळच्यो हो आयच्या आवय-बापायचो हावेस. इल्ल्या इल्ल्या भुरग्यांक मुखार बसोवन स्कुटरी शिकोवपी भुरग्यांचो बापूय वा ताचो मामाच आसता.

रस्त्याचेर वाट मेळटा तशी वेगान गाडी वा स्कुटर, मोटरसायकल चलोवपी पळयल्या उपरांत आमच्या सारक्या मनशाच्या आंगार कांटो उबो रावता. म्हणटा म्हणसर वाहन चलोवपी चालक रोखडोच दृश्टीआड जाता.

वाहनाचे रेसी खातीर ते आपले जिणेची रेस अर्द्यारूच सोडून वतात आनी आपल्या आवय-बापायच्या, घरच्यांच्या काळजांत एक व्हडलो घाय करून वतात. केन्नाच पेखना असलो. आपल्याक गाडी चलोवपाचो परवानो मेळ्ळो म्हणटकच आपल्याक रस्त्याचेर कशीय गाडी चलोवपाचो अधिकार आसा ह्या भ्रमांत तरनाट्यांनी रावपाक जायना. लोकांच्या सुखा खातीर हो रस्तो आसा. आपल्याबरोबर दुसऱ्यांकूय मागार्र गाडी चलोवपाचो अधिकार आसा ह्या मुल्याची तांकां जाणीव आसपाक जाय. आपलो आवय-बापूय जशी आमची वाट पळयता तशी दुसऱ्यांचीय, तांचे आवय-बापूय वाट पळयतात ही तळमळ आसपाक जाय.

भोवमानेस्त गुरूनाथ केळेकार मार्ग अभियाना सकयल खूब कार्यावळी घडोवन हाडटात. ते मार्गाचो मोग करपाक सांगतात. मार्गान आमची जीण कशी सुखी केल्या त्या खातीर वाहन चलयतना आमी ताचो मान राखपाक जाय हें पटोवन दितात. हें सांगतना गांधीजींच्या विचारांची देख दिवन तांचीं भुल्यां तांचे जिणेंत बिंबवपाचो यत्न करतात.

आमी आमचे जिणेकडें गंभीरपणान पळोवपाक जाय. ह्या सोबीत जिणेचो मोग करपाक जाय. ह्याच दृश्टीकोनांतल्यान दुसऱ्यांचे जिणेकडें लेगीत पळोवपाक जाय. नेमाक पाळो दिवप, गाडी चलयतना वेगाचेर नियंत्रण दवरून मोबायलाचो चलयतना वापर केलो ना जाल्यार खूबशे अपघात टाळप तरनाट्यांक सहज शक्य आसा. फक्त ताका समाजा बद्दल तळमळ, मोग आनी आंगांत मनीसपण आसपाक जाय.

■

– **कुसुम अग्रवाल**, शिवोले – गोंय.मो. : ९८६०२०७९७६

ASSURE your CAREER with...

RAJHAUNS

GCET PREPARATORY SERIES 2014

NOW ON STANDS

• PHYSICS • CHEMISTRY
• BIOLOGY • MATHEMATICS

• DTE guidelines followed
• All India appropriate CET MCQs included.
• Helps prepare well for the exam
• Sets for unlimited practice
• Dispels exam fear • 8th consecutive year

राजहंस

Publisher :
RAJHAUNS VITARAN
1-Meenakshi Bldg., Dr. Wolfango da Silva Marg, Panaji 403 001
Ph. : 2220320 / 2232177 E-mail rajhaunsvitaran@dataone.in
www.rajhauns.com | www.facebook.com/rajhauns

देवाली शिक्षा

- संदेश श्रीकांत बांदेकार

आनी कांय क्षणांत बेंगलुरच्यान आयिलें परिक्षे स्कॉड त्या वर्गांत भितर सरलें आनी सगळे पोरांक तपासू लागलें. जेन्ना सुरेशाकडें पावनाका तो कडकडूं लागलो. तेगेल स्विशांत हात घातल्यार हीऽऽ कॉपी मेळली. तेन्नाचे तेन्ना तेका शेरो बरोवन तीन वर्सां स्वातीर परिक्षेंतल्यान डिबार केले.

मॅट्रीक परिक्षा सुरू जावन साबार दीस जाल नाशिले आनी तेतूत भर म्हण कारवार वाठारांत जायते विशय जाल्ले कारणान परिक्षा मारुतील्या शेपडे म्हणकी लाबतें आशिली आनी तेतूत बीयातणी परब काल पयर जाल्ली. देवळांत पंचाग वाचील तेन्ना ह्या वर्सा पावस बेग्गी आसा म्हण सांगिलें म्हण शेतकार लोक बेगबेगी शेताकामा लागिले. आनी शेतांत बीं घालचें काम नेटान चलिलें. शेता माती रेंवट जाल्ले कारणान जास्तीत जास्त लोक चोम्बे घालताले आनी शिट्या जमनीर मागीर पावस पडले नंतर रोव मारताले. गडावयल्या ह्या ल्हान गांवांत आतां शांतु सावकारालें शेत सोडल्यार जास्त शेत कोणाल नाशिलें. कारण रस्त्यादेगेचीं शेतां लोकांन विकून उडयलीं.

शांतु सावकारालीं शेतां मायनोळ, कीळगें धन्न मळार काकरा तळ्यापर्यन्त आशिलीं. जगावाड्यावयलो निळो शांतु सावकारागेर आळ म्हण काम करतालो. शांतु सावकाराक ह्या वर्सा कितं जाल्लें कोणा खबर कारण इतल्या सगळ्या वाठारांत शेत आशील कारणान त्या-त्या वाठारांत रावतल्या आळाक तेमक-तेमका लागी आशिल्या वाठारांत काम नेमून दितालो. तरी ह्या वर्सा निळ्याक थंय पैस कोळग्यावाटेन आशिल्या शेतांत काम नेमून दिल्लें. निळ्याक हे कोळगे जमावाड्यावयल्यान खूब पैस जातालें. पयलीं दसऱ्या शिटो आनी काजुवाड्यावयल्यान पांयवाट आशिली ती खूब लागीं जाताली. तरी आतां वाटेवयलीं शेतां लोकान विकून खायले कारणान गांवांतल्यो पांयवाटो बंद जाल्यो आनी लोक रस्त्याचो उपेग करू लागिलो. आतां फकत त्या रस्त्यान किंवा बस्सार कोळग्यान वचूं येतालें. पूण ह्या पाडेगांवांत वेळार बस्स खंय आसात? पयलीं तासा लेकान बस्स आनी कारवारच्यान बस येनाका आनी कोळग्या वटेन वचनाका.

शांतु सावकारालो चलो सुरेश आनी निळ्याल चलो दिनेश दोगी जाण एकाच वर्गांत शिवाजी हायस्कुलांत शिकताले. तेम दोगी जाण ह्या वर्सा मॅट्रीक परिक्षे बशिले. निळ्याक आपले म्हातारे आवय बापूय धन्न वट्ट आठ जाणालो संसारा गाडो ओडचो पडतालो. तरी आवय-बापाय बरा वेळ मेळत तसो दिनेश सुध्दां तेमचे बरा कामा वयतालो. आत आनी मॅट्रीके अभ्यास तरी तो सांभाळन्न घेवन आवय-बापाय संवसाराक हातभार लायतालो. पूण ह्या कामा वज्यान केन्नात शाळा मातबुडयल ना आनी केन्नात पयलो नंबर सोडल ना. तश कन्न घेवन सगळे बाई-मास्तर तेका जास्त बरें करताले आनी मॅट्रीक परिक्षेंत शाळे नांव वयर काडतल म्हण सगळ्यांक अभिमान आशिलो.

ह्या वर्सा गांवच्या सरपंचान फर्मान काडील की जो मॅट्रीके परिक्षेंत शाळेंत पयलो येता त्या पोराक आपूण मुकार पांच वर्सां शिकयतल म्हण. आनी हें फर्मान शांतु सावकाराल्या चल्याक म्हणलार सुरेशाक खंय तरी अुस्तुऱ्या गेल्लें. कारण आनी कोण न्ही तर दिनेश पास जावन मुक्काली पांच वर्सां आरामात शिकतल म्हण. सुरेशाक दिसतालें आळाल्या पोरान केन्ना बी आळा भाशेन रावु जाय. न्ही सावकार म्हण.

जश-जशी परिक्षा लागीं येताली तश-तशें सुरेशाल जीव मात वयर सकल जातालो. कश कन्न तरी दिनेशाक परिक्षे पेपर दिवु मेळनयो म्हण मनांत विचार करतालो. आनी ह्या भानगेडे लागून आपूण बी अभ्यास करु पावल ना. शांता सावकारान निळ्याक ह्या वर्सा मायनोळा कडलें शेत काडन्न घेवन थंय रेल्वे स्टेशनाकडे कोळग्या लागसार शेत दिल्लें. हेक कारण सुरेश. बापायक बरें फुसलोवन हें काम तेण कन्न घेतिलें. कारण जगावाड्याच्या त्या तोका वयल्यान ह्या कोळग्या टोकाक तेमकां शेतांत वच्चें पडतालें. कारण दनपार आनी सांजेर दिनेश चमकते आवय-बापायक मदत करूंक शेतांत वयतालो. थंय वचू येवुकूत तास अर्धतास चमकोवूक फुकट वयतालो. तरी शाळा अभ्यास सांभाळन्न घेवन तो आवय-बापायक मदत करतालो.

मॅट्रीके अखेरचो पेपर आनी आठ दिसांत आशिलो आनी दिनेशाले पेपर कश गेला काय म्हण सुरेश भायले भायल्यान चवकशी करते रावतालो. सगळे पोरान सांगनाका तेगेल पेपर बरे गेला म्हण तेज्यान आनी रावू जाल ना. कितं करु कितं नाक अश जालें. ह्या दिसान न्हींद खंयी जेवण सुध्दा सारके चलनाशिलें. केन्ना तरी एक संद येता आनी त्या दिनेशाक परिक्षे वचपी बंद करता अश तेक जाल्लें. ती संद एक दीस चलून येयली. शांता सावकार कांय काम निमीत्यान गोंय गेल्लो. ह्याच दिसा सुरेशाल आवयक सांजे मायत्याक आराम ना जालें. तेन्ना तेणें निळ्याक आनी तेगेल बायलेक आपोक धाडन्न घेवन तेमका आपल्याल आवय बरा डॉकटराकडें धाडन्न दिले.

सदा म्हणकीच देसाय मास्तरागेरच्यान दिनेश थेट चमकते कोळग्या आवय-बापूय

आशिलकडे शेतांत वच्या गेलो. थंय गेल नंतर कळ्ळें की सावकान्नी बरा तेमी दोगीजाण कारवार आस्पत्रेंत गेलात म्हण. तरी थंय शेतांत आशिल्या बाकी आळा बरा तो कामा लागलो. आळा आपले काम जाल बरा घर वचू फाफसली. दिनेशाक दिसलें आई-बाबा ना तेन्ना आनी थोडे वेळ थांबून पुराय काम कन्न गेलार बरें. कारण फालें जरा काम हगुर जातलें. आनी सात साडेसात पर्यांत रेल्वे येता. थोडीं वळखी पोरां गोंयांत कामा वेतात तीं मेळटलीं आनी तेंचे बरा गाडयेर आरामात घर पावतलों म्हण मनांत विचार केलो. आनी हें मनांत घेवन तेणें परत कामा सुरुवात केली. तरी स साडे स जात म्हणल्यार काळोख पडच्या लागलो. आनी त्या झिळमिळ काळखात नदरे नदर मेळना जाली. तेन्ना दिनेश घरा वाट चमकू लागलो. कारण रेल्वे येवंक तडव आशिली.

दिनेश चमकते त्या म्हारींगीणील्या देवळाकडे पावला मात फाटल्यान कोणें तरी मारिल्याचो भास जालो तितलेंच तेका खबर आशिलें. आनी जेन्ना तेका जाग येयली तेन्ना आपूण घर हातुळ्ळणार आसां. तेका कितें जाल तें खबर ना आनी उजवो हात तर बिलकूल उठोंक जायना. दिनेशा कळ्ळें आपल्याक दुसरे कोणे न्ही तर सुरेशानच आपल्याक मारला म्हण. पूण साक्षी कोण आस देवा शिवाय? परिक्षेक तर फकत चार दीस उरलात. आनी तो बी अखेरचो पेपर. आतां आनी आपल्याल धडगत ना. मुकार आनी आपल्याल नशिबांत शिक्षण ना म्हण मनांत खूब बेजार कन्न घेयलो. पूण खरो धीर दिल तो देसाय मास्तरान. फक्त तेका इतलेंच सांगलें की पेपरा दिसाक शाळेंत येयनास्तना रावनाका हा म्हण. मुकार आपूण सगळें पळोवन घेतां अशें म्हटलें खरें पूण दिनेशाक कांय आश दिसल ना.

शेवटाक पेपरा दीस येयलो. देसाय मास्तराक मान दिवं जाय म्हण तो शाळेंत गेलो. वाटेर सुरेश मेळिलो बरो खुश दिसतालो. तोंडार तरी दुःख दाखयतालो तरी मनांत हो आनी हांगा कित्याक मरु येयला काय? म्हण विचार करतालो. शाळेंत देसाय मास्तर दिनेशाली वाट पळयते आशिलो. कारण शाळेंत कारवारच्यान बी. ई. ओ. सायब येयील आशिलो. तेन्ना शाळे हेडमास्तरान आनी देसाय मास्तरान विनंती कन्न आपल्याल चल्याक दिनेशालो अखेरचो पेपर बरोवंक दिवची विनंती केली. त्या सायबान व्होड मनान अनुमती दिली. तरी पयल्यात तजवीज म्हण देसाय मास्तरान आपले चल्याक गोंयच्यान आपोवन घेतिलो म्हणत म्हणलार ही खबर पुराय शाळेंत कळ्ळी आनी ही बातमी सुरेशाल कानार पडूं वेळ लागल ना. आनी आपल्याल बोडार कोणें थंड कारांव उदा रकयलें अशें तेक जालें. दिनेश कांय परिक्ष बसना आनी आपूण पास जातलों आनी बाकी श्रीमंत पोरा म्हणकी आपूण बी मजा करतलों म्हण व्होड-व्होड सपनां पळयल्लीं. हो सपनाचो फुगो सूय लागचे पयलीं फुटून गेल्लो.

पेपर सुरू जालो. खास बी. ई. ओ. सायब वर्गांत येवन सांगून गेल की त्या पोरालो हात बरं ना आनी एक वर्स फुकट वचनयी म्हण हांवें तेजबरा ह्या पोराक तेगेल पेपर बरोवक अनुमती दिला. कोणालें कसलें म्हण्णें आसल्यार आपल्याक सांगचें. कोण काय उलयल ना. तेन्ना सायब कारवार वच्या गेले. आनी कांय क्षणांत बेंगळुरच्यान आयिलें परिक्षे स्कॉड त्या वर्गांत भितर सरलें आनी सगळे पोरांक तपासू लागलें. जेन्ना सुरेशाकडें पावनाका तो कडकडूं लागलो. तेगेल खिशांत हात घातल्यार हीऽऽ कॉपी मेळ्ळी. तेन्नाचे तेन्ना तेका शेरो बरोवन तीन वर्सां खातीर परिक्षेंतल्यान डिबार केले. सुरेशाक खूब वायट दिसलें. आपूण दुसऱ्याल वायट करूं गेल्लों थंय आपल्याक देवान ही शिक्षा दिली. मनांत एक तेणें तेन्नाच निर्णय घेतलो की हेजे मुकार अत्तपर दुसऱ्याल वायट करचें ना.

■

– संदेश श्रीकांत बांदेकार
काजुवाडो – सदाशिवगड,
कारवार. मो. : ०९४८०७९०१७२

रुचीक आनी पथीक
नोवा काजुबियो
गोंयांत सगळ्याक मेळटात
निर्मुपी :
रामकृष्णा कॅश्यू वर्क्स्
साखळी - गोंय.

एक बातमी

- विन्सी क्वाद्रुस

ती खबर वाचून लोक अजाप जाले. कित्याक ते खबरेंत गोंयच्या एका मंत्र्याचें नांव आसलें. हें वाचून मंत्र्याचे मनीस चाळवले, आनी सुंदराच्या घराचेर मोर्चा घेवन गेले. घरा भुरवार शवून बोवाळ मारलो, घराचेर फातर शेंवटिले. पूण सुंदर तांच्या हाताक सांपडलो ना. कितले लोक अंकाच्यो प्रती सोदूंक लागले. पूण थोड्यांकूच त्यो मेळ्ळ्यो.

जयेश, जॅमिटो आनी सुंदर आपल्या इश्टाच्या भांगरा उत्सवी जल्मदिसाची पार्टी सोपोवन गाडयेन घरा परतताले. रातचीं इकरा वरां जावंक नासलीं. गजाली मारीत येतां येतां गाडी चलोवपी जयेशान एका रेस्टॉरन्टाक पळोवन सवका केली आनी ते वटेन घुंवडायली.

''कितें तरी खावूंया, पोटाचें बरें जावंक ना अशें.'' जयेशान म्हणलें.

''हय खरेंच.'' दार उगडीत सुंदरान ताका सांगात दिलो.

''म्हाका जाल्यार एक बीयर लागतली आनीक, जाल्यारूच हांव देंवतां.'' जॅमिटोन सांगलें.

''तुका बीयर दिवन आमी तुज्या तोंडाक पळेतले व्हय?'' जयेशान ताका उमेद दिली आनी आपूणय गाडयेंतल्यान देंवलो.

थोड्या वेळार ते तिगूय रेस्टॉरन्टाच्या मेजा भोंवतणी आसले आनी तांचे मुखार बीयरीचे ग्लास आसले. जॅमिटोची नदर मेजार आशिल्ल्या दिसाळ्या वेल्या फोटवाचेर गेली. ताणें तें दिसाळें काडलें आनी वाचूंक लागलो.

''एक बातमी... मनशाचें जिवीतूच म्हणल्यार एक बातमी जाल्या.'' ताका एक प्रकारची तिडक आयली. ''आज पार्टी चलतना अशेंच घडटालें. एका राष्ट्रीय दिसाळ्याचो एक जेश्ट पत्रकार एका चेडवाक घेवन नाचतालो. नाचतां नाचतां ओगीच तो ताका त्रास करतालो. तुमी त्या वेळार भायल्यान पासय काडटाले. कोणूच ताका विरोध करूंक शकलो ना. कित्याक तो एका राष्ट्रीय पक्षाचो लागींचो मनीस आसलो. ताचो हुद्दो ताचें बळ आसलें. कशें तरी तें ताच्या हातांतल्यान सुटलें आनी बाबडें आंग चोरीत खंयच्यान तरी धांवलें, तें मागीर दिसलेंच ना. फाल्यां हीच आनीक एक बातमी जायना जाल्यार पुरो.'' जॅमिटोन पार्टेंतली एक दुखदिणी गजाल सांगली.

''आरे! ही ताची न्हय, तर पत्रकाराचीच बातमी जाली मरे!'' सुंदर व्हडल्यान हांसलो. सुंदर एक स्तंभ लेखक आसलो.

''जाल्यार ताचेर एक लेख बरोवन पत्रकाराचें भांडें फोडून उडय मरे.'' जयेशान म्हणलें.

''पत्रकारा विरुद्ध बरोवप इतलें सोपें आसना. तातुंतल्या तातूंत तो राजकी आसऱ्या खाल आसा. बरोवप्याक स्वताच्या जिवाचो धोको आसता.'' सुंदरान अडचण सांगली.

''आमी ह्या समाजांत जियेतना मनीसकुळा खातीर आमचें कितें तरी कर्तव्य थारता. समाजांत जेन्ना नाका जाल्ली गजाल घडटा. तेन्ना आमी ताचेर आडनदर करूंक फावना. आतां हे चलयेचीच गजाल घेवया, तें कोणाची तरी भयण आसतली, घडये तुजीच भयण आसतली. चेडवांचेर, बायलांचेर जे अत्याचार जातात, लैंगीक छळ जातात, ते वाडतूच आसात. हाका मुखेल कारण आमचें ओगेपण. हें ओगेपण आमचे असले मनीस तोडीनांत जाल्यार आनीक कोण तोडटलो?'' जॅमिटोन प्रस्न केलो.

''हूं...'' जयेशान विचार केल्ल्या सारको केलें. ''कितें करूंक जाता आमच्यान?'' ताका दिसलें कितें तरी करूंक जाय म्हण.

''जायते दीस जाले म्हज्या मनांत एक विचार शिजतालो. तुमी सांगात दितात जाल्यार आमच्यान जायतें कितें करूंक जाता.'' सुंदरान विचाराक धार हाडली.

''डन (जालें)'' जयेश आनी जॅमिटो आपले हात मुखार केले. तांचेर सुंदरान आपल हात दवरलो.

''आमी एक नेमाळें काडुया.'' फाटल फुडलो विचार करिनासतना सुंदरान सांगलें. आयकूंकच उरले. ''जयेश, तूं एके कंपनींत नोकरी करता. तुज्या मालकाक पत्रकारीतेचें खूब मोग आसा. एका सुवाळ्याक उलयतन ताणें म्हणिल्लें कोणें तरी बऱ्या मनशान नेमावें बी काडल्यार आपूण आधार करूंक तयार आस म्हण. ताच्या दारार मारपाचो वेळ आयला. ह्या नेमाळ्याची आर्थीक जबाबदारी ताणें घेतली जाल्यार भायलें काम आमच्यान सांबाळूं येता जॅमिटोकूय पत्रकारिता आनी डी. टी. पी.चें ज्ञान आसा.'' सुंदरान एक मांडावळ सांगली.

ह्या विशयाक धरून तांचे मदीं बरीच भासाभास जाली. एके बातमीन तांच्यांत नवें जोश हाडिल्लो. थोड्या वेळान रेस्टॉरन्ट बंद करपाचो वेळ जाल्ल्यान तांकां बेगी-बेगीन खावन पियेवन भायर सरचें पडलें. एक नवो विचार आनी केन्नाच मनांत येवंक नाशिल्ली भावना तांच्यांत निर्माण जाली. आपआपल्या घरा सुटचे पयलीं ताणीं निर्णय घेतलो. 'जर तर जयेशाचो मालक नेमाळ्याची गजाल मनान घेवपाक तयार ना जाल्यार, आपणेंच उपाय सोदून काडपाचो आनी पयलीं कव्हर खबर छापपाची ती त्या पत्रकाराची.'

दुसऱ्या दिसाक तिगूय वचून जयेशाचो मालक गोमसाक मेळ्ळे. ताणीं ताचे मुखार

एक विचारपुर्वक प्रस्ताव दवरलो. गोम्सान ह्या तिगांचें आयकून घेतलें आनी आखरेक एक म्हयनाळें काडपाचें थारलें. भासाभास करून म्हयनाळ्याक नांव दवरलें 'जागृताय'. सुर्वेक एक हजार प्रती काडपाक छापणावळीचो जो खर्च जाता तो दिवपाक गोम्स तयार जालो. तिगूय खुशाल जाले. थंयच सुंदर संपादक, जॅमिटो डी. टी. पी. इनचार्ज आनी जयेश गोम्सा वतीन आर्थीक बाजू पळेतलो म्हण मानून घेतलें. गरज तेन्ना आपले कचेरेचो वापर करूंक तांकां परवानगी दिली म्हण म्हयनाळ्याचे कचेरेचो पत्तो थंयचोच दिलो. मागीर गोम्सान तांचे खातीर आपलो एक ब्लॉक खाली करून घेतलो आनी ल्हानशें ऑफीस करूंक तांकां सवलती उपलब्द करून दिल्यो. थोड्या दिसां भितर 'जागृताय' म्हयनाळ्यान रूप घेतलें.

नवी उमेद आनी उत्साहान सुंदरान म्हयनाळ्याचो ताबो घेतलो. समाजांत जागृताय हाडपा खातीर 'जागृताय' म्हयनाळ्या वरवीं पावल मारलें. ताणें राजकी मळावेली एक बातमी मेळयली आनी तिका पत्रकारितेचो रंग भरलो. मंत्री, संत्री आसात तांचीं मतां घेतलीं आनी हीच कव्हर काणी करून गोम्स आनी हेरां मदीं भासाभास केली. सुंदरान अपल्या वळखिच्या बरोवप्यां कडल्यान आनीक थोडें साहित्य हाडलें. जॅमिटोन तें बरे भशेन मांडलें आनी 'जोगृताय' म्हयनाळ्याचो पयलो अंक भायर सरलो. तो पयलोच आशिल्ल्यान मात्सो बारीक आशिल्लो पूण तातुंतली कव्हर काणी पेजाद जाल्ली. ती वाचून आरत्यो परत्यो प्रतिक्रिया आयल्यो. एकल्यान म्हणलें 'मंत्र्याकडल्यान बरें जडयलां दिसता' थोड्यांनी तांचीं फकांडां केलीं. आनीक एकल्यान म्हणलें, ''अशेच तरेन हाणीं काम केल्यार खरेंच लोकांमदीं जागृताय निर्माण जातली आनी लोकांकय आपले हक्क कळपाक लागतले.''

पयल्याच अंकाची मांडावळ आनी हेतू पळेवन लोकांमदीं म्हयनाळ्याविशीं उमळशीक वाडली आनी थोड्याच दिसां भितर तांच्यो प्रती सोंपल्यो. दुसऱ्या म्हयन्यांत ताणीं कुटूंबाचेर भर दिलो आनी वेगळे तरेचें गिरायक सोदून काडलें.

अशे करून चार म्हयन्या उपरात सुदराक आनीक एक बरी काणी करपाची संद मेळ्ळी.

एके खाजगी कार्यावळीक कारवार गेल्लो आसतना, ताच्या कानार एक खबर आयली. गोंय शिमेचेर एका जाण्ट्या मनशाचो खून जाल्लो आनी खुनी कोण तें कोणाकूच खबर नासली. खून गोंय वाठारांत जाल्लो आनी तो मनीस कारवारांत रावपी आसलो. जोळोव हाडूंक गेल्ल्या बायलांक दोन दिसांनी त्या दादल्याचें मडें दिशिल्लें आनी ताणींच ताका वळखल्लो. गोंयांत आयल्या उपरांतूय गोंयच्या पत्रांचेर सुंदरान ती बातमी वाचिल्ली. पूण खून कसो जालो आनी कित्याक हाचेर कोणेंच उजवाड घालो ना.

ह्या खुनाचेर अभ्यास करून फुडल्या अंकाची कव्हर काणी करूंक सुंदरान जागृताय मंडळाची परवानगी घेतली आनी तो कारवाराक गेलो. लोकांक मेळळो. थंयच्या पुलिसांक मेळ्ळो. त्या खुना विशीं खोलायेन म्हायती मेळयली आनी खास खबर म्हुण अंकाचेर छापून हाडली. ती खबर वाचून लोक अजाप जाले. कित्याक ते खबरेंत गोंयच्या एका मंत्र्याचें नांव आसलें. हें वाचून मंत्र्याचे मनीस चाळवले, आनी सुंदराच्या घराचेर मोर्चा घेवन गेले. घरा मुखार रावून बोवाळ मारलो, घराचेर फातर शेंवटिले. पूण सुंदर तांच्या हाताक सांपडलो ना. कितले लोक अंकाच्यो प्रती सोदूंक लागले. पूण थोड्यांकूच त्यो मेळ्ळ्यो. ह्या अंकावेली खबर दिसाळ्यांनी छापली आनी सरकाराचेर ताण आयलो. लोक आनीक चाळवले. एके बातमीचो सरकाराचेर परिणाम जालो हेंच जागृताय म्हयनाळ्याचें व्हडलें जैत आसलें.

अशे तरेन रुचीक आनी मन ओडण्यो बातमी छापून, दोन वर्सां भितर 'जागृताय'चें नांव राष्ट्रीय पावंड्यार गाजूंक लागलें. तें लौकीक जालें. ताचो खप वाडलो. तेन्ना गोम्सान ह्या तिगांची एक बसका घेतली आनी म्हयनाळ्याचें सातोळ्यांत रुपांतर केलें. 'जागृताय' सातोळ्याक स्वताचो छापखानो घालून दिलो आनी स्वतंत्र काम करूंक तांकां परवानगी दिली. नवी जबाबदारी स्वीकारून ताणीं नवे मनीस भरती करून घेतले. दोग जण स्थानीक पावंड्यार वावरूंक बातमीदार घेतले. एकलो जॅरमी आनी दुसरें सोबीत चेडूं मिशेल. राष्ट्रीय बातम्यां खातीर खालीद नांवाच्या एका ज्येश्ट पत्रकाराक घेतलो. ऑफीसाचें काम सांबाळूंक आनीक कामदार दवरले. आतां जागृताय एके कंपनी भशेन चलूंक लागलें. जयेश, जॅमिटो आनी सुंदर जीव ओतून आपली जबाबदारी पाळटाले.

अशीच, मुखावेल्या अंकाची तयारी करतना सुंदरान दिल्लीच्या बलात्कार आनी खुनाची गजाल मुखार हाडली. हे भासाभाशेंत सगल्यांनी वांटो घेतलो. खालीदान सॅक्साचेर आपले अणभव सांगले. कांय कडेन मिशेलान ताका विरोध दाखयलो, पूण ताणें मानून घेतलें ना. जेरेमी मदीं मदीं आपले विचार मांडटालो, जाल्यार

सुंदर संपादकाचे नदरेन उलयतालो. जॅमिटो आनी जयेश तांच्यो गजाली आयकताले. लैंगीक आनी चेडवां-बायलांचेर चर्चा उंचायेर पाविल्ली आसतना एका गांवांत एका चेडवाचो खून जाला म्हण बातमी ऑफिसांत पावली. खोलायेन चौकशी करून सारकी खबर हाडपाची जबाबदारी जेरेमीन घेतली. आपले नदरेंतल्यान बातमी तयार करूंक कितें कितें जाय हें सुंदर ताका समजावंक लागलो.

''त्या चेडवाची फाटभूंय खबर काड... कोण मोगी बी आशिल्लो जाल्यार विचारपूस कर... हें बलात्काराचें प्रकरण आसूंक शकता. आतांच्या चेडवांचें न्हेसण...'' ताची नदर स्लीवलॅस ब्लावज घाल्ल्या मिशेलाचेर गेली. ''तुका लागून म्हणिना मिशेल, बट, इट्स ए फॅक्ट. श्यूर, ताचेर बलात्कार जाला आसूंक जाय आनी तातुंतल्यान खून. कितेंय आसूं, सारकी चौकशी कर आनी म्हाका अहवाल दी.'' सुंदरान सांगलें. खालीद हांसलो आनी मिशेलाक विचारूंक लागलो.

''असले ड्रॅस घालून कोणूय चेडूं बाजारांत दिसलें जाल्यार कोणूय चेडो पिसो जावंचो ना?'' ताचो प्रस्न आयकून मिशेल हांसलें.

''कोण एका चेड्या बदला तूं आशिल्लो जाल्यार असलीं पिशेपणां करतलो आसलो?'' मिशेलान ताका परतो प्रस्न केलो.

''म्होंव व्हांवतना वाटसूर तें चाकूंक सोदिना जाल्यार तो खरेंच पिसो थारतलो.'' खालीदान नाटका सारकें भाश्य केलें.

''अशें कितलें म्होंव चाकलां तुवें?'' मिशेलूय उलोवंक बरेंच हुशार आसलें. पत्रकार न्हय एक?

''आदीं नोकरी करतालों त्या दिसाळ्यांत तुजे भशेनूच एक सोबीत चेडूं आसलें. तें म्हज्या मोगान पडूंक सोदी पूण हांव ताच्या जाळांत पडलों ना, पूण म्हाका ताणें जायतें सूख दिलें. आनीक एकलें अशेंच म्हज्या आंगार पडूंक लागलें. कितें करतलों? ताकाय खुशाल करूंक जाय आसलें न्हय?'' खालीदान आपलें रामायण सांगलें.

''तुजी शीर बरीच ताण दिसता. तुजे पासून आपली कूड भश्टावन तीं ओगीच रावलीं?''

मिशेलान एक बाण मारलो. खालीद ताका पळेवंकूच उरलो. ''मीस्टर खालीद, चेडवां इतलीं असक्त म्हण समजूं नाका. बाजरांत दिसपी चेडवां वेगळीं आनी अशीं ऑफिसांत दिसपी चेडवां वेगळीं. चत्रायेन राव.'' मिशेल बरेंच कुवाड्यान उलयलें. हेर तांकां पळेताले. देखून खालीदूच उटून भायर गेलो. जेरेमी तर पयलींच गेल्लो त्या खुनाची चौकशी करूंक.

''मिशेल, सांबाळून गो बाय.'' सुंदरान ताका सल्लो दिलो. घडये मिशेलाच्या उतरांतली गंभीरताय ताका समजल्ली. मिशेल हांसलें.

असले बसके उपरांत अधिकृत जेवण आसतालें. तें जातच सगलीं वचूंक गेलीं तेन्ना मिशेलाची पाळत करून आशिल्लो खालीद अकस्मात ताचे गाडये कडें येवन उबो जालो. मिशेल अजाप जालें.

''म्हजे विशीं तूं अशें कित्याक उलयलें? म्हजो कसलो राग आयला तुका?'' खालीदान विचारलें. ताणें ताचेर एक तिरशी नदर मारली.

''चल, एक पासय मारून येवंया, आमची इश्टागतूय वाडटली.'' खालीदान आपलो हात मुखार केलो. नाका आसतना ताचो हात मुखार सरलो. मागीर दोगांय गाडयेंत बसून गेलीं.

''तुका पयलेच फावट असल्या कपड्यांनी पळेलें हांवें आनी ह्याच दिसा सॅक्साचेर विशय मुखार आयलो.'' खालीदान संवाद सुरू केलो.

''मागीर म्हजे कपडे बरे दिसले काय त्या कपड्यांतल्यान दिसपी म्हजें आंग बरें दिसलें? सॅक्साचेर उलोवप आमचें काम. ताचो परिणाम वास्तवीक जिविताचेर जावंक जायना.'' मिशेल फोण्ण मारलें.

''वास्तवाक धरून जियेता तोच मनी यशस्वी जाता. म्हाका पळेना तूं?''

''दोग-चार चेडवां कडें संभोग केलो, ज राजकी मनशां कडें नातें दवरलें, जावं गरिबां फायदो काडलो, जावं आंकवार चेडवां आत्महत्या करूंक प्रवृत्त केलीं, जावं पयशां ढिगारे एकठांय केले, हें यशस्वी जिवीत न्हय तुजे पत्रकारितेच्या जिवितांत तुवें जायत्यो बात तयार केल्यात, पूण तूंच एक दीस बातमी जाव उरतलो, तेन्ना तुका कळटलें यशस्वी जिवी कितें तें.'' मिशेलान बाणार बाण सोडले. खाली ताका परती जाप दिवंक शकलो ना. घड ताका दिसलें आसत मिशेलाक घेवन आपू वोगीच आयलों म्हण. ताणें गाडी एका हॉटेल वटेन घुंवडायली. ''तूं म्हाका खंय व्हरता? मिशेलान विचारलें.

''म्हजो एक वळखिचो इश्ट आसा. ता हें हॉटेल. तुवें म्हजी तकली सामकीच हालोव उडयली. देखून थंय आमी थोडो वेळ पासा करूया आनी रोकडींच परतुया. कितें म्हण तूं?''

''तुकाच पश्चाताप जातलो.''

खालीद हांसलो. ताणें गाडयेची चाव शिपायाकडें दिली आनी तीं हॉटेलांत भितर सरली लिफ्टींत चडलीं. लिफ्ट चौथ्या मजल्यार वतन खालीद मिशेलाक बारीकसाणेन पळेवंक लागलो मिशेल आपल्या विचारांत आसलें.

तीं एका रुमांत भितर सरलीं. खालीद तोंडा उदक मारूंक वॉश-रुमांत गेलो. तेन्ना मिशेलाक एक फोन आयलो. तें कांय उलयलें ना. पूण ताच्या हावभावा वेल्यान दिसतालें कि तरी गंभीर घडलां. ताणें वचपाची तयारी केली खालीद भायर आयलो.

''या न्ही आतां?'' मिशेलान दाराक हात घालो.

''ज्या कामा खातीर आमी आयल्यांत ते काम अर्द्यारूच सोडून या म्हण्टा?'' खालीद गोंदळांत पडलो. ''हांव तुका वचूंक दिवंचो ना. आनी तूं म्हज्या हातांतल्यान सुटचें ना.''

खालीदा भितर आशिल्लो देंवचार जागो जालो. मिशेलान ताचेर एक नदर घाली.

''म्हजे विर्शी तुवें चडूच अपेक्षा बाळगिल्यात. इनफ नाव. यू आर एक बॅड बॉय!'' ताणें दाराक हात घालो. खालीदान ताका ओडून हाडलें. ''पळे, हांव एक पत्रकार. म्हजेर केल्ली जबरदस्ती तुका म्हारग पडटली.'' मिशेलान ताका शिटकावणी दिली.

''तुजे असल्या पत्रकारांक हातळ्ळ्यांत हांवें. म्हजें कोण कांयच वायट करूंक शकना. पुलीस लेगीत.''

''मागीर रिपॅन्ड जातलो.''

''चुडटेच्या सोरपांक भियेना हांव.'' म्हणीत खालीदान मिशेलाक घट्ट धरलें. ताणें हरकत घेतली ना. खालीदान ताच्या वोंठांचेर वोंठ दवरले आनी ल्हवूच वोंठ चिंवले.

थोड्या वेळान मिशेल मान पोंदाक घालून रडटालें. ताच्या हातांत मोबायल आसलो आनी तें मोबायलाचे बटण मारीत आसलें आनी खालीद पयस एका कदेलार बसून जनेलांतल्यान भायर वेगान वचपी गाडयांक पळेतालो. मिशेलाचो फोन वाजलो. ताणें तो घेतलो ना, ना म्हण बंद केलो ना. तीन-चार फावटी वाजलो. खालीदान मुखार सरून फोन पळेलो. फोन सुंदराचो आसलो. ताणेंय तो घेतलो ना. थोड्या वेळान खालीदाचो फोन वाजलो.

''खालीद, बेगीन ऑफीसांत यो. त्या चेडवाचो खून जावंक नासलो, तर ती एक आत्महत्त्या आसली. ताचेर भासाभास करूंक जाय.'' सुंदरान S. O. S. धाडलो. खालीद उठूंक वतालो. मिशेलान ताचो रस्तो आडायलो.

''खालीद, तुजे यशस्वी चालीचो तुका पुरस्कार मेळचो आसा. तुवें कितल्या चेडवां फुड्यांत तोंड काळें केलें आनी सगले पुरावे नश्ट करून उडयले. रातीं खून जाल्ल्या चेडवाची ती खरेंच एक बातमी आसली. खरें म्हणल्यार त्या चेडवाचेर बलात्कार जाल्लो म्हण तिणें आतमहत्या केल्ली. हातूंत तूंय आसा.'' मिशेलान खालीदाचो गूट उक्तो केलो.

''तुका ही खबर कशी कळ्ळी?'' मिशेलाचें वर्तन आयकून अजाप जावन खालीदान विचारलें.

''हांवूय एक पत्रकार. हे पत्रकारितेंत रावून जायतें शिकलां. राकेसाक मारूंक राकेसा सारक्योच गजाली करच्यो पडटात. तुज्या असल्या मनशाक सांपडावपाक म्हाकाच कारस्थान रचचें पडलें, म्हाकाच तुजे स्वादीन करून तुजे विरुध्द पुरावे तयार करचे पडले जे वरवीं तूं आनीक कोणाकूच आपल्या भोगाचो बळी करचो ना.'' मिशेलाचें मिसांव पूर्ण जाल्लें.

'टक्... टक्, टक्...' दारार आवाज जालो. मिशेलान दार उगडलें. दारांत पुलीस इन्सपेक्टर आनी ७-८ पुलीस आसले. जागृताय सातोळ्याक आनीक एक बातमी तयार जाल्ली. ■

– विन्सी क्वाद्रुस

आर्लेम राय, सालसेत-गोंय. मो. : ९८२२५८७४९८

Difficulty Vanishes Here

RAJHAUNS
LANGUAGE
FORMATION SERIES

LET US KNOW OUR
KONKANI & MARATHI FORMATION

1. Let us know Our Alphabet
2. The Build-Up: **Step One**
3. The Build-Up: **Step Two**
4. The Build-Up: **Step Three**
5. The Build-Up: **Step Four**
6. Numbers **1-20**
7. Numbers **1-50**
8. Numbers **1-100**

- Alphabet for practice.
- Single to four lettered words.
- Conjuncts in two to five lettered words.
- Small sentences for drill.
- Reading and writing made easy.
- Numbers to write and read aloud.

राजहंस
RAJHAUNS VITARAN
1-Meenakshi Bldg., Dr. Wolfango da Silva Marg, Panaji 403 001
Ph. : 2220320 / 2232177 | E-mail: rajhaunsvitaran@dataone.in
www.rajhauns.com | www.facebook.com/rajhauns

इंद्रधोणू

चेकमेट

- आशा शानभाग

दीस वताले... म्हयनेय गेले. आतां टिंकु आनी विकास वडा-पावागत एकमेकांमदीं घुरुपल्ले. अचानक एक दीस तो आयलोच ना. विकास ताची वाट पळयत भायर-भितर काडाओडी काडत आशिल्लो. "अगे आज टिंकु आयलोच ना सो? ताचे घरा फोन लावन चवकशी कर गो." विकासान निमणें क्षमाक सांगलें. पदराक हात पुसत क्षमा किचनांतल्यान भायर आयलें.

अर्पितालो तो फोन येतसावन क्षमाचें मन मातूय ताळ्यार नाशिल्लें. केन्ना पोरणें फेरीज ताजें जावन व्हांवतालें. तर मदींच ताचे... आवयचें मन हुळहुळतालें. वयाच्या विशींतच स्वताच्या आयुश्याचो निर्णय स्वता समर्थपणान घेत, हांचो दोगांयचोय विरोध आसतनांय दुसरे जातीच्या अतुला वांगडा आपलें घरदार, जल्मदातीं आवय-बापुय, माया-मोग, मोह-पाश सगळें तोडून-सोडून गेल्ल्या अर्पिताचो उलो फोनांतल्यान आयकून क्षमाचें काळीज कळवळील्लें. आमची याद येवन पोरान फोन केला काय परिस्थितीन ताका त्रास बी दिलो काय? काय कसल्या संकश्टान घेरलां ताका? नाना विचार आनी नाना प्रस्नांनी क्षमाचो घुस्पागोंदोळ वाडतच गेलो.

लाडा-अपुरबायेची, जायनां-जायनां म्हणता आसतना जाल्लें भुरगें म्हणून क्षमा आनी विकासान ताका बिनधासपणान वाडयिल्लें. ना कसलें बंधन वा कसली जापसालदारकी. भुरगेपणासावन स्वतंत्रतायेन जगपाची संद दिल्ल्या अर्पितान अतुलाच्या मोगा मुखार तांकां फोंडांत उडयलीं. ताच्या अशा वचपा उपरांत समाजाचो बहिश्कार, विरोध आनी थोमण्यांचो मारो सहन करत थकून गेल्ल्या क्षमाच्या आयुश्यांत आतां... तें सावरत आसतनांच अर्पिताच्या फोनान धुंवाळ उडयलो. क्षमाचें... आवयचें काळीज दोशीवटेन ओडटालें. तिच्या मनान अर्पिताचें परत येवप स्वीकारलें तरी विकासाचो विचार ताका घपघपो हाडटालो. 'त्या' दिसा सावन विकासान अर्पिता हें उतरच आपल्या आयुश्यांतल्यान वजा केल्लें. क्षमा सामकार विकासाच्या विरोधाचो मोठ्ठो प्रस्न उबो जालो. ताणें तिरमिरींतच येदोळ अर्पितान दिल्ल्या नंबरार फोन केलो.

"हॅलो मम्मी" अर्पिताचो म्होंवो आवाज आयकून क्षमाच्या आंगार कांटो शिरशिरलो. 'बाबा... शाण्या तूं आनी थोडे दीस हांगा येंव नाका. अजून पप्पालागीं कांयच, उलोवं ना हांव. आमचीं उलवणीं जालीं की सांगतां हांव तुका... तूं आयलें अचकीत आनी पप्पा किदेंय भरभरल्यार... नाकाच तें लफडें... तूं राव थोडे दीस...'

"मम्मी उलयल्यार उलोंव गे पप्पा. निमणो म्हजोच पप्पा तो." क्षमाक एकेवटेन धुवेच्या निर्णय क्षमतेचें कवतूक दिसतालें... तरी विकास? ह्या दोगांयच्या आडकित्यामदीं तें बाबडें सुपारी जालें.

"बाबु... थोडे दीस राव. पप्पाकडेन उलयतां मेरेन." धुवेन आनीक उपदेशामृत पाजचे पयलींच ताणें फोन दवरलो.

रिटायर्ड वांगड्या बरोबर सांजवेळ खचु विकास घरा परतल्या बरोबर क्षमान ता सामकार च्याचें कोप दवरलें. "च्या पिव ती म्हज्याच बायलेच्या हातची. फायव्हस्ट हॉटेलांतली पांचशीं रुपयांची च्या लेगीत तुज हाता मुखार किंकोत गो."

"व्हय व्हय तुमकां बायलेची याद येव घरा परततगेरूच. बायल सामकार दिसता तेन्न हेरशी तुमच्या रिटायर्डांच्या घोसाळ्यांत बायले विचारूय येना. तुमी रिटायर्ड म्हणून भायर वच वेळ सारतात. पूण रिटायर्ड बायलेचो वेळ कस सरता काय हाचो मात लेगीत विचार करीन तुमी."

हळव्या मनाच्या क्षमाक म्हऱ्यांत घे विकासान आपली चूक मनोमनीं कबूल केली

"क्षमा... तुका आयजमेरेन हांवें खंयच. किद्याकच आडायलें नां. आतांय तूं लायब्र जॉयन कर. महिला मंडळांत जाय तर वच वा... तुका जाय तें कर. आमचे लागीं पयस भरपूर आसा आनी आमकां एकामेकांशिवा कोण ना. आतां आमी मरता मेरेन मनाक जा तशीं जगुया."

"आयकात... आमचे शेजारचे बिल्डिंगेंत सुमनबाय म्हणटाली की सगल्या रिटाय बायलांनी आनी रिटायर्डांच्या बायलां घरचेघराच पाळणांघरां सुरू करपाचीं. पयश खातीर न्हय. तर नवे पिळगेचेर बरे संस्क घडचे म्हणून."

"हय गो. बरोबर आसा तुमचें म्हणणे शिर्विस करपी आवयांक आपल्या धाकटुल्ल भुरग्यांक भाड्याच्या पाळणांघरांनी सोडचें पडट आमी आपापल्या घरांनी तांकां आजो-आज्जेच मोग दिवुया."

विकासाच्या अशा अनपेक्षीत प्रतिसादा क्षमा खूब सुखावलें. धा-पंदरा दीस सहज गेले

एक दीस सकाळींच विकास बाजारांतल्यान भाजी-नुस्तें घेवन घरा पाविल्लो. दार उगडतल्या क्षमाचे हांडीर बशिल्ली एक सफरचंदी - टॉमेटी पोटली पळोवन तो उडलोच. इतलो गुबगुबीत, तांबडोगुल्ल... दोन-अडेच वर्सांच्या त्या चल्याक पळोवन विकास पिसावलोच. हांतांतल्यो पिशव्यो ताणें थंयच सोडल्यो. ''आगो ही पोटली कोण?''

''हो टिंकु आमच्या पाळणांघरांतलें पार्सल हें.''

''आरेव्वा.'' आनी विकासान ताका आपल्या ताब्यांत घेतलो.

''आंती-आंती... हो तोण?''

''ए आंती-आंकोल ना हांगा... हांव आजो आनी ही आजी. कळळें पोटले?''

दीस वताले... म्हयनेय गेले. आतां टिंकु आनी विकास वडा-पावागत एकमेकांमदीं घुस्पल्ले. अचानक एक दीस तो आयलोच ना. विकास ताची वाट पळयत भायर-भितर काडाओडी काडत आशिल्लो. ''अगे आज टिंकु आयलोच ना सो? ताचे घरा फोन लावन चवकशी कर गो.'' विकासान निमणें क्षमाक सांगलें. पदराक हात पुसत क्षमा किचनांतल्यान भायर आयलें.

''तुमकां सांगपाक विसरलें. कालच टिंकुच्या पप्पान सांगिल्लें की ताची बदली जाल्या दुसऱ्या शारांत. आमची संवय सुटची म्हणुन टिंकुक आतां तीं दुसरेकडेन दवरतलीं थोडे दीस.''

विकासान आपलें खाड-बोड खराखरा खरपिलें आनी फडफडतच तो भायर सरलो. ''बाण सारको लागला.'' म्हणून मुमुरखें हांसत क्षमान फोन फिरयलो.

''बाबु गो, पप्पा मिरमिरत भायर सरला. बाजारांत वतां सांगलां. तूं फुडलो प्लॅन फॉलो कर.'' अर्दवरा भितर विकास किटकिटत आनी बडबडत पर्थून घरा आयलो. क्षमान दार ऊगडल्यार विकास आपले वांगडा टिंकुक घेवन आयला.

''आंवय-आंवय. तुमी टिंकुच्या घरा वचून ताका घेवन आयले?''

क्षमाच्या प्रस्नाची जाप न दितांच तो घरांत घुसलो. इतल्यांत भितल्लो फोन वाजलो.

''टिंकुले मम्मी. हय-हय टिंकु आमगेरच पावला. भिंवु नाकात तुमी. हांगाच येयात.''

''आतां सोदत येयात म्हण तांकां हांगा. म्हजेपासून ताका पयस करतालीं? हो बाजारांत मम्मी-पप्पा वांगडा आयिल्लो. म्हाका पळोवन पळून आयलो... आज्या आज्या करत आनी हांव निट्ट घरा शेंवटलों.'' इतल्यांत घराची बॅल वाजली.

बॅलीचो आवाज आयकून विकास टिंकुक घेवन भितर गेलो.

''आयकलां तुमी. टिंकुले पप्पा-मम्मी आयल्यांत. ताका व्हरपाक. भायर येयात.''

''आमी येनांत भायर.''

विकासाच्या ह्या सुरांत टिंकुलो चोचरो आवाज मिस्तुर जाल्लो. हे जापेचेर हांसत सगळीं भितरल्या बॅडरुमांत गेलीं. तर टिंकुमहाराजान विकासाक घोडो केला आनी दिमयांनी चलपी विकासाचे फाटीर बसून टिंकु गायता. 'चल मेरे घोडे टिक् टिक् टिक्'

दारांतल्यान भितर सरपी क्षमाचेर नदर पडतकीर टिंकु चिवचिवलो.

''आज्ये घोड्याक पुरो जालां... ताका खावंक दी.''

इतल्यांत थकून उदारो पडिल्ल्या विकासाचें लक्ष दारांतल्या टिंकुच्या जल्मदात्यांचेर पडलें. आपली धूव अर्पिता आनी वांगडा ताचो घोव अतुल. सावशिद जाल्ल्या विकासान टिंकुक... अपल्याच रक्ताच्या अंशाक घट्ट वेंगेंत धल्लो.

''घरकान्नी तुजो हो सॉलीड चेकमेट म्हाका आवडलो... किदें टिंकुमहाराज?''

■

- आशा शानभाग
सादोळशें - काणकोण, मो. ९४०४१४५३३७

BROADWAY
BOOK CENTRE
KNOWLDGE IS POWER

Goa's Biggest Book Stores

15% discount for **Bimb** Readers, bring this ad, and avail of discount
PANJIM: Ashirwad, 1st Floor, Nr. Caculo Island, 18th June Road, Panaji, Goa.
Tel. 6647037/ 6647038. **Mob:** 98224988564/9860030339.
Email: bbcbooks@rediffmail.com, fahimbbc@gmail.com
CANDOLIM: Landscape Holiday Unit, Ground flr, near Dr. Dukles Hospital & Research Centre, Aguada Fort road, Candolim, Goa. **Tel.** 9860030339
MARGAO: Paulinoes Building, Ground flr, near Popular High School, Comba, Margao Goa.
Tel. 9860030339

आंकरी

आजून मनीसपण जियेता

- ब्र. जॉन आल्फोन्सो

मायाचे २२वेर २०१० ह्या दिसा मंगळुरच्या बाजपे विमानतळार घडिल्ली दुर्घटना अजून जिवी आसा. १५८ लोकांचे जीव घेवपी दुर्घटना ती. सकाळीं फुडें घडिल्ल्यान थंय कोण नासलो खरो; तरूय शेजारच्या लोकांनी, आनी खेरीत भशेन तरणाट्यांनी, दाखयल्लें धाडस कोणूच विसरूंक शकचो ना. विमान कोसळ्ळें तेन्ना त्या लोकांनी, त्या विमानांत कोण आसलीं ही खबर काडिनासतना, तीं सगळीं मनशां म्हुण, तांच्या आधाराक धांव मारली. आपलो जीव संकशटांत घालून कसलोच, म्हणल्यार जातिचो, कातिचो, धर्माचो भेद-भाव मानिनासतना आपले परीन आधार दिलो. हे दुर्घटने निमतान सोंपलल्यांच्या घरच्यांक भुजवण दिवंक शोकसभा घडोवन हाडल्यो. तेन्ना मंगळुरांत जियेतल्या जेश्ठ नागरिकांनी एकूच उदगार सोडलो आनी तो म्हणल्यार 'आजून मनीसपण जियेता.'

मंगळूर सावन मद्यांत्यार (दोन वरांची वाट) वचूंक हांव बस स्थानाचेर उबो आसलों. कर्नाटक सरकाराच्या सगळ्या बसिंचे तकटे कन्नडांत जाल्ल्यान, म्हाका दुसऱ्यांचो आधार घेवंचो पडलो. थंय एक सुमार तीस वर्सांचे पिरायेचो दादलो पुत्तूर वचूंक बसीक रावतालो. ताका हांवें म्हजी आडखळ इंग्लेज भाशेंत सांगली. हांव तेका अनोळखी आसून सुध्दां तेणें पुत्तूर वचपाची बस सोदली आनी म्हजी बस येता म्हणसर तो थंय रावलो.

पाद्री आबू एसवीडी आपलो अणभव (Divine Inspiration, July2010) असो बरयता. तो ट्रेनीन प्रवाक करतालो. तेणें एक भुरगो ट्रेन नितळ करता आनी पयशे मागता तें पळयलें. तेचें काळीज म्होंवाळ जालें. ताणें हाडिल्लें जेवण ताणीं दोगांयनी वाटून खालें.

आमी सगळीं आधुनीक संवसारांत जियेतात. आमचे मदलीं कांय जाणां तंत्रविद्येच्या युगांत गुल्ल जाल्लीं आसात. तरीय आसतना, खर दुर्घटने वेळार आमचे दोळे उक्ते जातातूच. हें एक सत. असले परिस्थितींत 'आमकां कितें मेळटलें?' हो प्रस्न करूंक वेळ मेळना. थंय आमी आमचें मनीसपण जियेतात. मंगळुराचे दुर्घटने भशेन साबार दुर्घटना आमी पळयतात आनी वाचतात. असल्या वेळार आमच्या तरणाट्यांचो वांटो शिंवाचो जाता. खरें म्हळ्यार, आयज आमच्या चडश्या तरणाट्यांक दुसऱ्यां खातीर वेळ ना. पूण असल्या घडितांनी ताणीं जायतें योगदान दिलां. जायत्यांनी आपलो जीव संकशटांत घालून वांटो घेतला.

वयल्या तिनूय घडितांचेर आमची नदर मारूया. वेग-वेगळीं घडितां तीं, पूण म्हत्वाचो संदेश दितात. दुसऱ्यांक आधार करचे आदीं आमकां कितें मेळटा म्हुण प्रस्न करपी मनशाचे वृत्तीक हीं घडितां आडवाद म्हणचीं पडटात. पयलें घडीत तर आंगार कांटो उबो करता. उजो पेटलेलो आसतना आनी उज्यांत आसात तीं आपलीं न्हय म्हुण जाणां जावन सुध्दां थंय लोकांनी दाखयल्ल्या आधारपणान, मनीसकूळ आनी ताचें मनीसपण अजून अस्थित्वांत आसा म्हुण सिध्द केलें. दुसऱ्या घडितांत त्या दादल्यान आपली बस सोडून म्हजी बस येता म्हणसर रावंची गरज नासली. तो म्हजो आनी हांव ताचो कोणूच न्हय. पूण मनीसपणाचें नातें म्हाका स्पश्ट जालें. तिसऱ्या घडितांत त्या पाद्री भावाचें काळीज चरचुरलें. ल्हान भुरगो आनी ताची परिस्थिती ताका हे दशेर पावयता म्हुण ताणें वळखून घेतलें. त्या भुरग्यान ताचे लागीं जेवण मागूंक नातरी आसतना तो भुरगो देवाची रचना आसून आपलेचपरी मनीस म्हुण थंय मनीसपण जागें जालें.

आमी दुसऱ्यांकडेन कशीं पळयतात तें गरजेचें आसता. खरें म्हळ्यार आमी सगळीं बरीं पूण आमी आपणायलेली वागणूक केन्ना केन्नाय वायट जावंक शकता. आमी खंयचेय परिस्थितींत जियेंव. आमी आपणायलेली वृत्ती आमचें व्यक्तीमत्व थारायता. साबार फावटीं आमी दुसऱ्यांच्यो गरज जाणां जावन पासून दुसऱ्यांच्या गरजांक पावूं अनमनतात. आमचे लागीं जायतीं कारणां आ येतात. थोडीं कारणां आमकां नकळटां आ येतात. जायते फावटी आमची खूब काळाच दुस्मानकाय आमकां दुसऱ्यां लागीं पळेवंक पसू दिनांत. असले परिस्थितींत आदार कसो दि येत? दुसऱ्यांविशीं आमकां आशिल्ली चुकिच आनी वायट म्हायती दुसऱ्यांक आदार दिन जावंक बळ करता. मनशाची वागणूक वाय जाल्यार पासून आमी तशेच वागचे म्हुण कोण सांगलां? 'आपूण आपणांक आनी दे समेस्तांक' ही वृत्ती आमकां आसल्यार आडख जाता. कांय फावटीं आमचो अहंकार, आमचे मनीसपण फोडून उडयता. दुसरे वटेन आमी आपणायल्लेली जाणविकाय, आमी उलयल्ली काळजाची भास आनी फावो तसली वृत्ती मनीसपण जियेवंक आधाराची जाता.

नामनेचे अभ्यासक नॉर्मन विन्सेंट पेअल म्हणटात, जायते मनीस जेवणा खाणांक लागून आपली भलायकी इबाडून घेनांत. पूण भितरल्यान तांकां जें कितें खाता तेंच तांची भलायकी इबाडूंक आधार जाता. आमची भलायकी सांबाळपाची तशेंच नाश करपाची तांक आमच्या भावनांक आसा. आमच्या मनाची बदलणी जाली जाल्यार जिणेची बदलणी जात अशें जाणकारांचें मत. मन बदलणी करून आपूण जावन दुसऱ्यांचे गरजेक पावल्यार आमी मारिल्ले पावल ह्या आधुनिक काळार खूब म्हत्वाचें दिसना तुमकां?

- जॉन एम्. आल्फोन्सो कार्मेलीत,
म्हापशें-गोंय. मो. ९०९६६४७३४

Keep Goa Clean

You can help the authorities in safe disposal of "Household/Municipal" Solid Waste as under:

1) Do not litter.
2) Avoid the use of plastic bags.
3) Collect household "wet" waste (biodegradable 'kitchen/garden' waste) and 'dry' waste (non-biodegradable) in separate containers.
4) Use 'wet" waste for conversion into manure in your 'backgarden'.
5) Dispose off 'PET' bottles, plastic bags, glass bottles, metals and paper through PET collection centers and scrap dealers.
6) Dispose off remaining "wet" and "dry" waste separately through the Municipal/Panchayat authorities

Please Note
"Municipal/Household" solid waste increases with the increase in our standard of living. It is mandatory under the law of each "Municipal/Village Panchayat" to collect, treat and dispose off "Municipal/Household" Solid Waste in a safe and sanitary manner.

Issued in Public Interest by

Department of Science, Technology & Environment

Government of Goa

Saligao, Goa

GO GOA
A perfect holiday destination
GOA TOURISM
Incredible India
Goa Carnaval
Food & Cultural Festival 2014
POWERED BY
!dea
Today's
Headlining Act
Agnee
Get set to

Goa's Biggest Food and Cultural Festival begins today!

FREE ENTRY

Inauguration Today at the hands of

Shri. Manohar Parrikar
Hon. Chief Minister of Goa

Shri. Dilip Parulekar
Hon. Minister for Tourism, Women & Child Development

Shri. Surendra Furtado
Mayor - Corporation of the City of Panaji

Shri. Nilesh Cabral
Chairman - GTDC

Shri. B. Vijayan IAS
Chief Secretary - Govt. of Goa

Shri. R.K. Srivastava IAS
Principal Secretary - Tourism

28th February to 4th March 2014 • Venue : Merces Grounds, Panaji - Old Goa Bypass Road

Today's Schedule

6.15 - 6.45 pm	Inauguration Programme
6.45 - 7.15 pm	Dance Acrobats Darryl and Raquel
7.15 - 8.30 pm	Live Band - Varun & The 2 Timers
8.30 pm onwards	Headlining Act - Agnee

Celebrate Happiness

www.facebook.com/officialgoatourism www.twitter.com/TourismGoa

Partners

Mercedes-Benz

Magsons

Coastal Honda

Riot

Men will be men

The Crown

Medical Partner
VISHWA SANJEEVANI

Hotel Fidalgo

Route Map

Movie Partner youngistaan

मार्च २०१४ / ४१

OONA
Home style
Merces
Panjim
Mapusa
Calangute
Sofa
Bathroom Accessories
Candle Holders
Vase
Cushion Covers
Storage Jars
Wooden Trays &
Cutlery Holder
END OF SEASON
SALE
UPTO 50%* OFF
*Conditions Apply. Offer on selected stocks.
CMM ARENA
MEGASTORE MERCES
Store Timings: 10:00am - 8:00pm
Sunday : 11:00am - 6:00pm
HOME FURNITURE
OFFICE FURNITURE
HOME APPLIANCES
HOME DÉCOR
MODULAR KITCHENS
Merces
Renovadi, Merces, Goa.
+91 832 6634962 to 66
Mapusa
Raj Raunak, Shetyewaddo,
Duler, Mapusa, Goa.
+91 7774004228
For corporate enquiries, please mail at: shopping@cmmgroup.in
WWW.CMMARENA.COM
Merces - 6634966
Panjim - 2422327
Mapusa - 7774004228
Calangute - 8308813915
FURNISHING
HOME DECOR
FURNITURE
PERSONAL CARE
GIFT ITEMS
GIFT VOUCHERS
LIGHTING*
KIDS CORNER
LADIES ACCESSORIES
*Locations specific

भुरग्यांचें आंगण

तेरावी कार्णी

सिंहासन बत्तीसी

भुताटकी ना केली

- माया अनिल खरंगटे

तेराव्या दिसा भोजराजा परत शिंवासना म्हऱ्यांत आयलो. ताणें शिंवासनाक हात लायले बराबर, तेरावी परी भोगनिधी जिवी जावन, भोजराजा मुखार उबी रावली. तिणें राजाक विक्रमाच्या साहसाची आनी शूरतायेविशींची कार्णी सांगूंक सुरवात केली.

'अवंती नगरांत भद्रसेन नांवाचो एक सावकार रावतालो. तो खूब गिरेस्त, धर्माक धरून चलपी आनी उदार आशिल्लो. जाण्टेंपण जातकच तो एक दीस मेलो. तेन्ना ताच्या पुतान, पुरंदरान बापायचो सावकारेचो धंदो हातांत घेतलो. तो देवाक-धर्माक खूब मानतालो. ताणें आपले गरजे इतले पयशे आपलेकडेन दवरून बाकीचे पयशे दान केले. उपरांत तो तिर्थयात्रा करूंक लागलो.

ताका सगळेंच निरस कशें दिसतालें. ताका पयशांची इत्सा नासली, मरणाचो भंय दीसऽ नासलो, पुराय जगच ताका वाजदिणें कशें दिसतालें.

एके खेप तिर्थयात्रेक भोंवतां भोंवतां तो एका म्हादेवाच्या देवळांत पावलो. त्या देवळाक 'भद्रेश्वर देवूळ' अशें म्हणटालीं. रात जाली. तेन्ना ताका रानांतल्यान एके बायलेच्यो किंळच्यो आयकूंक आयल्यो. तो रोखडोच भायर आयलो. आशिकुशिच्या लोकांकडेन ताणें वासपूस केली. लोकांनी ताका सांगलें, ''हें सदांचेंच, पूण ताची चवकशी करूंक रातचो रानांत कोण बतलो? कितेंय तरी भुताटकेचो प्रकार आसूं जाय. ना जाल्यार सदांच रातच्यो अशयो किंळच्यो कित्याक आयकूंक येता?''

पुरंदरान विचारलें, ''इतलो धीर तुमकां कोणाकच ना?''

लोकांनी म्हळें, ''हें, ना, ना, आमकां भुताचो भंय दिसता. आमी रानांत वच्चीं ना!''



थंय पयलीं वसती आशिल्ली, पूण आतां थंय कांयच ना. हुशार आसा. तूं थंय यो. थंय म्हजी खूब संपत्ती आसा ती हांव तुका दितां. तूं ताचो बरो उपे कर.''

राजा ते बायले फाटोफा गेलो. ती एक

तिर्थयात्रा करून पुरंदर घरा परतलो. ताणें विक्रमराजा म्हऱ्यांत वचून भद्रेश्वर देवळांत आपल्याक आयिल्लो अणभव सांगलो. तेन्ना विक्रमान आपणें स्वताच थंय वचपाचें थारायलें.

ते प्रमाण तो वचून देवळांत रावलो. रातचो बायलेच्या रडपाचो आवाज आयलो. तेन्ना रोखडोच उठून विक्रम रानांत गेलो. रानांत खूब भितर वतकर ताणें पळयलें एक राकेस एके बायलेक मारता. तें दृश्य पळोवन विक्रमान वेळ केलो ना. आपलें खड्ग घेवन त्या राकेसाचेर धांवून गेलो आनी ताका जिवेशीं माल्लो. मागीर ताणें ते बायलेची वासपूस केली. तेन्ना ते बायलेन म्हळें, ''हे वीर मनशा, तुवें म्हजेर खूब व्हड उपकार केल्यात. पयलींच्या जल्मांत हो राकेस म्हजो घरकार जावन आसलो. हांव ताचें आयकना म्हणून तेन्नाय तो म्हाका ख्यास्त भोगयतालो. तो बेगीनच मेलो आनी राकेस म्हणून जल्माक आयला. पयलींचो राग याद दवरून तो अजुनय म्हाका मारता.''

इतलें उलोवन ती बायल मात्सी रावली, मागीर तिणें म्हळें, ''हांगाच्या मात्शें मुखार एक उजाड अशें घर आसा. पोन्न्या घरांत भितर सरली. थंय व्हड व्हड बुयांवांनी, हांड्यांनी जायती संपत्ती दवरिल्ली. तिणें तें सगळें राजाक दिलें आनी म्हळें, ''राजा तुजे हे धाडसी करणेक लागून म्हजी ह्या खूब पोन्न्या अशा दुखांतल्यान सुटका जाली.''

इतलें सांगून ती राजाक पायां पडली आनी नाच्च जाली. राजा परत देवळांत आयलो. ताणें गांवच्या लोकांक आपयले आनी सांगलें, ''हें पळयात, आतां भुताटकेचो बी कसलोच भंय उरूं ना. म्हजे वांगडा कांय धडधाकट अशे तरणाटे दियात. हांव ह्या गांवच्या गरीब लोकांक धन संपत्ती वांट्टलों.''

विक्रमान खऱ्यानीच ती संपत्ती हाडून गरीब-दुर्बळांक वांटून उडयली.

इतली गजाल सांगून भोगनिधी परीन म्हळें, ''राजा विक्रमावरी धिटाय तुज्या आंगांत आसा???'

राजान ना म्हणून तकली हालयली. आनी तो भितर गेलो. परी परत वचून शिंवासनाक चिकटली. ■

– माया अनिल खरंगटे
दवर्ली, नावेली – गोंय.

देवा

देवा तुजें मळब
कितलें सोबित सुंदर
खंय मेळ्ळे रंग
म्हणून तुवें रंगयलें मळब...!

देवा तुजो निसर्ग
कितलो रे अथांग
तरेकवार झाडां-पेडां
परमळीत फुलां म्होवाळ फळां

देवा तुजो विशाळ दर्या
तळयो, न्हंयों, बांयों, पोंयों
कश्यो रे घडयल्यो?
तुज्या निर्मितीचो अदृष्ट दिश्टावो

रानां-वनांतले सगळे पशू-प्राणी
सदांच पियेता अमृत-पाणी
तृप्त जावन तुका दिता आशिर्वाद
वोंठार तांच्या तुजेंच गुणगान...!

देवा तुवें, कशें रे घडयलें
तुजे निर्मितीचे खेळ केळयले
सगळ्यांच्या मनांचो ठाव तुका आसा
तुजी छाया, माया सगळ्याक भरसल्या

– सोनिया सुभाष शाह
मेरशी – गोंय

सकाळ जाली

फांतोडेर उठून कावळ्यान म्हणलें
कांव कांव कांव कांव
सगळ्यांत पयलीं उठलों हांव
रूखावेलीं सुकणीं सगळीं
पाखां हालयत मळबांत उडलीं
चींव चींव चींव चींव
आमी सगळीं कामाक चल्लीं
तांबड्या तांबड्या शेकऱ्याचो
धवो धवो कोंबलो
पाखां फुलयत म्हणूंक लागलो
कोंकोंक कोंक
दोंगराच्या आडसाकच्यान
सुर्य वयर आयलो
किरणां सगळ्यांक फांकयत तो
उठ् म्हणूंक लागलो
हांथरूणार न्हिदिल्ल्या
बायन दोळे उगडले
आई म्हाका धर म्हणीत
आकांत करूंक लागलें

– शोभा शिवा फुलकार
मो. : ७८७५२३७४७८

स्वतंत्रतायेचें सूख

- रजनी भेंब्रे

१५ ऑगस्ट.... पयस - पयसल्यान फोगेट्यांचे आवाज कानार पडटाले. प्रभात फेरयेंत गावपी गीतांचे सूर शिरंतरांनी उर्बा जागयताले. 'सारे जहाँ से अच्छा हिंदुस्तां हमारा', 'विजयी विश्व तिरंगा प्यारा', 'हम होंगे कामयाब', 'स्वतंत्रताय स्वतंत्रताय, आमचो देश आमकां जाय.'

भुजां तायट करून गीतां गावपी माणकुल्या विद्यार्थ्यांक पळेतकच पोपटाचो जीव धादोस जाता. मन अभिमानान भरून येता. कितले आत्मीयतेन विद्यार्थी मन मेकळें करतात. स्वतंत्र देशांत तीं वावुरतात. ना जाल्यार म्हाका पळय - पोपटाक उद्‌गार येतात - ''कितले दीस जाले म्हाका हांगा पांदऱ्यांत बंद केला. ह्या अडगळीच्या पांदऱ्यांत म्हाका कांयच रुचना. मालकान फुलार चणे दवरल्यात, पिकें पेर आसा. तांबड्यो गुंज पिक्यो मिरसांगो... पूण - पूण म्हाका कांयच बरें लागना. मेकळ्या सैमाची सर ह्या पांदऱ्याक येता?''

कुत्रो : (आळस झडयत) भू... भू... भू... पोपटा तुजें चडच जालां. सगळें-सगळें तुका आयतें वाटयेंत हाजीर आसतना तुका सकाळीं-सकाळींच परवणी शी कित्याक लागल्या रे?

मांजर : म्यांव - म्यांव - म्यांव... हांवूय तेंच म्हणटां... पोपटाच्या गजालींकडेन तूं मात लेगीत लक्ष दिनाका. फकत आमकां पिरंगून दाखोवपाच्यो खबरी त्यो. आतां पिरंगप मागीर हळूच फूलार बरे चणे, पिकिल्ल्यो मिरसांगो, पेर कसो खाता तर???

पोपट : पोटाक भूक लागतकच खावचेंच पडटा गो बिलू... तुका मगो म्हजें दुःख समजुचें ना. कारण तूं म्हजेवरी पांदऱ्यांत बंद ना. तूं मेकळें-स्वतंत्र आसा.

कुत्रो : भूक-भूक, पुरो-पुरो तुजी पिरंगणी, पोपटा. तुजी जीण सुखाची मरे. भरिल्लें ताट आयतें सामकार येता. ना जाल्यार म्हाका पळय? केन्ना घरकान्न



पाव ना तर भाकरे कुडको वडयता काय वाट पळोवंची पडटा. खरी मजा तुजी.

मांजर : आनी हांव? घरकान्न नुस्तें हाडनाका आनी म्हाका नुस्त्याचीं बोडकां मेळनाका... नुस्तें हाडलें ना जाल्यार म्हाका हाच्या, ताच्या दारांत भोंवचें पडटा. तांच्या माजरांनी खावून उरलें जाल्यार म्हाका नुसत्याचीं बोडकां मेळपाचीं. ना जाल्यार घरकान्न केन्ना उश्टें भायर वडयतली म्हणून वाट पळोवपाची. हालीं दारादारांनी सगळो कचरो व्हरपाक येतात आनी त्या खातीर उरिल्ली - सुरिल्ली आशाय सोंपल्या. घरमालकीण सगळो कोयर, उश्टें एकेच पिशवेंत घालून कोयर व्हरपी कामदारां सुवादीन करता.

पोपट : कितेंय आसूं पूण तूं मेकळी जीण जियेता काय ना? म्हणून म्हणटां नशिबवान तूं... भाग्यवान तूं...

मांजर : पळय रे कुत्र्या हांव खंय भाग्यवान. हळद लायली म्हज्या भाग्याक...

पोपट : बिलू माजरा तुजे बशेन कुत्रोय भाग्यवान. (सुस्कारता) पळयात तुमचेर कसलेंच बंदन ना... तुमी, तुमकां जाय तेन्ना जाय थंय वचूंक शकतात. आसा म्हाका कापासदाद हो पांदरो सोडून वचपाची? (रडटा) जाणां बिलू आनी कुत्र्या... म्हाका... म्हाका... म्हज्या घरच्यांची याद येता रे... याद येता...

कुत्रो : रडूं नाका पोपटा, रडूं नाका....

पोपट : म्हजी आई बाबा - धाकटीं भावणां... काय बरीं आमी रुखार रावतालीं. पांचव्या चार रानांत, मनांत येता तेन्ना भोंवर मारतालीं. कितें खावपाक मेळटा तें वांटून खातालीं. रानांतल्या रुखांवेल्या फळांची रूच येता म्हाका....

कुत्रो : भू... भू... पोपटा... म्हाका सांग, मागीर तूं ह्या पांदऱ्यांत कसो पावलो? कोणें घालो तुका पादऱ्यांत?

मांजर : म्यांव... म्यांव... हांवय तेंच म्हणटां!!! रान खंय आनी ह्या घरांतलो पांदरो खंय!!!

पोपट : म्हजे चुकीन गो पापयानो... म्हजेच चुकीन. चुकीन म्हणचे परस आपसुलातपणान. हांवें... हांवें जाणटेल्यांचें आयकलें ना... ताचें हें पानवळ...

मांजर : म्यांव... म्हणल्यार रे पोपटा?

पोपट : (पोपटाच्या दोळ्यां सामकार फाटली घटना जीवी-तट्टीत उबी जाता) त्या दिसांनीं... रानांत चार-पांच मनीस हातांत बडयो घेवन भोंवताले. आमी भावणां भुरगीं. आमकां अणभव कमी. आई-बाबान त्या रानांत वर्सां काडिल्लीं. गांठीक अणभव आशिल्लो. आयकतात मरे तुमी?

माजर : हय-हय... आयकतात रे... सांग फुडें कितें जालें.

कुत्रो : पूण तूं पांदऱ्यांत कसो पावलो तें पयलीं सांग मरे पोपटा... नाका आशिल्ल्यो गजाली कित्याक?

पोपट : आरे... आरे... तेंच तर सांगतां मरे.... आई बाबान आमकां माणकुल्यांक शिटकावणी दिल्ली. सांगिल्लें - चुकून लेगीत त्या बडयां म्हऱ्यांत वचूं नाकात. आनी चुकून माकून पावलींच जाल्यार त्या बडयांचेर बसूं बी नाकात हां. त्रासांत त्रासांत पडटलीं. पयलींच शिटकायतां.

कुत्रो : भू-भू-भू-भू... पोपटा कसली काणी सांगता तूं आमकां? काय... पांदऱ्यांत कसो पावलो तें सांगता?

पोपट : कर्माची काणी म्हज्या कर्माची. त्या... त्या... दिसाची याद काडल्यारच आंगार कांटो येता... आरे आई-बाबान सांगिल्लें आसतना आमी दोग भावणां, पळोवया पूण कितें जाता? आई-बाबा आमकां भिवकुरीं करून वडोवपाक सोदतात अशें म्हणून आमी ते बडयेर वचून बसलीं मात...(रडटा)

बिलू मांजर : म्यांव... पोपटा कितें जालें... रडटा कित्याक?

पोपट : रडूं नाका जाल्यार कितें करूं? आगो आमी बसलीं मात बडयांर... आमकां उडूंकच येना जालें. घट्ट दसून उरलीं आमी... आमचे पांय कसले तरी पदार्थाक चिकटले... आनी... आनी...

कुत्रो : भू... आनी मागीर कितें जालें....?

पोपट : आरे थंयच लिपून बशिल्लो एक मनीस थंय आयलो आनी... आनी... आमी बशिल्ली ती बडी घेवन चलपाक लागलो.

बिलू मांजर : (भिवून कुळकळ्ळां) तु तु तुमी उडपाचो यत्न केलो ना?

पोपट : (रडत-रडत) केलो गो पापया... खूब केलो... जितलो आमी उडपाचो यत्न करताले, तितले आमी चड-चड चिकटताले. आमी पांखाटे वावडून आकांत केलो.. व्हडव्हडान बोवाळ घालो. पूण कांयच सादलें ना. (रडटा) आमच्या आकांतान आई-बाबा आयले.

कुत्रो : भू... आनी आई बाबान कांयच प्रयत्न केले ना?

पोपट : आरे कशीं करतलीं? जर तीं आमच्या आदाराक आयिल्लीं जाल्यार तिंवूय चिकटपाचीं. ताणीं आमकां पयलींच शिटकायिल्लीं... तरी आसतना... दोळ्यांत दुकां हाडून आई-बाबा चितताली आमची सुटका वाट कशी जातली? पूण तीं कांयच करूंक शकनासलीं. बडी खांदार दवरून आमकां पालखेंत बसल्ले वरीं तो मनीस आमकां घेवन चलूंक लागलो. आमी आई-बाबाक पयसुल्यान पळयलें. आमीय रडटाले आनी आई-बाबा, आमचीं माणकुलीं भावणां झाडाच्या आडोशाक रावन पाखां हालयत-हालयत रडटालीं. सगळी रडा-रड. पूण सुटका ना.

माजर : पोपटा कितलें वायट घडलें पळय!!

पोपट : त्य मनशान म्हाक म्हज्या धनयाव विकलो. आनी आनी म्हजें दुस भावण खंयचे दिक्कि पावलें खब ना... खबर.. ना.... (रडटा)

माजर : रडू नाका पोपटा.... र नाका. दुख्ख आवर.

पोपट : रडू नाका जाल्यार किते करूं हांव? आई-बाबाचें आयकल्लें जाल्यार हांव म्हजें मेकळेंपण वगडावन बसचों नासलों रे. तुमी म्हणटात म्हाका सगळें खावंक जेवंक मेळटा... पूण... पूण म्हाका स्वातंत्र्य नारे... म्हजी जीण बंदिस्त मरे... रानांत आसतना हांव म्हाका जाय तसों उडटालों. गीतां गायतालों. हांगा म्हाका धनयालो माणकुलो पूत दिसपट्टे सरी धोंगसून आपली भास उलोवपाक शिकयता. आरे म्हजी आवय भास, जल्माची भास सोडून अडेची मनश्याली भास हांव कसो शिकतलों रे? त्रासांत पडलां रे हांव आनी तुमकां दिसता हांव सुखी आसां. ना... पापयानो... म्हाका धनयालें कांयच नाका.... म्हाका जाय मुक्तताय.. म्हाका जाय स्वतंत्रताय...

मांजरा - कुत्र्या... दिवशात तुमी म्हाका मेकळेंपण...? आनी करशात म्हाका सुखी???

■

- रजनी भेंब्रे

कुडचडें - गोंय. मो. : ९८२२४८६९५५

मुंगूस आनी मनीस

एक आशिल्लो मुंगूस. तो घराचे लागींच रावतालो. केन्नाय तो त्या घरांत वचून पाली, हुंदीर आनी ल्हान ल्हान किड्यांक खावन उडयतालो. त्या घरच्या मनशांनी कुकडां पोशिल्ल्यान मुंगुसाक केन्नाय चोरून कोंबी खावंक मेळटाली.

हें प्रकरण त्या घराच्या धनयाक खबर आशिल्लें आनी त्या खातीर ताणें मुंगुसाक धरून मारून उडोवपाचें थारायलें आनी त्या प्रमाण ताणें एक दीस मुंगुसाक धरलो. ताका मारूंक वचपाक सोदतालो इतल्यान मुंगूस ताका पांय पडूंक लागलो.

'म्हाका वाचय धनया, हांवें तुमचेर खूब उपकार केल्यात. हांव तुमच्या घरांतले हुंदीर, पाली अनी तुमकां त्रास दितल्या किड्यांक खावन उडोवन तुमची राखण करतां.'

धनयान अशेंऽऽ म्हुण आपली मान हालयली.

'तूं म्हणटा तें फट न्हय जाल्यार म्हज्या कुकडांक मारून खावपी कोण तर? आमच्या घरांतलें मांस चोरून व्हरून झाडांच्या झुडपांनी बसून खावपी कोण तर? तूं करता त्या उपकारा परस म्हाका लुकसाण चड जाता. ते खातीर तुका ख्यास्त भोगचीच पडटली आनी तुकाय तशेंच मरण आयल्यार म्हाका खोस भोगतली.'

तात्पर्य : बऱ्या गुणांच्या वांगडा ताचे वायट गूणय दाखोवन दिवंक जाय.



सुणें आनी सोंसो

एक सोंसो आशिल्लो. तो एक दीस उमेदीन रानांत हेवटेन तेवटेन धांवतालो. अकस्मात एका सुण्यान ताका पयसुल्ल्यान पळयलो आनी तें ताचे फाटल्यान लागलें. सोंशानूय त्या सुण्याक पळयलें आनी तो जीव आसल्यार भीक मागून खायन म्हुण आपलो जीव वांचोवपा खातीर धावंक लागलो. सुणेंय फाटल्यान धांवत ताच्या म्हऱ्यांत पावलें. हें कळटकीच सोंसो लागींच आशिल्ल्या झोपांनी वचून लिपून रावलो.

सुण्यान हेवटेन तेवटेन भोंवून मात्शे वेळान तो जागो सोदून काडलो. आनी झोंपाच्या म्हऱ्यांत येवन उबें रावलें. इतले म्हणसर सोंशान बरो सुशेग घेतिल्लो आनी तो झोपांतल्यान भायर सरून नेटान धांवक लागलो. तें पळोवन परतें सुणें ताचे फाटल्यान लागलें.

खूब वेळ फाटीक लागून सुण्यान शेवटाक सोंशाक फाटीं घालो. म्हऱ्यांत पावतकीच सुण्यान फाटल्यान येवन सोंशाक जीब लायली. कांय वेळान घांस लेगीत मारूंक लागलें. हें सुणें अशें कित्याक करता हें सोंशाक कळना जालें.

ते खातीर सोंशान सुण्याक म्हळें, ''तुका हांव इश्ट म्हणूं काय म्हजो दुस्मान म्हणूं? तूं म्हजो इश्ट जाल्यार म्हाका कित्याक चाबता? दुस्मान जाल्यार म्हाकां तूं कित्याक ल्हेंवता? हेंच म्हाका कळना.''

सुण्याक कितें सांगचें तें कळळें ना. आनी अजापान तोंड आऽऽ करून सोंशाक पळयत रावलें.

तात्पर्य : केन्नाय दोन युक्ती एकाच फावटी वापरूं नाका. ■

– अलका सिनाय असोळडेकार
बड्डें – मडगांव. मो. : ९८२२९८११०७.

धाडसी रघू

रामूचो इश्ट श्याम् आनी श्याम् चो मामेभाव दामू. ह्या दामूचो इश्ट रघू. त्या रघून एकदां आपली खबर दामूक सांगली. दामून ती खबर श्यामूक सांगली आनी आतां ती खबर बरी रंगोवन रंगोवन श्याम् आपल्या इश्टाक रामूक सांगूंक लागलो.

ती खबर अशी.

एकदां मरे रघूचो पप्पा आपल्या किदें तरी कामा खातीर हुबळी गेल्लो. तो शुक्रारा भायर सरिल्लो म्हणटगीर फक्त दोन-दीस शाळा चुकतली असो विचार करून ताणें रघूक आनी रघूचे मम्मीकय बरोबर व्हेल्लीं. तीं सगळीं शुक्रारा सक्काळीं आपली गाडी घेवन भायर सरलीं. दनपार मेरेन तीं पावलीं हुबळी. मागीर सांजे आनी दुसऱ्या दिसा सकाळीं ताच्या पप्पाचें काम सोंपलें. थंयच ताका कळळें की थंयच्यान लागसारच आशिल्ल्या देवीची आज जात्रा. ती देवी म्हणल्यार सामकी जागृत देवस्थान. नवसाक पावपी. खूब पयसुल्ल्यान लोक मुद्दाम जात्रेक येतात.

रघूच्या पप्पान विचार केलो 'आयल्यांतच आमी. आज सांजे तशें कामय कांय ना. वचून येवया जात्रेक.' मागीर जेवन एक न्हीद बी काडून तिगांय जाणां जात्रेक वचूंक भायर सरलीं. फकत २०/२२ कि. मी. तें देवूळ. पूण रस्तो बरो नाशिल्ल्यान तांकां कळाव जालो. सांजे ६ वरांचेर तीं देवळाकडेन पावलीं. तें सामकें खेडें खंय! धड बऱ्यो चकचकीत लायटीय नाशिल्ल्यो. गाडी खूब पयस दवरून तांकां चलत खूब भितर देवळाकडेन वचचें पडलें. फुडें वाट सामकी अशीर आनी दोनूय वटेन दुकानां.

देवूळ बरें व्हड आशिल्लें खंय. वयर भांगराचो कळस बरो व्हड आशिल्लो. पूण देवळा मेरेन वचपाचो रस्तो सामको अशीर. रघूचो पप्पा रस्त्याक लागून सामको बेजारिल्लो. तातूंत ही वाट, ती लोकांची झुंबड, गर्दी हें सगळें पळोवन ताका आपूण हांगा आयलों तीं पिशेपणांच केलीं काय कितें अशेंय दिसपाक लागलें खंय. पूण आतां कितें करतलों? आयला इतलो म्हणटगीर देवीचें दर्शन घेतल्या बग वतलों कसो?

ते गर्दे बरोबर हीं तिगांय जाणां वटेन वचपाक लागलीं. इतल्यान रघूच्य पप्पान म्हळें, ''ती गाडयेंतली उदक बाटली हाडल्यार बरी आशिल्ली न्ही?'

तेन्नाच पप्पाकय तकलेंत आयिल्ल गाडी हांवें सारकी लॉक केल्ली का ना?

''तुमी दोगांय हांगाच कडेक रावात हांव घेवन येतां गाडयेंतली उदक बाटली.'' पप्पान तांकां सांगलें आनी पप्पा गाडये कडेन गेलो. हीं दोगांय कुशीक रावलीं. पूण गर्दी इतली आशिल्ली की तांकां एका जाग्या रावपाकच मेळटा आशिल्लें खंय! लोक तांकां धुकलत फुडें व्हरताले. खूब वेळ जालो तरी पप्पा कसो आयलो ना म्हुण रघूचे मम्मीन फाट केली आनी ती गाडयेवटेन पळोवंक लागली. ती मनांतल्यान मात्शी भिल्ली.

इतल्यान एक व्हडलो गर्देचो लोंढो आयलो आनी रघू तांचे बरोबर फुडें फुडें पावत रावलो. मम्मी आनी रघू दोगांय एकमेकापसून पयस जालीं. रघूक सगळें कळटालें पूण इतली गर्दी चड आशिल्ली की ताका कांयच करूंक मेळना जालें.

इतल्यान रघूक येवजलें. ताणें मरे काय बरी आयडीया काडली जाणा?

दोनूय हातांनीं भोंवतणच्या लोकांक धुकलून तो एके कुशीक वचून रावलो. पूण तो मोडवो न्ही रे? आपूण मम्मी-पप्पाक कसोच दिसचो ना हें ताका येवजलें आनी थंयच आशिल्ल्या दुकानदाराक ताणें सांगपाचो प्रयत्न केलो. पूण तो कन्नड उलोवपी. ताका बाबड्याक हो किदें सांगता तें कळना जालें. मागीर मोडक्या तोडक्या हिन्दींत ताणें आपली खबर सांगली.

रघूचें तोंड पळोवन त्या दुकानदाराक काकूट दिसली जावये! ताणें रघून मागल्या बरोबर भितरलें लाकडाचें स्टूल भायर दवरलें आनी रघू ताचेर चडटगीर तें घट्ट धरून रावलो.

रघूच्या बोल्सांत मम्मीचो तांबड्या रंगाचो 'स्कार्फ' आशिल्लो तो रघून काडलो आनी हातांत धरून वयर लोकांक दाखोवंक लागलो. सगळे लोक फुडें वतां वतां ताका पळयत फुडें सरताले. सगळे लोक रघूक पिसोच समजले जावये. पूण पयसुल्ल्यान येतल्या ताचे मम्मी-पप्पान रघूक पळयलो. तीं दोगांय काचाबूल जावन रघूक सोदत सोदत फुडें येतालीं. ''देवळा कडेन तरी रघू मेळटलोच.'' रघूच्या पप्पान मम्मीक सांगिल्लें खंय आनी तो मम्मीच्या हाताक घट्ट धरून घेवन येतालो.

गर्देतल्यान वाट काडत तीं दोगांय जाणां रघूकडेन पावलीं. ताची हुशारी पळोवन बापायन रघूक शाबासकी दिली. तर मम्मी ताका घट्ट वेंगेंत धरून दुकां झरी व्हांवयताली. मागीर पप्पान त्या दुकानदाराक एक शंबरांची नोट दिली. ताचे उपकार मानले.

दर्शन घेवपाक तीं तिगांय एकामेकाचे हात घट्ट धरून देवळांत गेलीं. ती देवीची सुंदर मुर्त पळोवन मम्मी-पप्पा सामकीं खोशी जालीं.

परत हॉटेलार पावतासर तांकां रातचीं धा जावन गेल्लीं खंय! मम्मी-पप्पाच्या तोंडांत मात रघूच्या धाडसाचें वर्णन खूब तेप चालूच आशिल्लें.

''खरेंच वालोर रे बाबा त्या रघूक. कशी तकली वापरली पळय ताणें.'' दोगूय इश्ट रघूची तोखणाय करपाक गुल्ल जाल्ले.

■

– **उषा ज. कामत**, हरिमंदिरा लागीं,मडगांव - गोंय.

बाबूचें सपन

बाबू सपनांत
उडूंक लागलो
रॉकेट कसो तो
सर्गार पावलो

सर्गार जाली
मजाच मजा
बाबूक सगल्यांनी
केलो राजा

वतांत लजून
हांसलीं नकेत्रां
बाबू येवकारा
वाजलीं वाजंत्रां

झाडार फळां
झिगझिगलीं
सुकणीं सावजां
गावंक लागलीं

झरे वझरे
घसघसले
खडे हिऱ्यांचे
शिंवरायले

आयल्यो परयो
भरून ताटल्यो
बाबूक चॉकलेटी
खावोवंक लागल्यो

चॉकलेटी खायत
बाबू हांसलो
न्हिदेंतलो उठून
रडूंक लागलो

– **प्रकाश पाडगांवकार**
पर्वरी - गोंय
मो. : ९४२३०६०३८४

भुरग्यांक स्वातंत्र्य जाय



- स्मिता तिंबले

दर एकाक स्वातंत्र्य जाय आसता. आपले दरएके हालचालीचेर कोणाचो तरी दोळो आसल्यार तो कोणाकूच सोंसना. हेंच भुरग्यांचे बाबतींतूय कित्याक खरें आसचें ना? ल्हानपणासावन तीं पडत-झडत म्हुण जाण्टीं तांचेर दोळो दवरून आसतात. व्हड जातकूच तीं चुकत ह्या भंयान दोळो दवरून रावतात. अशें सतत नदर दवरपांतल्यान आमी तांचें स्वातंत्र्य तर काडून घेनांत मू?

भुरग्यांक, समजुपाचे पिरायेचेर येतकूच जाणट्यांभशेनूच स्वातंत्र्याची गरज आसता. तेन्ना आमचें काम तांचेर फकत पयसुल्यान नदर दवरपाचें. तीं पडल्यार हात दिवपाचें. तीं पडत म्हणून पयलींच तांकां आडायल्यार ती घडये अणभवाच्या फोंडांत पडून शिकून शाणीं जावंक पावचीं नांत. भुरगेपणाच्या हुंबऱ्यांतल्यान ती तरणेपणाकडेन पावल घालतात तेन्ना आमी दोन पावलां फाटीं रावन तांचेकडेन पळोवपाची गरज आसा.

कारण स्वातंत्र्य हें तांचे पिरायेची गरज आसा. खलील जिब्रानान म्हळ्ळां की, तुमचीं भुरगीं हीं तुमचीं न्हीं. चिरंजीव जावंक सोदपी जिविताचे उत्कट अशे उमळशिकेचीं अशीं तीं भुरगीं आसात. तांचेर तुमचो पुराय ताबो दवरी नासतना तांकां मेकळें सोडात. तांकां तुमचो मोग दियात पूण तुमचे विचार दिवूं नाकात. कित्याक? तर ते तांचेकडेनूच आसात.

आमी तांकां आमचे अणभव सांगपाक शकतात. पूण आमचे भशेनूच तांणीय वागपाक जाय हो ध्यास नाका. कारण जिवीत हें भूतकाळांत रोमून रावना. तें फुडें फुडें वचत रावता. ताका फुडें व्हरपाचें काम फुडले पिळगेचें. तुमचें न्ही.

आमी पालक भुरग्यांक कसल्या ना कसल्या तरी कोर्साक बांदून दवरुंक सोदतात. तीं जितलीं बांदून उरतलीं तितलीं तीं शिस्तींत उरतलीं अशें आमीच थारायतात. हें कितले टक्के खरें? भुरग्यांक भावनीक दृश्टीन फुलपाक मेकळीक दिवपाचीय गरज आसा. त्याखातीर आमी तांकां फावो तो वेळ दितात? तांक थोडे फावट शिस्तबद्ध आनी आखी जिवीत नाका आसता. दितात तें आमी तांकां?

तांच्या राज्यांत आमी लुडबूड करची न्हीं. तांकां फकत आदार जाय आसता पयसुल्ल्यान! तांचो आत्मविस्वास आमी जागो करप. तें तूं करूंक शकत अशें सांगप. फुडलें पावल तांकांच घालपाचें आसता. तें घालपाक आमी फुडें सरप न्हीं. तांकांच फुडें सरुंदी पालकत्व ही एक डोळस जापसालदारकी. कुड्डी न्ही हें मतींत दवरूंक जाय. त्या खातीर म्हत्वाचे परिक्षे वेळार घरा रावन तांचें टेंशन वाडोवंचें परस, निकाल जातकूच घरा रावन तांची खोशी दोब्रान करात. तेंच योग्य थारतलें.

खूब फावट आमी आमच्या भुरग्यांक कितेंय सांगपाक सोदतात तेन्ना तांचेकडेन सरळ उलोवंचें. ताकाक येवन गाडगे

लिपोवप समा न्हय. कारण भुरग्यांचें मन निर्मळ आसता. तांकां आड उलोवप समजना आनी आवडय ना.

भुरग्यांचे प्रस्न समजून घेतना घरची फाटभूंय मतींत दवरप खूब गरजेचें. घरचें वातावरण कुशीक सारून भुरग्यांचे प्रस्न आमी हाताळूंक शकनात. घरचो कितेंय गंभीर प्रस्न आसल्यार ताची जाणीव आमी भुरग्यांक करून दिवंकूच जाय. तातूंत लिपोवपाचें अशें कांयच ना. घराचो एक भाग हे दृश्टीन ताणें सगळें जाणा जावप खूब गरजेचें. ताच्या फुडाराच्या हेतून आनी ताचे एकूण वाढीखातीर तें जायच आसता. जायते फावट भुरग्यांक परिपक्वता येवपाचे नदरेन तें योग्यूच थारता. देखीक, बापायक नोकरी ना, हें कळ्ळ्यार भुरग्याक आपल्या जापसालदारकीची जाणीव बेगीन जातली. आपली आर्थीक स्थिती कळ्ळ्यार भुरगीं मेळत तसो खर्च करुंक सोदचीं नात.

आपल्या भुरग्याक ल्हानाचे व्हड करतना जायत्या प्रसंगांत आमचे वयलो आमचो ताबो सुट्टा. हात वयर सरता आनी भुरग्यांच्या आंगार मेळत तसो पडटा. आमी आमच्या भुरग्यांक मेळत तशे मारतात.

तांकां मारून आमी कांयच साध्य करूंक शकनात. उलट तुमचे मदीं दरी तयार जाता. मेकळेपणान उलोवपांतल्यान दोगांय मदलीं दारां उगतीं जातात तर, मारांतल्यान तीं बंद जातात. त्या भायर, चूक करप, मार खावप, विसरून वचप, परत चूक करपाक मेकळे जावप अशे तरेच्या विचित्र चक्रांत आमी आनी भुरगीं सापडटात. सुदारणा जावचे परस सगले घडणुकेक एक संवंगपणा येता. ते परस आमी भुरग्यांकडेन बरोबरीचें नातें तयार करपाकडेन लक्ष केंद्रीत करपाक जाय. तांचे कडेन उलयतना तीं आमचीं भुरगीं हें आमी खीणभर विसरून तीं आमचे भशेनूच विचार करपाक सोदपी एक जबाबदार व्यक्ती म्हुण समाजांत वावरूंक सोदपी अशे आमी पळोवंक जाय. तेन्नाच तांचेकडेन आमी योग्य पांवड्यावेल्यान उलोवंक शकतलीं. तांचेकडेन बरोबरीचें नातें प्रस्थापीत करूंक शकतलीं. तें मेकळेपण तांकां दिसचें ह्या खातीर आमी पयलीं तांकां मेकळेपण दिवपाची खूब गरज आसा. तेन्नाच तांचेमदीं आमी विस्वास निर्माण करूंक शकतलीं. नाजाल्यार ना.

निमणे, आमी पालकांनी भुरग्यांची उप्पाट चिंता करप सोडून दिवंक जाय. कारण अती चिंता पालकाक दुयेंत करून सोडटा आनी भुरग्याक पालकाचे दुस्मान. इश्ट न्हय. ■

– स्मिता तिंबले
मडगांव – गोंय

मनसंवेदना

गोरवां

गांव गांवांत गोठ्या गोठ्यांत
जायतीं गोरवां आसतालीं
रंवथ करीत आख्खी रात
गोठेल्यां थंयच न्हिदतालीं

वचत थंयसर हरवंस वास
नाका तोंडांत भरतालो
शेणां मुताच्या वासान
पिडा रोग पळटालो
दोंगर भोंवन तिनसांजचीं
वेळार गोठ्यांत पावतालीं

आसलीं म्हणटच वांगडा गोठ्यांत
शिंगांय शिंगांक आपटतालीं
चुकीन शिंग आपटलें म्हुण
एकमेकाक समजतालीं
भितर सरून ज्युस्ता ज्युस्त
आपल्या दांव्यार रावतालीं

सकाळीं फुडें चलते वाटेर
रांगोळ्यो पडऽ शेणांच्यो
कांयकडेन दिश्टी पडऽ
थापयो मणां मणांच्यो
जाण्टीं नेण्टीं माडां भेंडार
शेणी बऱ्यो थापतालीं

गांवां गांवांत घरा घरांत
जमनी शेणान सारवताल्यो
किडी मुसांक पयस वचूंक
धुंवऱ्यो कोनशाक धुंवताल्यो
हातरी वा शेंदरी पातळोवन
पोरां तोरां लवणतालीं

– सुनील हरी पालकार
नावशी – गोंय
मो. : ९९२१७९६८६५

बांगला कविता : **सुतोपा सेनगुप्तो**
कोंकणी अणकार : **रमेश भगवंत वेळुस्कार**



आशा...

तडीक पावपाक धड जाय, दोन हातांचें बंधन जाय पडटा शिवशिवत्या बावळ्यांक
समुद्र कल्लोळ जाय, आकाशाकडे झगडीं करुन सकल येंवक जाय
अंतराळांत पेंवपी मेघ जाय, जाय उटंगारांच्या पावसांत वादळ वाऱ्यांतल्या जोगलांची आपालिपा
खेळ जाय, संयमाचो बोवाळ आनी एक पांटलो जाय
पडून रावपाक, सुटी फितां, नट बोल्ट आनी एक वस्तुसंग्रहालय
धांवून वच्चे पयलीं तें सगळें उमथून उडोंवक जाय
बांसरेची धून जाय आनी वसंताचे बागेंत झुळझुळपी मंद वारें जाय
झडलेल्या पाल्याच्या हांसपांतल्यान आयल्ली उज्याच्या आश्वासनाची एकूच किटाळ जाय

माया जाय, उलगून वयतले सांजवेळेखातीर साखरेन माखयल्लें वीख जाय वखदाच्या पात्रांत
चुंबन जाय जाण्टेपणाच्या मिरयांतल्यान व्हांवतले झरीचे कडेर
मांडयेर नम्र जाल्लें मस्तक जाय,
व्हंट भरपाक एक अनाथ माणकुलें जाय,
घाम जाय, वस्त्र जाय, ओढणी जाय, रांडेचीं वस्त्रां जाय, जाय कांबळीचो धागो
जाय कांबळीवाल्यांचो सहवास नासलेलें घर, जाय ईश्वराच्या फाटल्या फुडल्यान रडप
मंद हांसो, मोग्यांची आरक्त नदर,
जाय ताच्या वंठांचो आधार, लुलो-लंगडो जगन्नाथ जाय, जाय सगळ्या कामांत व्यग्र आसपी तरण
जाय प्रल्हाद, जाय जगन्नाथ, जाय किशोर-विद्यार्थ्यांच्या आवडीची डायरी
गुंथल्ल्या खिणां श्वास रुद्ध करपी जादू जाय
उक्त्या तिख्याची भ्रांत जाय, अंती एक पावट उठून परत एक पावट पडपापयलीं,
तेच खातीर हे दोळे ह्या हातांक अंकीत करुंक सोदतां,
परिचित परमळ जाय, वण्टीचेर आनी मेजाच्या मध्यार साळीक फुल्लेलें जाय नदर मारपाक,
शिगमो जाय, पुनव जाय, धोल-कासांळीं वाजोवन पोजडीं गितां गांवक जाय,
जे परीं काळजाक काळीज मेळटकूच धक् धक् धक् अशें संगीत निर्माण जाता
विपदांचे संकेत चेंचून जगूंक सोदतां आनी नम्र पोशांत जाय ल्हायो ताज्यो

कितल्यो राती हे यमुनेचें पाणी हुपचें पडटलें
त्या पाणयांचो आधार जाय, रंग जाय
आनी हें ना जाल्यार कृष्ण कान्ह्याचो राधे राधे कलरव जाय,
माती जाय, अमृत जाय, लाल रगत पळसाच्यो पाकळ्यो जाय
फोडलेल्या कळशे उपरांत जंय पळोवपाचें नासता, थंय पळोंवक सोदतां
जन्मांधपणी गाळ जाय, निरुपाय तरणे किशोरावस्थेचें उत्तरीय-वस्त्र
पिनून वचूंक जाय, तें रोवपाक माती जाय,
माजराच्या दावकुलाच्या नाखटांवरी धारदार आनी फाळयो
केल्लो काळ जाय आनी कालबिंदू जाय

जाय शारांतल्या सवाय संत्रेवरी एकदम काव्यान उपेक्षित अवस्था
जाय तकली विरार करपी कथा, असंख्य कांशाच्या फुलांनी भल्लेल्या
लांबचे लांब रेल्वे लायणींचें आमंत्रण
जाय अपू आनी यौनहीण अस्तुऱ्यांचो दुर्गा मंडप, सामान्य स्तवन
जाय जाय उलोवप बंद करपाखातीर दर दिसा जेवणखाण, वस्त्र आनी घर पाखें
जाय सरायेचे आशीकुशीक इल्लिशी वताची भूंय आनी प्रेमी-प्रेमिकांचीं आलिंगनां
जाय अवैध सन्तानांचो अहंकार, जाय जरीच्या बदला अस्सल भांगर
जाय भांगर भांगर भांगराखातीरचें बेधूंद पिशेपण
जाय मर्ण डेस्डिमोनाचें

दिसता सतीवरी
शिवनिंदा आयकत देहत्यागाक तत्पर जांवक
जाय जांवक आसक्त मीरेच्या भजनांचेर
जाय जांवक क्लियोपात्रा
जाय कैस्बियंकाच्या विस्वासान लब्ध जाल्ले प्राण जळोवपी अद्भुत कोटवो
जाय बोट, धर्तर, नील-गिरो, विश्व, देश
जाय एक व्हडें मोग करपा खातीर आनी एक कोलाज घेऱ्यांत थांबलेलो
जाय
एक दोन थेंब दुखाचे
दोळ्यांच्यो फडफडट्यो मलप्यो
जुयेच्या सुस्कारांवरी
एक पावट तरी
थरथरुन वचूंक
सोदतां...

००
पाळें
१३-१-२०१४

पुनर्जल्म

हांव दुयेंत पडलों
तशे सगळे देव आमगेर आयले
- आनी हांव साल्वार जालों...

खरें म्हळ्यार -
म्हाका जीणेची खऱ्या अर्थान वळख जाली
लागशिल्लें - पयसुल्लें
खरें - खोटें
मनीसपण - देवसपण
लख्ख बरें दिसलें
म्हजो अणभव दांडगो जालो
- आनी हाकाच सगळ्यांनी अपुरबायेन
पुनर्जल्म म्हटलो!

आतां हांवें
म्हजें यज्ञकुंड नव्यान प्रज्वलीत केलां
आनी तातूंत
एक एक वेचीक समिधा घालतां
म्हजीं घरचीं
देवाक दिल्लें उतर पाळपाक व्यस्त!

- आर रामनाथ
मो. ९८५०४५८७६३

कावळो

सकाळच्या पारार दारार
कांव कांव करपाक लागलो कावळो
मांय म्हणपाक लागली,
जेवपाक येता आसतलो पावणो रावळो

हांवें नेटान म्हळें कावळ्याक
ह्या मोबायलाच्या जमान्यांत गरज तुजी ना रे
कावळ्यानूय हांसून म्हाका म्हळें,
मागीर कागोळ आनी पिंड व्हरपाक तुमच्या
त्या फोनाकूच सांगल्यार बरें

हें आयकून म्हज्या आंगर
सरसरून आयलो घाम
आमच्या धर्मांतलो कशें विसरलें
हांव कावळ्याचो म्हत्वाचो वांटो?

हात जोडून हांवें कावळ्याक म्हळें
चूक आमची जाली रे
कावळ्यानूय म्हाका म्हळें,
'काम जालें वैज मेलो'
हो तुमचो स्वभाव
बदल्ल्यार जातलें तुमचें बरें!

सुरकुती जीण

वल्तेरार सुरकुती जीण
दोळे धांपून येवजिता
फाटले जिणेची काणी
दुकां गळयत यादेता

जिवीताचे सांज वेळार
जीण एकसुरीच आसली
सोयरीं-धायरीं, भुरगीं-बाळां
सांगाताक कोणूच नासलीं

येतना जीण संवसारांत
आसली आवय-कूस
वचचे वेळार दारांत मात
ना जितोय मूस

एकटेपणाचो भोगून भोग
जिणेचें काळीज आंकांतता
भाटां-बेसां आसून लेगीत
पातकांचें रीण पावयता

जिविताच्या सरत्या काळार
जीण हुस्कार सोडटा
उखल बेगीन देवा धनया
निमणें मागणें मागतां

आवय वरी

खोरें कुदळ घेवन आंगार
केलो तिणें सोबीत शिरंगार
वारांव पुरून काळजां भितर
रावंक दिलो सोबीत वाठार

खतखतीत घेतलो डांबर
रस्ते दिले दाखोवंक दिका
हांसते खेळटे दवरूंक आमकां
सोंसचें पडटा खूब तिका

काळा वांगडा बदलत रावता
शक्त आपली वाडयत रावता
खर वतान तापून लेगीत
झाडां पेडां धोलयत रावता

तकलेर तिंच्या फायचें वजें
घट्ट मुठींत रेंवें कण
आवय वरींच धर्तरी ही
भुरग्यां खोशेक मारता मन

– रेखा मोहन राव
कोंब, मडगांव - गोंय
मो. ९४२१७४५२१९

– शालन नायक
मुंज विहार हाव. सोसायटी,
घोगोळ, मडगांव

– रुपाली किर्तनी
मडगांव - गोंय

जांवंय- एक सोद

- कृ. म. सुखठणकार

"आई, सगळ्यो देवी हात तशेच करता. हांवें सुनीतागेर यमाईचो फोटू पळयिल्लो. तिचेय हात अशेच आशिल्ले. सगळ्यांचे तांचे हात स्टॅण्डर्ड आसतात."

"आई नवो भाडोत्री गे." नीता गलेरेंतल्यान रांदचेकुडींत धांवलें.

फुडल्या फ्लॅटांत नवो भाडोत्री आयिल्लो. आतां फुडल्या फ्लॅटांत नवो कोणूय रावपाक आयल्यार कोणाकूय खोस जाता पूण नीताक चडूच खोस जाल्ली. नीताक सद्याक चलो पळोवपाची मोहीम ताच्या आवय बापायन हातांत घेतिल्ली. नवो शेजारी आंकवार भुरगो आशिल्लो अशें ताका दिसलें.

"आगो कोण गो?" आतीबाय साडयेक हात पुशीत भायर आयली.

"म्हजे परस दोन तीन वर्सांनी व्हड आसत" नीता ओगीच तांबडें जालें.

"कोणूय लिंगायत बी न्ही मगो? एकटोच आसा मगो?" आतीबायन दोळे बारीक करुन फ्लॅटा वटेन पळोवन विचारलें.

"आगे गोंयकार तो, मोबायलार उलयतालो. पंचम केन्ना काय म्हणून कोणाक तरी विचारतालो."

"आमचो शांतादुर्गेचो काय कितें गो? अहो, त्या गुलगुलातांतलें उदक घेवन वचात ताका. शेजार धर्म म्हणटा तो ना तुमकां. नवो शेजारी आयला ताका उदक बी लागत हें कांयच पडून वचू ना. तुमी पावचे पयलीं ती पायणीकान्न थंय सवकतली. तांचेंय शोभन आसा लग्नाचें जाणा न्ही? आनी अशीऽऽऽ खबर काडा, कोण, कितें कात, शांतादुर्गेचो वा मंगेशाचो आसल्यार पळेया. नाजाल्यार रोखडे परते येया. हेंऽ हेंऽ करत राव नाका थंय." आतीबायन जगदीशबाबाक सांगलें.

"बाकीचे मनीस न्हय गो?"

"तुमची भूतदया म्हाका ना. म्हजो जांवंय शांतादुर्गेचो म्हाजन ना जाल्यार मंगेशाचो. आमकां पयलो मान मंगेशीं आनी मंगेशकारांक पयलो मान कवळ्यां. तुमकां याद आसा मूं, कुसाशेसासु...?"

"हय गे सायबिणी. कुडचडकार, सावर्डेकार, शेल्डेकार, साखरदांडे, सुखठणकार,..." जगदीशबाबान नांवां बोटार मेजीत म्हणलें.

"सगळे आडवेच. उबे नाका, कळ्ळें?"

"आपूण कोण ती पळयना." जगदीशबाब.

"पुरो तुमचें लॅक्चर, थंय पायणीकान्न पावतली, ती म्होवाळ उलोवपाक बेस बरी. रोखडीच ताका चिली फ्राय करुन घालतली. मागीर जालें. आपल्याक एक चलो पळोवपाची तांक ना, दारांत आयला तोय बी वगडाया." अशें म्हणत आतीबायन तेफळां धाडायलीं.

"आगो रोखडोच तो एलिजिबल बॅचलर म्हुण कळ्ळें तुका?" जगदीशबाबालो प्रस्न.

"म्हाका नुस्तें आनी चलो भुरगो वळखुपाक रोखडेंच कळटा, चलयेचे आवयक ईश्वरी देणगी ती. चला तुमी उदक घेवन." आतीबायन ऑर्द सोडली तशी जगदीशबाबान ती पाळ्ळी.

रोखडोच जगदीश बाब उजवे हातान रिकामो पेलो घेवन आयलो.

"सिताराम उर्फ शिवदत्त हरी रेगे."

"आव्वयस शांतादुर्गेचो!" धुव आनी आवय आडुलीं.

"हांवें सांगू नाशिल्लें मम्मा, तो पंचमूय करता." नीता परत तांबडें जालें.

"आनी हांवें सांगू नाशिल्लें तुमकां, म्हाकां नुस्तें आनी चले वळखूंक येता म्हणून? आतां फुडें सांगां." आतीबाय खुर्चेर बसली.

"वय अठ्ठावीस."

"म्हजे परस तीन वर्सांनी व्हड. चलता."

"ओगी राव गो येन्नाच भुल्लुसुनाका. ह्यो गोष्टी सवकसायेन करच्यो आसता. सांगां फुडें." आतीबाय आतां पांय हालोवंक लागली.

"राहणार माहिम मुंबई, एकुलता एक, बॉब मद्धे असतो."

"बॉब शी?" आतीबायचो प्रस्न.

"बॉब म्हणल्यार बँक ऑफ बरोडा. रिटायर्ड आई वडील आणि लग्न झालेली बहीण."

"आवय बापायचें बरें आसा, नंणंद लग्न जाल्या मूं? म्हणचे सगळें जाग्यार पडल्यार नीता राणी." आतीबाय.

"आवय बापायचें बरें आसा म्हणल्यार गे?" नीताचो प्रस्न.

"मी पण तेच म्हणत होतो." जगदीशबाब.

"तुमकां मराठीशी फुटल्या? येदोळच्यान हांवें नोट केलां." आतीबाय आतां पांय हालोवपाची थांबली.

"आगो त्या चल्या कडेन हांव मराठी उलयतालों, ती तशीच चालू उरली."

"लग्नाविशीं कितें म्हणटालो? डायरेक्टली इनडायरेक्टली?"

"यंदा कर्तव्य आहे."

"आव्वयस!" अशें म्हणून नीतान एक कप बशी फोडली.

"आगो भुल्लुसुं नाका. असल्यानी तूं अरवळ म्हणून रोखडेंच कळटलें. आतां हांव आलें घालून च्या करतां ती तुमी व्हरुन शिवदत्ताक दियात."

"सिताराम उर्फ शिवदत्त हरी रेगे."

''सगळ्या वंशावळीचो पाडो वाचूं?'' आतीबाय जगदीशबाबाचेर तापली.

''त्या परस जांवंयाक व्हरुन दियात म्हण न्हय.'' नीता लजलें.

''येन्नाच जांवंय जालो म्हजो?'' आतां जगदीशबाब तापलो.

''बोब मारूं नाका.''

''ही बोब बँक ऑफ बरोडा गे काय खरीच बोब?''

''हे चलयेचें फुडें कशें जातलें देव जाणां?'' अशें म्हणून आतीबाय च्या करपाक लागली. जगदीशबाब आल्याची च्या घेवन शिवदत्ताल्या फ्लॅटार गेलो आनी अर्द वरान परत आयलो. उजव्या हातांत रिकामें कोप आनी पीर.

''आयलें आमगेलें दिसाळें. खबर कितें सिताराम उर्फ शिवदत्त हरी रेगेल्या फ्लॅटा वयल्यान?''

''अनपॅकींग चल्लां.''

''च्या कशी लागली? आलें चडशें घाल्लें.''

''आरेचे दूद घालून च्या बरा लागतो.''

''जायत, ताका इतल्या वर्सांची संवंय न्हय?'' आतीबाय मातशी दुखावली.

''जेवणाचें कशें?''

''सकाळीं हांवें दोडयारे हाडल्या न्हय, तांचें धबधबीत कर, थोडे तळ, बरी लोशणी कडी कर.''

''जालें काय आनीक उरलां? तुमच्या जेवणाचें विचारुना हांवें.''

''मागीर नीताचें? आमी जेवता तेंच तें जेवतलें.''

''हात तेकले ह्या दादल्या सामकार. हांव सिताराम उर्फ शिवदत्त हरी रेगे बद्दल उलयतां.''

''ताजें येन्नाच्यानूच तुका कित्याक पडलां? मी बाहेर जेवून घेणार अशें गंजी फ्रॉक उमळटना तो सांगतालो.''

''तो कपडे उमळटा? सो थ्रिलींग! म्हजी मज्जा तर!'' नीतान ताळी मारुन एक उडीशी मारली.

''पिसाय खंयचेकडलें ओगी राव! ताका एक वावराडी पळोवची पडली. गौराबायक म्हणटा हांव.''

''नको ते खर्च मला चालत नाही.''

''तुमी मराठी उलोवपाचें मातशें बंद करात पळोवया.''

''अशें हांव म्हणना, सिताराम उर्फ शिवदत्त हरी रेगे म्हणटा.''

''आई तूं वच गे वावराक.''

''पिसांट, कर्मभोग म्हजो! पळेयात हो हाका.'' आतीबाय सामकी बेजारली.

''सारकें ताजें, चड आयदना आसचीं ना तागेर.''

''आतां चलयेक न्हवरो सोदपाक लोकांगेर आयदना घासत फिरुं? देवतेन दारांत काय बरो निरव्यसनी चलो धाडलो म्हणून म्हज्यो ह्यो उठाबशी, नाजाल्यार कोण कोणाक पळेता!''

''आई तुका निरव्यसनी म्हणून कशें कळ्ळें गे? आतांचे चले कोऽऽण निरव्यसनी नासतात. आमचे कोलेजींतले सगळे चले मदीं वचून गाड्यार फुसकायताले.''

''तुजें सगळ्या चल्यांचेर कित्याक लक्ष गो? तुका फकत जी. एस. बी आनी तातुंतल्या तातूंत आडव्यांचेर नदर दवर म्हण सांगिल्लें.''

''हो चलो मात निरव्यसनी आं, मला व्यस परवडत नाही असो ताणें म्हाका दाखलो दिलो. जगदीशबाब.

''हो चलो गोंयकारुच न्हय, काय रेगे दु कडेनूय बी आसता?'' आतीबायक हुस्को जाल

''कित्याक गे?''

''ना, गोंयकार आमी सदांच ओर्राद. पयले भेटीन गोंयकार म्हाका हें परवडना तें परवड अशें पिरंगुंचोना.''

''गोंयकारुच तो! शांतादुर्गेच्या फोट सामकार निरंजन पेटयतना हांवें पळयलां.''

''आमचीच देवता मूं? अशी आसनार बस एक हात असो आनी एक हात असो केल्लो ?'' आतीबायन एक्टींग करुन दाखयलें.

''आई, सगळ्यो देवी हात तशेच करता हांवें सुनीतागेर यमाईचो फोटू पळयिल्लो. तिचे हात अशेच आशिल्ले. सगळ्यांचे तांचे हा स्टॅण्डर्ड आसतात.''

''ताणें मदीं देवते पाव बी म्हणिल्लें?''

''तसो प्रसंग ताचेर हांव थंय आसा मेरे येंव नाशिल्लो.''

''गळ्यान जानवें तरी आशिल्लें?''

''हय ताका ताणें चावी बांदल्या.''

''भट बी न्ही मूं?''

''आगे तूंच थंय वच आनी सगळी खब काड पळोवया!''

''सगळीं कामां हांवूच करतां. तुमी कित्याक कोंताक येवपाक ना. आमचें सगळें जाता म्हणसर ती पायणीकान्न थंय पावतली आनी ताका फारायतली. तुमच्यान कांयच पाणी ना.''

आतीबायन शीताक उडयलें, तेफळांचें, दोडयाच्यांचें धबधबीत आनी लोशणी कडी असो बेत आशिल्लो. तिणें सगळें जाग्यार घालून दोन तांबये आंगार रकयले आनी ती लिंबा सरबत घेवन शिवदत्ताल्या फ्लॅटार गेली. बेल वाजयल्या बरोबर बानयनात आशिल्ल्या शिवदत्तान दार उगडलें.

''या काकू''

''मला काकू म्हणत जावू नका मला आतीबाय म्हणा.''

''मी तुम्हाला ओळखलं नाही.''

''मी, आत्ता येवून गेला ना, तुम्हाला पाणी दिले ना, त्याची मी घरकान्न.''

''बसा ना.''

''नाही मी तुम्हाला जेवायला बोलवायला आली आहे.''

''तुम्ही टिफीन सप्लाय करतात?''

''मी काही सप्लाय करत नाही. गोंयकारात रीत आहे, कुणी नवीन आले की धावून जातो, मनीस्पण म्हणटात त्याला.''

''मी नावाला गोवेकर आहे माझं उभं आयुष्य मुंबईत गेलं.''

''पण तुम्ही शांतादुर्गेचे म्हाजन ना मग तुम्ही आडवे, आडवं आयुष्य मुंबईत गेलं म्हणा. आम्हाला उबे म्हटलेलं शोभत नाही. आम्ही स्मार्थ आहोत.''

''मला त्यातलं कळत नाही. ते राहु द्या, मी किती वाजता येऊ?''

''अर्ध्या तासात या बरं. पुढचा फ्लॅट सोडून दुसरा. इकडे तिकडे न बघता सरळ या. वाटेंत धवणूक पायणीकान्न आहे.''

''म्हणजे?''

''असू द्या जाते मी.''

आतीबाय घरा आयली खरी पूण मातशी बेजार जावन. ''हो चलो गोंयकार नावांक. तो आडवो आसून उबें आयुश्य मुंबय गेलें खंय आनी म्हाका काकू बी म्हणपाक लागलो. जेवपाक आपयल्यार तुमचो टिफीन धाडपाचो धंदो आसा काय विचारलें.''

''मागीर?''

''आतां तोंडातल्यान उतर गेलें म्हणटकच आपयला.''

ज्यूस्त अर्द वरान दारार बेल वाजली. 'सो पंकच्यूअल!' नीता दार काडपाक धांवलें, वतना फ्लावर पॉट उडयलो.

''अरवळ, पयलीं भीतर येतलें! तुमी उगडा हो दार. जेवणाच्या आमंत्रणाची वाट पळेतालो दिसता. आमी गोंयकार अर्दवर तरी लेट करुन वतलीं आशिल्लीं.''

''या या शिवदत्त राव.'' जगदीशबाबान येवकार दिलो.

''बसा बसा.'' आतीबाय.

शिवदत्त घरांत नदर फिरयत बसलो. ''हा फ्लॅट तुमी कधी घेतला?''

''१९९९.''

''किती दिले तेव्हा?''

''अहो ते असुद्या, तुमची आई कोणाकडची?''

''माझी आई पुण्याची कर्वे.''

''तरीच'' आतीबायन आनी जगदीश बाबान बरोबर म्हणलें.

''म्हणजे?''

''म्हणजे काही नाही, आता आम्ही जेवूया. चांगले दोडयाच्याचे धबधबीत आनी लोशणीची दाट कडी केली आहे. बाबाना जाऊन विचार बाबा घोस्त काडतील.''

''बाबा लग्न जाल्यावर शाकाहारी झाले.''

''काकुळट बाबड्याची आनी तुम्ही?''

''मला दही भात किंवा दुध भात चालेल.''

''आवय म्हजे खंयचें अरिष्ट हाडलें आफोवन!'' आतीबायन रांदचे कुडींत वतना म्हळें.

''आई अमोल पालेकरा भशेन न्ही गे? सामको सादो, दही भात दूद भात खावपी.''

''तूं म्हजी आनीक तकली फिरोंवं नाका आं. आतां हांव दूद आनी धंय सोदूंक वतां. मोव शीत कालयतां आनी उणयो करुन एक काक्याची, एक चीवूची करुन भरयतां तुज्या अमोल पालेकराक.''

आतीबायन सगळ्यांक ताटां दवरली आनी वाडलें. शिवदत्ताक दही भात, चिरिल्लें टोमाट आनी भरिल्ल्या आमलेचें लोणचें वाडलें.

''ही लोणच्याची कैरी जरा धुवून देता का? मला तिखट पचत नाही.''

''कर्मभोग म्हजो.'' आतीबायन आमलेवयलो मेथो धूत म्हळें.

''दोडयाच्यांचें धबधबीत मस्त झालं आहे. तुमची आवडती डीश कोणती?'' जगदीशबाबान शिवदत्ताक विचारलें.

''मला बेडेकरांचं मेथकूट.....''

''पुरो पुरो ताका नसते प्रस्न विचारुं नाका, जेवन उठा एकदांचे. म्हाका ढवळ्ळें. म्हाका फाटल्यान जेवपाक जाय.'' आतीबाय आतां सामकी बेजारिल्ली.

शिवदत्त जेवन वचपाक भायर सरलो, ''मस्त जेवण होतं.''

''मस्त जेवण कपलाचें, बरें तर.'' अशें म्हणून आतीबायन दार धांपलें, मारलें म्हळ्यार जाता.

''आतां ह्या विशयाचेर चर्चा नाका. हांव जेवंक वतां. हांव एकूच सांगतां, नीताक आडवो उबो वाकडो तिकडो तिरपो कोणूय चलता पूण चल्याचें गोंयांत जाल्लो जल्म दाखलो आनी हांगां वीस वर्सां राबितो आशिल्लो दाखलो म्हाका पयलीं जाय.''

''आनी म्हाका दोडयाच्यांचें धबधबीत, लोशणीची कडी जेवणाक चलता अशें ताचे कडल्यान अंडरटेकींग जाय.''

जगदीशबाबान म्हळ्ळें आनी सगळ्यांक हांसो फुटलो.

■

– कृ.म.सुखठणकार,
रायबंदर – गोंय. मो. : ९८५०५३०७५६

वोंवळां

आवयचें काळीज

- शर्मिला वि. प्रभू

आकांतान गाडी आमी सोमतीच हॉस्पिटलांत व्हेली. दोतोरान ब्लिडींग थांबपाक म्हण इंजेक्शन दिलें ख्रें पूण ताचो कांयच गूण पडलो ना. सगळी रात हांवें तळमळून काडली. घरच्यांक वोगीच न्हिदेक ग्रास म्हणत कोणाकच उठयलें ना. रातभर पोटांतली दूख आनी ब्लिडींग थांबलेंच ना. दोन-तीन दीस गुळयो ख्वावन म्हजो जीव जाग्यार आयलो ना. हांव मात सामकेंच अशक्त जालें. शेवटाक दोतोरान पिशवी साफ केली.

घरांत लागपी जाय तें सामान, भाजी घेवन हांव साडे इकरांक घरा परतलें. कडकडीत वतांत बाजार भोंविल्ल्यान तानय 'सॉलीड' लागिल्ली. गेटीभायर भर वतांत अचकीत ताका पळोवन म्हाका अजापच जालें. आयज म्हाका पळोवन तें शेपटीय हालयनासलें. ताच्या प्रेता म्हऱ्यांत बसून तें त्या पेट्याक ल्हेंवतालें. घडये हेर पांच-स पिलांवरीं तोवय जितोच आसतलो अशें म्हाका दिसलें. म्हऱ्यांत पावतगच रक्ताच्या थारोळ्यांत निपचीत पडिल्ल्या त्या कंवळ्या जिवाक मुखार पळोवन हांवें कच्च करून आंग काडलें. आपल्या पेट्याक ल्हेंवतां- ल्हेंवतां ताचें म्हजेर लक्ष गेलें. ताणें कांय खीण पेट्याक ल्हेंवपाचें सोडलें आनी तें म्हाका पळोवंक लागलें. ताचे बोलके, ताचे मायेन भरिल्ले, ताचे थकिल्ले दोळे म्हजे नदरेक मेळ्ळे आनी म्हजें काळीज हुलपलें. पोटांत गुळो मारिल्ल्यावरीं जालो. कांय वेळ भान हरपून हांव तांकांच पळयत रावलें. भानार येतकच हांवें ताचे तकलेवेल्यान भोवणावपाक हात फुडें केलो. तशें मिनिटांभीतर ताच्या दोळ्यांतले भाव बदल्ले. तें पट्ट करून म्हज्या आंगार झुडून आयलें. तशें हांव गेटीभितर सरलें. हांवय पुरायपणान गोंदळून गेल्लें. खिणाभितर एके आवयकडेन मायेची देवाण-घेवाण करपी तिची नदर खिणाभीतर मनीसजातीची वैरी जावंची! खूब किदें-किदें विचार सटा-सटा म्हजे तकलेंत येत रावले. तरीय म्हाका ताचो निखालस राग येवंक ना. त्या खिणाक तरी आमचें ब्रावनी पुरायपणान स्वत:क विसरून गेल्लें. ताचे भितरली आवय, माया ताच्या नसानसांत भरसल्ली.

भावनेन भरून थंयच थिराविल्ले पांय बळयां ओडीत हांव घरांत भितर सरलें. घरांत भितर सरनां फुडें वेळेचें भान म्हाका आयलें. म्हज्या भितरल्या आवय मनांक हांवें सावरलें. घरची अन्नपूर्णा तर हांवच मागीर हांवेंच भावनांवश जावन कशें उपकरतलें! दनपारचें एक जावंक आयिल्लें. विश्कोलानसून पोटाभूकेन म्हजो धाकटो पूत जेवंक येवपाचो आसलो. सकाळच्यान घराभायर कामा निमतान वचपी, पावसांत जावं थंडे कडकड्यांत कश्ट करपी म्हजो घरकारय पोटा भुकेन घरा येवचो आसलो. पटापट हात चलूंक लागले. आवयचे मायेन उपाट भरिल्लें काळीज मात फाटल्या यादिनी शेणिल्लें. खंयतरी पयस अशें.

म्हजो धाकटो पूत म्हळ्यार विद्येश जल्माक येवचे आदिंची गजाल. रासवळ घराब्यांतल्यान खोशयेन आमी भायर सरलीं आनी आमच्या हक्काच्या दोन बेडरूमांच्या ल्हानशा घरां रावपाक आयलीं. खूब खोशी आशिल्लीं आम तिगांय. हांव, म्हजो घरकार आनी म्हजो व्हडल पूत (पांच वर्सांचो) माणकुलो. खोशये पाख लावन दीस उडताले. कांय दिसांनी हांव पर्थू आवय जावपाचें आसां हाची सुलूस म्हाक लागली. घरांत खोशयेचें वातावरण, खोशयेच्य आंगणांत फुलपी त्या फुलाची आमी सगळींच वाट पळोवंक लागलीं. पोटांत वाडपी तें बाळव म्हळ्यार परीपूर्ण, सपनपूर्तीचें गोड कवन कशें दीस सोंपून म्हयने पासार जातात तशे आमच्य भितरलें नातें आनीकय सवकळीचें जायत वतालें. तें कशें दिसतलें, म्हज्या माणकुल्य बुशूबशेन काय म्हजे भशेन, काय म्हज्य घोवावरीं? ना-ना तरेच्या गोड प्रस्नांच्यो जापें मन सांसपितालें. आतां तर म्हज्या पोटांत वाडप त्या सपनांच्या फुला खातीर हांव जेवतां-खातां दोतोरान सांगिल्ले प्रमाण स्वताची कुयदाद घेवप हें सगळें हांव म्हज्या जिवाचे सुवाळे ताकाच लागून तर करतालें. अशेंच म्हाका जाणवतालें.

निकतोच चवथो म्हयनो सोंपून पांचवो लागिल्लो. म्हजो आंगलोट पयलीं परस गुलगुलीत जाल्लो तरीय दोतोरांच्या सांगण्या प्रमाण

भुरग्याची वाड जाय तशी नासली. हांवय मात्शें अशक्त आसलें. म्हणटां-म्हणटां फातर्पेची जात्रा सुरू जाली. दिसयभर ओंकार आनी माणी लागिल्ल्यावरी घुवपी जीव. तांतल्यातातूंत जात्रेक वचपाचें येवजून हांव उमेदीन फुल्लें. जात्रेक तिळसांजचीं भायर सरलीं खरीं, अर्देवाटेर पावपाक म्हाका पोटांत कातरील्लेवरी दुखूंक लागलें. म्हणटां-म्हणटां आंगारय जावंक लागलें. आकांतान गाडी आमी सोमतीच हॉस्पिटलांत व्हेली. दोतोरान ब्लिडींग थांबपाक म्हण इंजेक्शन दिलें खरें पूण ताचो कांयच गूण पडलो ना. सगळी रात हांवें तळमळून काडली. घरच्यांक वोगीच न्हिदेक त्रास म्हणत कोणाकच उठयलें ना. रातभर पोटांतली दूख आनी ब्लिडींग थांबलेंच ना. दोन-तीन दीस गुळयो खावन म्हजो जीव जाग्यार आयलो ना. हांव मात सामकेंच अशक्त जालें. शेवटाक दोतोरान पिशवी साफ केली. एक सपन उजवाडचे पयलींच उध्वस्त जालें. त्या सपनांच्यो कुरवो मात म्हज्या मनां-काळजार कायमच्यो कोरांथून उरल्यो. दोतोरान साबार म्हयनोभर सुशेग घेवंक फर्मायलें. कुडीचो सुशेग घेवंक शकलें पूण मनाक मात अजिबात सुशेग नासलो. दिसभर शेकड्यांनी प्रश्न तकलेंत उप्रासताले. ह्या प्रश्नांच्यो जापो मात म्हजेलागीं नासल्यो. मौन व्रत धरिल्ल्यावरी हांव दिसभर दोळे धांपून पडून रावतालें. दोळ्यांतलीं दुकां मात मनांतल्या घाव्याक वाट दाखयतालीं. म्हजो सानूलो म्हाका पर्थून -पर्थून प्रश्न विचारतालो, 'मम्मा तूं किद्याक रडटा?' त्या दुख्खा शिवाय आनीकय म्हजो संवसार आसा हाचो तर विसरच पडिल्लो म्हाका! आवयक काळजाचें दुख्ख किदें आसता हाचो अणभव हांवें प्रत्यक्षांत स्वता घेतिल्लो. म्हजें मन म्हाकांच कोसतालें. सगळे घडणुकेक म्हाकाच जबाबदार धरतालें.

सगळींच जाणां म्हज्या घरचीं मनशां, जावं इश्ट-इश्टीणी सगळींच समजायतालीं. हांव पर्थून आवय जावंक शकतलें हें दोतोरावरी म्हाकाय खबर आसलें. तरीपूण काळाच्या क्रूर प्रवाहांत व्हांवन गेल्ल्या त्या सपनांची याद मात म्हज्या काळजा-मनार सासणाची कोरांथिल्ली हें तर हांव कशेंच विसरूं शकनासलें. आपल्या सासणाची न्हिद घेवन रक्तबंबाळ अवस्थेंत पडिल्ल्या निष्पाप पिलाक मायेन पळोवपी ते आवयची अवस्थाय म्हजेवरींच आसली. सुणीं आसलीं तरी शेवटाक तिवय त्या पिलांची आवय आसली. आवयमनांचो मोग, भावनां, व्यथा सगळ्यो एकेच तरेच्यो आसतात. मागीर ती मोनी सुकर्णी-सवर्णी आसूं नातर जनांवरां नातर मनशां. आपल्या सासणाची न्हिद घेवपी त्या पिलाक भावनीक ल्हेंवतना पळोवन म्हजें काळीज चुरचुरलें. एके आवयच्या काळजाचें दुख्ख घडये, दुसरे आवय काळजान पारखिलें.

कदाचीत बाकीच्या पिलांक लुचयतना, तांची जतनाय घेतनां घडये तें ही घडणूक विसरूनय वतलें. पूण ताच्या काळजाक तोपिल्लो ते घडणूकेचो दुख्खाचो कांटो ताका जल्मभर सतायत रावतलो. आवयच्या मोगाचो शिंवर पोरांचेर घालतना त्या संवसार सोडून गेल्ल्या निश्पाप सानुल्याची याद मात ताका आयल्या शिवाय रावची ना!

■

– **शर्मिला प्रभू**, आगाळी – फातोर्डा.फोन : २७४०६४०

तात्पर्य कथा

इंग्लीश माध्यमाच्या मुळाव्या शाळांक अनुदान दिवपाचो निर्णय आदल्या काँग्रेस सरकारान घेतिल्ल्यान भारतीय भाशा सुरक्षा मंचांतल्या वांगड्यांचें चाळवल्लें. सगळ्यांनीं 'इंग्लीश व्हाय? मांयभास जाय' घोशणां बरयल्लें काळें टी-शर्ट घालून निशेध उक्तायल्लो.

"उदयबाब, तूं टी-शर्ट घालता काय काडटा?"

"तानाजीबाब, कितें करचें कांयच कळना. मनांत बेश्टो दुभाव सो मारता."

"दुभाव घेतल्यार तूं फाटींच उरतलो. तानाजीबाबाक पळय कसो झेतान शिवाजी... चडय तूं. म्हजेर विश्वास आसा मरे? आमी आतां 'भाई-भाई' म्हुण वावुरपाचें. कितें म्हणटा?"

"बरे भशेन!"

तात्पर्य : हिन्दी चिनी भाई-भाई.

मंद मंद वाजत गेलीं पयस पयस पांयजणां....

सुधाबाय गेलें. आमच्या काळजांत घराबो करून गेलें. वतना मंद मंद ल्हवपीक पावलांनी गेलें. तीं वाजलींना जायत, पूण आमोणकार घराण्यांतल्या ह्या हसतमुख दांपत्याकडेन जांचो थोडोभोव काय जायना संपर्क आयलो तांकां हीं मंद मंद वाजत गेल्लीं पांयजणां नक्कीच आयकूंक आयल्यांत आनी मौन पडलें सगळ्या रानां, शिरशिरून थांबलीं पानां हाचीं प्रचिती आयल्या हातूंत दुबाव ना.

सुधाबाय गेलें फ्रेब्रेराचे १६वेर. खबर कळ्ळी आनी मन खिन्न जालें. सुधाबायचें मरण तशें अचकीत न्हय. ७५ वर्सांची पिराय. निरोपाचीच पिराय अशें म्हजें बुध्दीवादी मन सांगता खरें, पूण म्हजी आवय णव्वदांचेर गेल्ली तेन्ना ती धडधाकट आशिल्ली. हातापायांनी वावुरताली. त्या मानान सुधाबाय बेगीनूच गेलें म्हणपाचें.

कोंकणी साहित्यिक आनी भाशेचे चळवळीक लागून म्हजो ह्या फाटल्या पस्तीस-छत्तीस वर्सांत जायत्या लोकांकडेन लागशिल्ल्यान संबंद आयलो. तातुंतल्या भोव थोड्यांनी म्हज्या काळजांत घराबो थाटलो. तातूंत सुधाबाय आनी सुरेशबाब हांचो आस्पाव आसा. सुधाबायक हांव मेळ्ळों तेन्ना सुधाबाय चाळीसेक वर्सांचें आसूंक जाय. पस्तीसेक वर्सां पयलींची गजाल ती. म्हापश्यां साहित्य संमेलन आशिल्लें. न्यू गोवा हायस्कुलाच्या प्रांगणांत. पुराय स्कुलच आयोजनांत घुस्पल्लें. सुधाबाय म्हाका दिसता स्कुलाची मुख्याध्यपिका आशिल्ली. रत्नपाल साळकार, नेत्रा, शांती बी अशे शिक्षक ताच्या वांगडा आपलें घरचेंच कार्य कशे वावुरताले. म्हजी पिराय तेन्ना २१/२२ वर्सांची. मॅच्युरिटी येवपाक आतां सारकी इंटरनेट, मोबायल बी साधनां म्हज्या सारख्यांच्या हाताक भुरगेपणारूच लागूंक नाशिल्लीं. म्हजी पिळगी जियेताली ती कथा, कादंबऱ्यो, कवितांच्या सपनाळ्या, भावूक जगांत. कसलेच छक्केपंजे ना, दुस्वास ना. जो कोण आपलेपणान, मायेन वागता ताचोच जावपाची पिराय ती. सुरेशबाब, सुधाबाय म्हळ्यार म्हजे खातीर कादंबरी, कथा, सिनेमा हातुंतलीं नायक नायिका. तांचें न्हेसप, तांचें वागप, उलोवप, चलप कादंबरीनी

आमी राजबिंडे बी वर्णनां वाचिल्लीं त्या वर्णनाकडेन तंतोतंत जुळपी अशें तें जोडपें आनी त्या जोडप्यान म्हज्या सारख्यांक कोंकणीच्या एका कार्यकर्त्याकडे आपलेपणान उलोवप, अगत्यान वासपूस करप आनी भोंवमानान वागोवप ही गजालूच म्हजे पासत अप्रूप आशिल्ली. रवीन्द्रबाब आनी गोदूबाय उप्रांत सुरेशबाब आनी सुधाबाय हें एक आदर्श जोडपें म्हाका कोंकणी चळवळींत आपटल्लें. रवीन्द्रबाब, गोदुबाय हांची कालेत वेगळी. आश्रमी. पूण सुधाबाय - सुरेशबाब म्हळ्यार भारतीय आनी अस्तंत संस्कृतायेच्या मिलाफाचें एक मोस्त्र. म्हज्या सारख्या त्या काळच्या सपनाळ्या तरनाट्याचेर प्रभाव घालपी.

मागीर ल्हव ल्हव वर्सां सरलीं तशी दा जायत गेली. सुरेशबाबान आनी सुधाबाय आवर्जून घराकडेन आपोवप जावंक लागले जेवणाक रावपाचो आग्रो करचो सुधाबायन मागीर व्हिस्की, बियरच्या ग्लासा वांगड सुरेशबाबांकडली मैफल. सुधाबायन चरचरी नुस्तें तळून आमकां आग्रो करून करू वाडप. एक आदर्श भारतीय गृहिणी आनी अस्तंत प्रभावाचीं हय न्हयशीं पुटां आशिल्ल घरंदाज घरकार. आपलोय संवसार असोच आसचो अशें म्हज्या सारख्या कोणाकूय दिसपा सारकेंच तें घर, त्या घरांतलें हें दांपत्य. कोणेंय तांच्या मोगांत घुस्पून वचचें अशें.

बाकीबाब हें म्हज्या सारख्यांचे त्य काळार दैवत. बाकीबाब सुरेशबाबाचो माम आनी सुधाबाय पुतणयी. ह्या नात्याक लागुनय सुधाबाय सुरेशबाब आपलो आपलो दिसपाचें कारण आशिल्लें.

सुधाबाय एक आदर्श शिक्षिका. तिचे विद्यार्थी गुणगान गायतालेच. म्हाका अणभव नासलो तरी तें सत्य आसुंकच जाय. संमेलना वेळार विद्यार्थी आनी सांगाती शिक्षक हांचे कडलें सुधाबायचें वागप हांवें पळयल्लें.. पूण हांव सुधाबायक वळखतालों तो लेखिका म्हुण. कोंकणी-मराठी कितले तरी ललित

निबंद सुधाबायन बरयल्ले हांवें वाचल्यात. बरोच काळ सुधाबाय बिम्बांतल्यान बरयतालें. आपलो असो खाशेलो वाचकवर्ग तयार केल्लो ताणें. ताच्या निबंधाचेर खूब समिक्षकांनी बरयलां. सुधाबायचें लिखाण म्हळ्यार दुदावेली साय कशी. जाणें दुदावेली साय दोळ्यांनी पळयल्या, चिमटेन स्पर्शीला आनी जिबेर घेवन कंठा लागशिल्ल्यान सुवाद घेतला ताका हांव कितें म्हणटां तें कळटलें.

सुधाबायक हांवें पळयल्या गायिका म्हुण. रेडिओचेर गायतना, संमेलनानी गायतना आनी घराकडेन गेल्लेकडेन सुरेशबाबान वो आमी कोणेंय आग्रो करतकच म्हणटना.

बाकीबाबान पांयजणां हें गीत कोणाक लागून, कोणा खातीर बरयलां खबर ना. पूण जितेंद्र अभिषेकीन ताका संगीत दिवन गायलां आनी तें अजरंवर केलां. पूण सुधाबाय तें गायतालें तेन्ना दिसतालें, बाकीबाबान तें आपले पुतणयेन सुधाबायनूच गांवचें म्हुण बरयलां. सुधाबाय जेन्ना तें गीत गायतना मुद्राभिनय करतालें तेन्ना ताच्या गळ्यांतल्यान येवपी सूर कान तृप्त करताले ते जालेच, दोळेय तृप्त करताले. शब्द, ताल, सूरां सयत सुधाबायन गांवचें. तशेंच मुखामळार ते भाव उक्तांवचे. बाकीबाबाचें हें गीत अजरंवर जालांच. तें जेन्ना जेन्ना कानार पडटलें तेन्ना बाकीबाब याद जातलोच, अभिषेकी बुवाय याद जातलो. पूण प्रकर्शान याद जातली ती सुधाबायची आनी तें गीत गायतना ताणें केल्ल्या मुद्राभिनयाची.

फाटले तीस-पस्तीस वर्सांच्या ताच्या मायेस्त संपर्कांतल्यान सुधाबायन कोंकणी चळवळींतल्या सगळ्या लोकांक आपलेशे केले. हें सगळें बरयतना वाचप्यांक एक जाणविकाय जातली, सुधाबायचेर बरयतना सुरेशबाबाक कुशीन दवरूंक येना. इतलें हें जोडपें एकमेकांत भरसलां. सुरेशबाब खूबश्या अरिश्टांतल्यान गेला. संवसाराच्या दोन चाकांची उपमा हांकां दिली जाल्यार एक चाक जेन्ना अरिश्टांत सांपडलां तेन्ना दुसऱ्या चाकाकूय नक्कीच ताचो धक्को बसला आसूंक जाय. सुरेशबाबाचेर आयिल्लीं सगळीं अरिश्टां सुधाबायन आपणेंय आपल्या मनाचेर नक्कीच घेतल्यांत. आदर्श अर्धांगीनीक तें चुकना आनी जांचें पुराय जिवीत म्हळ्यार एक प्रेमगीत जावन आसता तांकां तर चुकच ना.

सुधाबाय गेलें. आमच्या काळजांत घराबो करून गेलें. वतना मंद मंद ल्हवपीक पावलांनी गेलें. तीं वाजलींना जायत, पूण आमोणकार घराण्यांतल्या ह्या हसतमुख दांपत्याकडेन जांचो थोडोभोव काय जायना संपर्क आयलो तांकां हीं मंद मंद वाजत गेल्लीं पांयजणां नक्कीच आयकूंक आयल्यांत आनी मौन पडलें सगळ्या राना, शिरशिरून थांबलीं पानां हाचीय प्रचिती आयल्या हातूंत दुबाव ना.

■

– दिलीप बोरकार

प्रत्येकाच्या घरांत जाय अशीं बिम्ब प्रकाशनाचीं दोन नवीं पुस्तकां

बिम्ब
प्रकाशन

हा खरा तर एका कुटुंबाचा जिवन प्रवास आहे. ह्या मनोहारी प्रवासातले सगळे आयाम लेखकानं अप्रतिम टिपले आहेत. यात थोडीशी अडचण आहे ती, खुद्द लेखकही अधिक आदर्शवादी झाला आहे. तरी सुरवाती पासून शेवट पर्यंत एक धागाही हातातून सोडून न देता सगळं लेखणीच्या अवाक्यात घेणं हे दिव्य लेखक लिलया पार पाडतो. ४१० पानांच्या या कादंबरीत कुठेच कथासूत्र हातातून सुटत नाही.

– महाबळेश्वर सैल

आर. रामनाथ आपलें अणभवसुत्र कांय प्रतिमा वापरून गुंथता. तातुंतल्यो दोन म्हत्वाच्यो प्रतिमा म्हळ्यार काळोख आनी उजवाड. रामनाथाचे कवितेक एक प्रायोगिक मुल्य आसा. कवितेचो आशय तिच्या भायल्या दृष्य रुपांतल्यान व्यक्त करपाक जाता. सूख-दुख, काळोख-उजवाड, जल्म-मर्ण हे रामनाथाचे कवितेचे वादी आनी संवादी सूर. ह्या दोन सुरांच्या सुसंवादांतल्यान तांचे कवितेची बंदिश घट्ट विणीची जाल्या.

– माधव बोरकार

तेफळां

निमणो दीस

- रुपा कोसंबे.

कांय टिचरांनी तर हांच्या खांद्दार हात दवरून फोटोक पोज दिल्ली. हें पळोवन मात म्हाका ताचो खूब्ब दुस्वास दिसलो. कारण आमच्या शिक्षकांकडेन आमी केन्नाच इतलीं खेळीमेळीन वागूंक नाशिल्लीं. शिक्षकांक आमचे बद्दल प्रेम-माया आशिल्ली. पूण तातूंतय एक जरब कशी, आदरमिश्रीत भंय कसो आशिल्लो. एका भुरग्यान तर आपल्या धव्याफुल्ल युनिफॉर्माचेर सगळ्या भुरग्यांच्यो सायनी घेवन तो वयर धरून फोटो काडून घेतिल्लो.

ते दिसा शाळेंतल्यान येनाफुडेंच पांयांतले बूट कश्यायकशे भिरकटावन उडोवन धाकट्यान म्हाका घट्ट वेंग मारली आनी म्हाका कांयच उलोवपाक दिनासातना तें हुंडकेवन हुंडकेवन रडपाक लागलें. खरें म्हळ्यार ताचें हें वागणें म्हाका अपेक्षितच आशिल्लें. ताणें अशें करिनाशिल्लें जाल्यार म्हज्या काळजाक खंय तरी वायट दिसपाचें. म्हणूनच सकाळचें इश्कोलाक वतनाच हांवें ताका फकाणांनीच शिटकायिल्लें. 'आगो आज तुजो लास्ट दीस. व्हडलोसो लेंस घेवनच वच वतनां.' जाल्यार 'तुका कितें दिसलें? आमी रडटलीं? शालेय जीण सोंपली मगे आमची. आमी आतां व्हडलीं जालीं, फ्री बर्ड. रडप आनी कित्याक पिश्यांबशेन?' म्हण म्हजेर मुक्ताफळां उडोवन तें वचपाक गेल्लें.

येदेशें आसतना ताका शाळेंत व्हरून पावयतनाची म्हाका याद जाली. व्हारांदार पावतनाच म्हज्या हाताक करकचून म्हणटात तशें घट्ट धरून दोळे तांबडेच करून म्हजेकडेन बाबडें कशें पळयतालें आनी मागीर हांव ताच्या म्हऱ्यांत दिमयो घालून बसून ताका समजायतालें, 'आगो, हांव शाळे भायरच आसां. वच तूं भितर, शाळा सोडटगीर रोखडेंच घरा वचपाचें.' एकदाचें तें भितर गेलें म्हणटगीर मागीर परतपरत हांव भायर आसां कांय ना हाची खात्री करतां करतांच ताचें लक्ष शाळेंत एकदांचें गुंतलें म्हणटगीर हांव थंयच्यान कडसरतालें. कालपयर पसून इश्कोलांत तुवेंच पावोवपाक जाय, रिझल्टाकय तुवेंच येवपाक जाय म्हण हट्ट करपी तें येदें व्हडलें जावन शालेय जिणेक रामराम करपाच्या इस्तादार पावलें, पत्तोच लागलो ना.

आनी आतां इतलीं कोरडेपणां? शाळा सोडटना दुखचेंना ताका! म्हणूनच बी म्हणटात काय, आतांचे पिळगेक असंवेदनशील? हांव एकेकडे अस्वस्थ जावन विचार करतालें आनी दुसरेवटेन म्हजीं सदचीं कामां हातावेगळीं करतालें आनी हें येवचे येवन म्हज्या गळ्याक हात घालून 'आयच्यान खऱ्यानीच सोंपलें म्हजें इश्कोल' म्हण दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवयतालें. म्हज्याय दोळ्यांतल्यान झरझरीत दुकां व्हांवपाक लागलीं. नाजाल्यार प्रिलीम जातगीर स्वारी हवेंतच उडटाली. पयलीं पिकनीक म्हण, मागीर पूजा आनी मास म्हण आनी आतां सेन्ड ऑफ म्हण. प्रत्येक दिसाखातीर वेगवेगळो ड्रेस, ताचेर मॅचिंग ॲक्सेसरीज हातूंतच गुल्ल जाल्ल्यान शाळा आतां सोडपाची आसा हाचो खेद मानीनासतना सगळी घाई-गडबड चलिल्ली. सगळें यथासांग पार पडटगीर निमणें दिसाकय इतले बेफिकिरीन इश्कोलांत वतना हांव ताका अजापान पळयत रावलें. म्हाका तिशेक वर्सां पयलींचो म्हज्या शाळेंतलो निमणो दीस याद जालो. घडये आतांचे बशेन तेन्ना आधुनिक साधनां नाशिल्ल्यान आमी त्या वयार अपरिपक्व आशिल्लीं आसपाक जाय. आतांच्या भुरग्यांक मनरिजवणे बरोबरच जायतीं ज्ञान संपादन करपाचीं साधनां उपलब्ध जाल्यांत. वैज्ञानीक मळार नवेनवे सोद लागत आसात. ते खातीरच भुरगीं सर्वांगान परिपूर्ण जाव आत्मविश्वासान पावल घालतात. त्या मान आमचें जग सामकेंच सिमीत आशिल्लें. शाळ घर, गांव इतल्योच कितें म्हणटात त्यो आमच्च सीमारेशा. देखूनच आत्मविश्वासाचें बळ आमच्यांत कमी आशिल्लें म्हणून आम आमच्या मनाक एखाद्रीं बांद घालपाक शकलीं आसत. कितेंय आसूं, पूण आतांच्या भुरग्यां रसायनच वेगळें म्हण हांवें म्हज्या मनाची समजू घाली.

माध्यमिक शाळेंतल्या भुरग्यांचो आनी टिचरांचो वांगड लागलागीं स वर्सांचो. आमच्य वेळार चवथी जावन शाळा सोडटना मनाव कितें वायट दिशिल्लें कांय याद जायना आनी धाकली शाळा सोडून व्हडले शाळेंत वतली ह्या म्होंवाच्या बोटामुखारय मन तितलें विरुस जाल्लें नाशिल्लें आसूंये! तें वयय तशेंच आशिल्लें. जाण्टचांनी कितें सांगता ते आयकुवपाचें. म्हणटगीर तीं कितें सांगतात, ती खंयचे शाळेंत घालतात थंय वचपाचें.

पांचवेक प्रवेश घेतगीर येदी व्हडली शाळा, आतांचे भाशेंत इश्कोल, लागींच्या गांवांतल्या शाळेंतल्यान आयिल्लीं कितलींशींच भुरगीं. प्रत्येक यत्तेखातीर वेगळोवेगळो वर्ग आनी मुखेल म्हळ्यार दर एक विशय शिकोवपाक वेगवेगळे टिचर हाचें भरपूर दडपण आयिल्लें. कारण चवथीमेरेन एकेच कुडींत चारूय वर्ग, आलटून-पालटून भुरग्यांक शिकोवपी एक मास्तर नाजाल्यार बाई. बांक आसले जाल्यार बसलीं बांकार, नाजाल्यार जमनीर पातलायिल्ल्या जमखानाचेर बसून आमचें शिकप जाल्लें. म्हणटगीर व्हडले शाळेंत वतगीर जात्रेंतल्या वाट चुकिल्ल्या भुरग्यांभशेन आमच्या बालमनाची अवस्था जाल्ली. सगळीं भांबाविल्ल्याबशेन!

पूण म्हयनोभरच. रोखडेंच सगळ्या शिक्षकांनी बेसबरें सांबाळून घेतलें. आनी ही व्हडली शाळा म्हळ्यार लेगीत एक दुसरें घरच हाची जाणविकाय जाली. विंगडविंगड शाळांतल्यान आयिल्ल्या भुरग्यांबरोबरय तो मेरेन इश्टागत जाली आनी शाळेंतलो वेळ कसो पासार जाता तोच कळना जालो.

सरस्वती पूजन, गॅदरींग, स्पर्धा, खेळ तशेंच परिक्षा हांच्या बोवाळांत पांच वर्सां सोंपून धाव्वेक केन्ना पावलीं तें कळ्ळें पसून ना. पूण तो मेरेन आमचो वर्ग म्हळ्यार आमचें एक कुटूंब जाल्लें. कोणाकय एकल्याक शिक्षा जाली जाल्यार सगळ्यांक वायट दिसतालें, आनी कोणेंय शाळेखातीर जोडून हाडिल्लें यश दर एकल्याक आपलेंच कशें दिसतालें. तातूंतच तिमाही, समाही जावन प्रिलीम लागीं येता तशीं मात मनांत खूबच स्थित्यंतरा येवपाक लागलीं. एकेवटेन वाडटे वयानुसार घडटाले ते मानसीक, शाररीक बदल, सगळीच उलथापालथ कशी आनी तेच मनस्थितींत आयिल्लो शाळेक सासणाचो निरोप दिवपाचो अप्रिय दीस. आतां पासून याद जाता ह्या सगळ्या वर्सांतले एकमेकांबरोबर सारिल्ले कांय खीण. फुडें केन्नाय जितेजिवे करचेखातीर व्हेल्ली एक डायरी. ते डायरेचेर सगळ्या शिक्षकांचे आनी एकामेकांचे संदेश घेवपाखातीर केल्ली खेटाखेट. दर एका शिक्षकान, ग्रंथपालान आनी प्युनान लेगीत दिल्ले शब्दरुपी आशिर्वाद. तेन्ना फ्रेंड ही संकल्पना आतांच्या इतली रिगूंक नाशिल्ल्यान दर भुरग्यान तर डीयर ब्रदर, डीयर सिस्टर अशीं सॅल्युटेशनां वापरूंक एकामेकांक बरयिल्लो ल्हानश्याच दोन-चार वळींचो संदेश. ताचेनंतर जाल्लें दर शिक्षकाचें फुडल्या यशस्वी वाटचाली खातीर मार्गदर्शनपर भाशण आनी भुरग्यांचें अणभवकथन. एकेवटेन दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवतालीं पूण तो दीस सोंपून सोंपूनये कसो दिसतालो. एकमेकांक हात दितना तर कळत नकळत जाल्ल्या चुकांची कबुलीजबाबय दिवन जाल्लो आनी दोळे-नाक तांबडेच करून जड अंतस्करणान घरा आयिल्लो तो दीस अजूनय दोळ्यां मुखार येतालो.

बारावी जावन परतय इश्कोल सोडटना दुख्ख जाणवलें तें तितल्या प्रकर्शान न्हय. पूण धावेचो

निरोप समारंभ हो सगळ्यांत चड मनाचेर कोरून उल्लो. फुडें बोर्डाची परिक्षा आसा हें पसून विसरपाक लावपा इतलें मन थोडे दीस अस्वस्थच उरिल्लें.

हांवें ल्हवच धाकट्याचेर नदर मारली. तर हें सॅन्ड ऑफाचे कॅमेऱ्यावयले फोटो, कॉर्ड कनेक्ट करून टिव्हीचेर पळोवपाक गूंग जालां. हांवेंय थंय वचून फतकल मारली. कितलेशेट फोटो, थोडेकडेन व्हिडीओ लेगीत. कांय टिचरांनी तर हांच्या खांदार हात दवरून फोटोक पोज दिल्ली. हें पळोवन मात म्हाका ताचो खूब्ब दुस्वास दिसलो. कारण आमच्या शिक्षकांकडेन आमी केन्नाच इतलीं खेळीमेळीन वागूंक नाशिल्लीं. शिक्षकांक आमचे बद्दल प्रेम-माया आशिल्ली. पूण तातूंतय एक जरब कशी, आदरमिश्रीत भंय कसो आशिल्लो. एका भुरग्यान तर आपल्या धव्याफुल्ल युनिफॉर्माचेर सगळ्या भुरग्यांच्यो सायनी घेवन तो वयर धरून फोटो काडून घेतिल्लो. तो फोटो पळोवन म्हाका याद जाली, दर वर्साक वार्शीक परिक्षेचो निकाल जालो म्हणटगीर एकामेकांचेर पेनांतलें तींत फाफडून आमी निळ्या निळ्या रंगान घरा येतालीं. एक कशिल्ल्या फोटोग्राफरावरी शाळेचे, वर्गाचे, वण्टीर आशिल्ल्या टायमटेबलाचे आनी वर्गांतल्या दर एका भुरग्याचे, शिक्षकांचे फोटे तातूंत आशिल्ले. त्या दिसांतले दर एक खीण ताणें आपल्या कॅमेऱ्यांत कैद केल्ले. मनांत आयलें, कितली नशिबवान पिळगी ही! केन्नाय फुडाराक जाय तेन्ना, याद येता तेन्ना, ते खीण अणभवचेशे दिसता तेन्ना हांकां हे फोटे सांगात करतले.

नाजाल्यार आमकां शिकयिल्ले ते कांय शिक्षक, वर्गांतले थोडे भुरगे लेगीत काळाच्या पडद्या आड गेल्यात. तांचे तोंडावळे खंयतरी काळजांत आसात पूण धुसरशे... दोळे एकदम, भरून आयले.

'मां, मां म्हजो ओटोग्राफ बूक पळय' म्हण ताणें आपली रंगरंगयाळी सोबीत डायरी फुडें केली. एकामेकांक यश आवंडेतनाच, एकमेकां बद्दलच्या गुणा-अवगुणांचें थोडेभितर विवरणय आशिल्लें. एकामेकांक सोडचे पडटा ताचेखातीर खेद आशिल्लो. फुडे खंयच्याय वळणार एकमेकांक मेळटलीं अशी आस्त आशिल्ली. फुडल्या जबाबदारीची जाणीवय आशिल्ली. कसलोच आडपडदो दवरिनासतना सगळें स्पश्टपणान बरयिल्लें.

आपूण बिनधास्त म्हण दाखोंव मागीर. पूण संवेदनशीलतेचो अभाव नाशिल्लो. निरागस मैत्री तातुंतल्यान जाणवताली. मन आश्वस्त जालें तरी पसून हालींच दिसाळ्याचेर वाचिल्ले ते भयंकर गजालीची पर्थून याद आयली. गोंयांतल्याच एका स्कुलांत आपले परस परिक्षेक चड मार्क पडटात ह्या कारणाक लागून विरूस जाल्ल्या एका चल्यान आपल्याच वर्गांतले एके चलयेच्या उदकाचे बाटलेंत मदले सुटयेवेळार रॅटोल घालें. तें उदक पिवून ते विद्यार्थिनीक अस्वस्थ दिशिल्ल्यान हॉस्पीटलांत ॲडमीट करचें पडलें. ते खातीर त्या विद्यार्थ्याक स्कुलांतल्यान निलंबीत केलोच. पूण णववेक शिकपी भुरग्यांचें मन आपल्याच वांगड्यां खातीर इतलें कलुशीत आसपाक शकता? प्रार्थने वेळार सदां शाळेंत घेतात तो सोपूत फकत फॉर्मेलिटी खातीर? कांय भुरग्यांचेर संस्कार करपाक, तांकां समजून घेवपाक, तांकां आकार दिवपाक आमीच खंयतरी कमी पडटात ह्या कितल्याशाच विचारांनी मन खदोळ जालें.

■

– रुपा कोसंबे
व्हडलें भाट, ताळगांव. मो. ९४०४९१४४३७

कथा

लाईफ इज ब्युटीफुल!!!

- हर्षा शेट्ये

सात वर्सांनी सुटलो तो सुटलो. परतो हॉस्पिटलांत येवन कोण ना सो पळोवन सुनीताक सकयल उडोवन गेलो. आतां नांव बदलून सुण्या कास्ताचो खंय तरी रावता खंय. ताच्या म्हेळ्या करणेची ख्यास्त बाबडें सुनीता भोगता. देव पळयतलो ताका. किडे पडून आंग कुसून मरतलो तो.

सकाळसावन मॅट्रन मार्था डिसूजाचो जीव थाऱ्यार ना. आज तिचे इश्टिणीच्या सुनिताचे केसीचो निकाल जावपाचो आसा. सुनिता जिच्या जिण्यामरणाचो निकाल आसा तें मात फाटलीं ३२ वर्सां हॉस्पिटलाचे खाटीर एके कडेन पडून आसा. हॉस्पीटलाचे ॲडमिनीस्ट्रेशन ऑफिसर, नर्सी गीता आनी शायनी केशीचो निकाल आयकुपाक कोर्टांत गेल्यांत. मार्थाच्या हातांत मोबायल आसा. इतलो वेळ कित्याक काय? आज हियरिंग बी कांय ना. फक्त कोर्ट आपलो निर्णय सांगपाचो आसा. सुनितान जगचें काय मरचें हें त्या निर्णयाचेर अवलंबून आसा. ३२ वर्सां पयलीं त्या सैतानान महेंदरान ताचेर हल्लो करून ताका हे अवस्थेंत हाडून उडयलें. आतां आनी कितें जातलें काय? ती सायबीण मांय एकटी जाणा. सुनिताक आमी इतलीं वर्सां सांबाळटात. आतांच त्या सोशलवर्कर ॲड. साक्षी शाहचे तकलेंत तिका मर्सी किलिंग दिवचें म्हुण कित्याक आयलें? येवजून येवजून मार्थाची तकली सणसणटा. तें गीताक एस्एम्एस् करता.

'वॉट हॅपन्ड? प्लीज इनफॉर्म'.

रोखडोच गीताचो रिप्लाय येता. 'इन प्रोसेस'.

अजून प्रोसीडींग सोंपना. जज्जान कितें येवजिलां काय? सुनिताची कॅर घेवप ही आमची रिस्पोन्सिबिलीटी. फाटलीं ३२ वर्सां आमी ताची बरे तरेन कुयदाद घेता आसतना ते सोशल वर्कर बायलेक सुनिताक दयामरण दिवचें म्हुण कित्याक सुप्रीम कोर्टान अपील करन दिसलें. दया मरण दिवचें, पूण तें कोणाक? फाटीक बेड सोर्स जावन कितलीं वर्सां हातरूणार आसता त्या मनशाक. पळोवपाक कोण ना म्हुण गुवा मुतांत लोळचें पडटा त्या मनशाक. सुनिताक आमी निवळ दवरतात. परती परती ताची कूस बदलतात. आपुलकेन ताची जतनाय घेतात. अशें आसतना....

'एस्क्युज मी सिस्टर.'

मार्थान तकली वयर काडली. मुखार स्काय ब्लू कलरची साडी नेशिल्ली लांबशी, गोरशी, सुंदरशी बायल उबी आशिल्ली.

''सिस्टर, सिस्टर डॉ. फिरोज पारीख कहाँ मिलेंगे?''

''कॉरीडोरसे सिधे चली जाना. रायट सायड में उनका कॅबीन हैं।''

''थँक्यू सिस्टर.'' म्हणत ती गेली. मार्था तिका फाटल्यान पळयत रावलें. ताका तिच्या जाग्यार सुनिताच दिसपाक लागलें. लांबश्या बारीक आंगलोटाचें. स्काय ब्लू तर ताचो फॅवरेट कलर. साडयेचे बॉर्डरीचेर फुलांफुलांनी भरिल्लो डिजायन आशिल्लो. सुनिताकूय एम्ब्रोयडरी करपाक खूब आवडटालें. ताणें आपल्या स्काय ब्लू कलरचे वुली साडयेचेर सुंदर एम्ब्रोयडरी केल्ली. फुग्या हातांचो ब्लावज घालपाक ताका खूब आवडटालें. ताची स्किन बरी तिकतिकीत आशिल्ली. कसल्याय कोराची साडी ताका सोबताली. आंगाक लावपाक तें चंद्रिका सोप वापरतालें. ताका त्याच साबणाचो वास आवडटालो. म्हणून हॉस्पीटलाच्यो नर्सी सुनिताक न्हांणयतना आजूय चंद्रिकाच शा वापरतात. ताचे कांपिल्ले केंस...

''सिस्टर सिस्टर, मेरे बेटे के पेट में बहु दर्द हो रहा है। जल्दी आओ सिस्टर.''

१० नंबर कॉटवाल्याची आवय धांवत धांव आयली आनी मेट्रन मार्थाची तंद्री भंगली. त तिचे बराबर वॉर्ड नंबर ५त गेली. थोड्या वेळान त्या भुरग्याचें ॲपेन्डीक्सचें ऑपरेशन करपाचे आशिल्लें. तिणें ताका पेनकिलरचें इंजेक्शन दिलें आनी सिस्टर विनिताक ताका ओ.टी.त व्हरपा खातीर तयार करपाक सांगलें.

येतना वाटेर सुनिताची रूम लागली. फाटली ३० वर्सां तें ह्याच रूमांत आसा. मार्थान दार धुकल्लें. कॉटीचेर ५७ वर्सांच्या सुनिताचे कुडीची पोटली आशिल्ली. हातापायांच्यो बडयो जाल्यात, दोनूय हातांचीं बोटां भितरले वटेन दोडल्यांत. दादल्याभशेन बारीक केल्ले अस्ताव्यस्त केंस, तोंड उगडें, किडिल्ले दांत, धा म्हयन्याच्या भुरग्यायेदो चेरो, ताचेर कांयच भावना ना. दोळे उगडे. पूण दोळ्यांनी कांय दिसना. मॅट्रन मार्था ताका सदांच पळयता. पूण आज तिच्यान सोसूंक जायना. तिच्या दोळ्यांत दुकां येतात. ती भायर येता.

मुखावयल्या कॉरीडॉरांतल्यान डॉ.गौतम दुबे आनी सिस्टर अल्पा देसाई हांसत हांसत येतालीं. दोगांयची जोडी बरी दिसताली. हांचें जमलां बी जाल्यार जोडो बरो सोबतलो न्हय. मॅट्रन मार्थाच्या मनांत येता. तिका स्टाफ नर्स सुनिता प्रभु आनी डॉ. हेमंत केणी हांची जोडी दोळ्यांमुखार येता. सुनिता कुमटाचें, डॉ. हेमंत कुंकळेचो. सावरकट्ट्यावयलो. एम.डी. करतालो. सिस्टर मार्था साळगांवची. मार्थाली आवय कुंकळेची. सावरकट्ट्यावयली. ते खातीर तांची बरी वळख

आशिल्ली. डॉ. हेमंत दिसपाक सामको हिरो कसो. ताचेर थंयच्यो नर्सी बी मनांतल्या मनांत मरताल्यो. अशेंच केन्नातरी रावंडार आसतना डॉ. हेमंतान सुनिताक प्रोपोज केल्लें आनी मार्था फाटीक लागलें म्हुण तांकां पार्टीय दिल्ली.

मार्थाक तो दीस याद जाता. मार्था, सुनिताची रूममेट सिस्टर मीना आनी सिस्टर लता. मार्थान तांचीं फकांणां केल्लीं ''काजार केन्ना जातात रे? गोंयांत काय मुंबय जातात?''

''ना गो मार्था, पयलीं एम. डी. कंप्लीट करतां. मागीर क्लिनिक उगडटां. फ्लॅट बूक करपाक जाय. इतल्या बेगीन काजार खंयचें?''

तें आयकून सुनिताचें तोंड पडलें. तरीय सुनिता उलयलें, ''तशे न्हय डॉ. हेमंत. म्हागेली सेव्हींग्स आस्स. हांवूय कमयतां. मागीर लग्न जावच्याक कस्सलें प्रोब्लेम आस्स?''

''तें पळोवया मागीर, आतां जेवपाक आयल्यांत तीं पयलीं जेवया.'' डॉ. हेमंतान म्हळें.

सुनितान आपलें मायन्ड फर्म केल्लें. ताणें आपलें म्हणणें डॉ. हेमंताक पटोवन दिलें आनी काजार जावपाक रेडी केलो. त्या दिसा तें धांवत म्हजे लागीं आयलें. हांव वार्ड नं ५ त आशिल्लें. कितलें हॅपी दिसतालें तें.

''मार्था, मार्था आमी लग्न जातात गो. जानेवारी म्हयन्यांतल्या लास्ट विकांत. सादोच समारंभ. ज्यादा खर्च करप ना. बरें हांव अक्का घरां वतां. तिणें सांगिल्लें. आज मगेल्या पसंदीचें निस्त्या आंबट करतां म्हूण जेवच्या यो म्हूण.''

सुनिताची भयण थंय लागसरच अर्द वराचे वाटेर रावताली. निस्त्या कडयेची याद येतकीच तें थंय जेवपाक वतालें. निस्त्या कडी ताच्या सामकी घोस्ताची. ताचीच कित्याक म्हज्याय घोस्ताची. आज कितें जालां काय म्हाकां, पोरण्यो यादी परत्यो परत्यो कित्याक येतात? कितें जालो काय जजमेंट? सुनिताक दयामरण दिवचें म्हुण? आतां आमी कित्याक ताका मारून उडोवपाचें? तें मरपा आसलें जाल्यार तेच राती बेसमेंटांत मरपाचें. कित्याक म्हुण ताची ड्युटी त्या बेसमेंटांतल्या रिसर्च लॅबांत जाली काय? नाजाल्यार तें हॉस्टेल सोडून भयणीगेर रावपाक वचचें नासलें. आतां ताका नायट शिफ्ट नासताली. साडेपाच वरांचेर ड्युटी सोंपताली.

काजरापयलींचो एक म्हयनो भयणीगेर भयणी वांगडा, भाचरां वांगडा घालोवया म्हुण तें भयणीगेर रावूंक गेलें. रिसर्च रूमांभितर पोरण्यो फायली दरवपाची एक स्टोअर रूम आशिल्ली. थंयच सुनिता आनी दुसरी नर्स कपडे चेंज करतालीं. मागीर लॅबाचीं दारां लॉक करून वतालीं. सेकंड फ्लोअरावयली नर्स कॉमन रूमांत येवपाक वाजेताली.

ज्युस्तूच त्या घातकी दिसा दुसरी नर्स नाशिल्ली म्हुण त्या पाड्या महेंदरान ताचो घात घेतलो. मेल्लो वखदां चोरून व्हरतालो. सुनितान ताका दोनवेळां धरिल्लो आनी वॉर्निंग दिवन सोडून दिल्लो. कोणाक खबर तो ताची जीण काबार करतलो म्हणून? त्या दिसा सकाळी ड्युटीक वचचे पयलीं तें म्हाका मेळपाक आयिल्लें. पिंक कलरचीं निळीं फुलां आशिल्ली नायलॉन साडी आनी ताचेर पिंक कलरचो स्लिवलेस ब्लाउज. ती साडी आनी तें ब्लाऊज ताच्या आंगलोटाक सूट जातालो.

''हे मार्था, मॅटीनीक बॉबी पिक्चर चलता मगो. संडे तुका ऑफ आस्स. पळोवच्या या मग्गो?''

''कितें गो सुनिता? डॉ. हेमंताक सोडून तूं म्हज्या वांगडा....?''

''तो एम.डी.चो अभ्यास करता म्हणतगी, ताका कसलें येवच्या मेळता. आमी या सदचेवरी.'' ती म्हजी आनी ताची जितेपणाची निमाणी भेट.

दुसरे दिसा सकाळीफुडें हॉस्पीटलांत बोवाळ-स्टाफ नर्स सुनिता प्रभूचेर हल्लो जालो म्हुण. कोणेंतरी ताचो गळो चिड्डीलो आनी ताचेर रेप करपाचोय यत्न जालो म्हुण! संबंध रात तें रगताच्या कोंडांत बेसमेंटांत पडून आशिल्लें. सकाळीं ड्युटीचेर आयिल्ले नर्सीन ताका पळयलें आनी बोवाळ केलो. तेन्नासावन सुनिता तशेंच आसा आनी तो पाडो महेंदर फक्त सात वर्सां जेलींत रावन सुटलो. रेप करून लेगीत ताणें रेप केलो म्हुण कोणें कम्प्लेन केली ना, कित्याक तर ताचो मेडिकल रिपोर्ट सांगतालो, 'हायमेन इनटॅक्ट, नो व्हजायनल पेनीट्रेशन.' त्या दुकरान ॲनल रेप केल्लो, सुनिताचो मंथली पिरियड चलतालो म्हुण.

सात वर्सांनी सुटलो तो सुटलो. परतो हॉस्पिटलांत येवन कोण ना सो पळोवन सुनिताक सकयल उडोवन गेलो. आतां नांव बदलून सुण्या कास्ताचो खंय तरी रावता खंय! ताच्या म्हेळ्या करणेची ख्यास्त बाबडें सुनिता भोगता. देव पळयतलो ताका. किडे पडून आंग कुसून मरतलो तो.

मॅट्रन मार्थाक भितरल्यान किंवाटो येता. आतां महेंदर जर ताच्या मुखार आयिल्लो जाल्यार तें खोटांनीं माड्डयतलें आशिल्लें ताका.

ट्रिंग... ट्रिंग... ट्रिंग... मॅट्रन मार्थाचो मोबायल वाजता. मोबायल स्क्रिनाचेर सिस्टर गीता कॉलींग म्हुण येत आसा.

काल ताका अमेरिकेसावन डॉ. हेमंत केणयाचो फोन आयिल्लो. चार वर्सां तो सुनिता बरें जावपाची वाट पळयत राविल्लो. ह्या चार वर्सांच्या काळांत तार्णेय बी खूब सोशिल्लें. सद्दां येवन सुनिता म्हऱ्यांत बसप, ताचो हात हातांत घेवन ताचेकडेन खबरो करप, संबंध दीस आपणें कितें कितें केलें तें ताका सांगप. निमाणें तो लग्न जावन अमेरिकेक गेलो. वतना मार्थाक मेळपाक आयिल्लो.

'मार्था हांव वतां, परतो आनी हांव हांगा ह्या हॉस्पिटलांत येवचो ना. सुनिताच्या रगताचीं मनशां घेवचीनात इतली कॅर तुमी घेतात. हांव तुका मर्दी मर्दी फोन करतां.' डॉ. हेमंताचे दोळे दुकांनी भरिल्ले. मागीर म्हयन्यान, तीन तीन म्हयन्यांनी ताचो फोन येतालो. ह्या वर्सा खूब वेळां आयलो. ताकाय बी सुनिताक मर्सी किलिंग दिवपाक नाका. तो म्हणटा, सुनिताची व्हिल पावर सामकी स्ट्राँग. म्हणून तर तें रातभर ब्रेनाक ऑक्सीजन पावनासतना लेगीत बेसमेंटांत जिवें उरलें.

खरेंच ताचें. तें कितें वेंटीलेटराचेर ना. तें आपले आपूण श्वास घेता. कितें खावयता तें आवडीचें आसल्यार खाता. सांबारांत मुड्डोवन दिल्ली इडली आवडीन खाता. ताचे मागीर ब्रेड खावयलो जाल्यार तोंडांतल्यान भायर काडटा. परती इडली खावयतकीच ती खाता. निस्त्या कडयेन कालयल्ल्या शिताची उंडी खाता, जाल्यार दाळीन कालयल्लें शीत तोंडांतल्यान भायर काडटा. म्हळ्यार ताका रूच कळटा. आवडीचें खावपाक ताका आवडटा. अशें आसतना ताचें जेवणखाण बंद करून आमी ताका दयामरण दिवपाचें? ना केन्नाच ना. हांव जिवीं आसा म्हणसर तरी हांव तशें केन्नाच करूंक दिवचें ना. त्या सोशल वर्कर ॲड. साक्षी शाहक कितें जाता सांगपाक, ताका मर्सी किलिंग दिवन ताची सुटका करूया म्हुण! ती कांय सुनिताची सेवा करिना. सुनिताचे जिणेक कांय अर्थ ना अशें म्हणून आमी ताका मारून उडोवपाचें? सिस्टर मार्था आपलेच तंद्रेंत आसा.

''मॅट्रन मॅट्रन.... कॉंग्रेट्स. व्ही वॉन. साक्षी शाहास पिटिशन डिसमिस्ड.'' ज्युनियर नर्स स्वाती धांपेत खरशेत सांगताली. ''सिस्टर ब्रेकिंग न्यूज.'' सिस्टर स्वाती ओडीतच म्हणटा तशी मार्थाक हाताक धरून वेटींग रूमांत घेवन गेली. टीव्हीचेर ब्रेकींग न्यूज चलताली. डिसेंबर १९७९ त वॉर्ड बॉय महेंदरान म्युनिसिपल हॉस्पिटलांत स्टाफ नर्स सुनिता प्रभूचेर हल्लो केल्लो. तिचो गळो आंवळिल्लो. ते खातीर मेंदूक जावपाचो ऑक्सिजन पुरवठो बंद पडलो. तेन्ना सावन ती सॅमो कोमाटीज स्थितींत आसा. तिका दोळ्यांनी दिसना. फाटलीं ३२ वर्सां ती तशीच आसा. तिका दयामरण दिवचें असो अर्ज सोशलवर्कर ॲड. साक्षी शाहन केल्लो. आज हे केसीचो निकाल जालो. हो अर्ज न्यायालयान न्हयकारलो. कित्याक तर ती सुनिता प्रभूल्या नात्यांतली न्हय म्हणून. तिका हो अर्ज करपाचो अधिकार ना. तेच बरोबर मुंबय म्युनिसीपाल्टी हॉस्पिटलाच्या कर्मचाऱ्यांनी इतलीं वर्सां सुनिताची निरपेक्षपणान सेवा केल्ले खातीर तांची तोखणाय केली. सुनिताचे बाबतीत दयामरणाखातीर अर्ज करपाचो अधिकार फक्त सुनिताच्या ह्या घराब्याक म्हळ्यार हॉस्पिटलाक दिला. सुनिता प्रभूच्या निमतान दयामरणाचो प्रस्न फुडें आयला. दयामरण दिवचें काय दिवचें न्हय? भारतीय समाजमन दयामरणाक तयार जातलें व्हय? अश्या प्रश्नाचेर सद्या भारतांत चर्चा चल्ल्या. पळयात ह्या संबंदान कांय जाणांचे विचार...

मॅट्रन मार्था आनी फुडलें आयकुवपाक रावली ना. ती तडक सुनिताच्या रूमांत धांवत सुटली. रुमांत वचून तिणें सुनिताचो हात हातांत घेतलो. ''सुनिता तुजें मर्सी किलिंगाचो ॲप्लीकेशन आज जज्जान भायर मारलें. आमी तुका सांबाळटलीं. तूं इतलीं वर्सां नशिबाकडेन झगडत आसा. कोणूय पिडेस्त आपल्याक जावपी पिडा सोंसपाक जायना म्हुण सांगता तेन्ना आमी ताका तुजी देख दितात. तूं आमची प्रेरणा. तुका जावपी त्रास सोंसूं जायना तेन्ना तूं किंळच्यो मारता. तितलेंच तुज्या मेंदवाक कळटा. पूण तुजे आवडीचीं पदां लायलीं म्हणटकीच तूं शांत जाता.....''

फां फां करून ही खबर हॉस्पीटलभर पातळ्ळी. नर्सी, डॉक्टर्स, स्टाफ एकमेकांक हात दिवन, वेंग मारून अभिनंदन करूंक लागलीं. एकमेकांक पेढे खावोवपाक लागलीं. मॅट्रन मार्थाक सोदत नर्सी सुनिताच्या रूमांत पावल्यो. सिस्टर ॲनी केक घेवन आयिल्ली.

''कम ऑन एवरीबडी. लेट अस सेले सिस्टर सुनिताज रिबर्थ. लाईफ इज ब्युटीफु लेट अस् मेक इट मोर ब्युटीफुल'' आनी ति सुनिताच्या आवडीची फर्ज सिनेमांतल्या पदां सिडी घालून सिडी प्लेअर ऑन केलो.

मॅट्रन मार्थाच्या मनांत आयलें सिस्टर अ म्हळ्यार उत्साहाचो एक झरो, खळखळ हांसपी, वेवस्तीत रावपी, पेशंटाची हांसत्या तोंड सेवा करपी.... सिस्टर सुनिताचें दुसरें रू म्हळ्यार जाता... सिडी सुरू जाली... मॅट्र मार्थान केक कापलो....

बार बार दिन यह आये
यह मैरी है आरजू
हॅपी बर्थ् डे टू यू
हॅपी बर्थ् डे टू यू
हॅपी बर्थ् डे टू यू
हॅपी बर्थ् डे टू यू डियर सुनिता
हॅपी बर्थ् डे टू यू

मॅट्रन मार्थान केकीचो इल्लोसो कुडक सिस्टर सुनिताच्या तोंडांत घालो... पद सोंपलें... दुसरें पद सुरू जालें.

हम तो तेरे आशिक है सदियों पुराने
चाहे तू माने, चाहे ना माने
हम भी जमानेसे है तेरे दिवाने
चाहे तू माने, चाहे ना माने...

ट्रींग ट्रींग ट्रींग...मॅट्रन मार्थाचो मोबायल वाजतालो. आवाज बारीक दवरिल्ल्यान बोवाळांत कोणाक आयकूंक येनाशिल्लें. मोबायल स्क्रिनाचेर डॉ. हेमंत केणी कॉलिंग म्हुण येत राविल्लें.

■

– हर्षा शेटये,
कृष्णप्रेम, अंबाजी, फातोड्डें.
मो. : ९८५०५३०१५२

धवे वेळेचें शार

भोंवडी

रत्नागिरी

- सुचेता कामत पै

म्हाका प्रवास करपाक खूब आवडटा. तशेंच भुरग्यांक वांगडा घेवनय प्रवास आयोजीत करपाक आवडटा. अशेंच ह्या वेळार २६ भुरग्यांक एकठांय केलीं आनी आमी रत्नागिरीचो बेत केलो. दनपरां बारा वरांचेर वचपी संपर्क क्रांतीचीं तिकिटां घेतलीं आनी रत्नागिरी साडेतिनांक पावलीं.

रत्नागिरी, महाराष्ट्र कोंकण प्रदेशांतलो एक जिल्हो. उत्तरेक सावित्री न्हंयेपासून दक्षिणेक शुक न्हंये मेरेनचो रत्नागिरी जिल्हो. रत्नागिरी जिल्ह्यांत मंडणगड, दापोली, खेड, गुहागर, चिपळुण, रत्नागिरी, संगमेश्वर, लांजे आनी राजापुर अशे णव म्हाल आसात. सैमीक नदरेन रत्नागिरी जिल्ह्याचे तीन भाग पडटात.

१. सह्याद्री

२. वलाटी वा सड्याचो प्रदेश

३. खलाटी वा दर्यादेगेचो प्रदेश

रत्नागिरी जिल्ह्याची लोकसंख्या १५,३९,४१६ इतली आशिल्ली. तांदळाची भाकरी, भाजी, नुस्तें मुखेल अन्न. तें जेवतना चडशे कोकमाचें सार (कडी) घेतात. रोजगारा खातीर चडश्या लोकांचें स्थलांतर जालां.

म्हत्वाचीं थळां - पर्यटकांक भूल घालपी अशीं रमणीय थळां जिल्ह्यांत खूब आसात. तीं पळोवपाक पर्यटक रत्नागिरीक भेट दितात. गणपती पुळेची पर्यटन केंद्र म्हणून नामना आसा. रत्नागिरी जिल्ह्यांत हिंदू बरोबर मुसलमान सुध्दां आसात.

रत्नागिरी पावलीं. पयलीं वचून दैवज्ञ भवनांत राबितो केलो. थंयच्या कारेकर ह्या मनशान आमची बरी वेवस्था केली. सांजवेळार मांडवी दर्यावेळेर वचपाक भायर सरलीं. आमच्यो गोंयच्यो दर्यावेळो आनी थंयच्या दर्यावेळेंत खूब फरक जाणवलो. थंयची रेंब म्हाका धवीच दिसली. खंयच प्रदूशण ना अशें दिसलें. ह्या वेळार पर्यटकांची व्हडली गर्दी नाशिल्ली. थंयचो समुद्र खडपांच्या खांचीनी भरिल्लो दिश्टी पडलो. खडपांच्यो कितल्योशयोच कपारी थंय दिश्टी पडटाल्यो. कितलो तरी वेळ थंय बसून काडले. सात वरां जालीं तेन्ना परतलीं आनी जिजामाता उद्यान पळोवंक गेलीं. बाकीच्या बागेसारखीं नीट झाडां रोयिल्लीं. भुरग्यां खातीर खेळपाचीं साधनां आशिल्लीं अशी एक बाग आसा. झाडांच्यो कितल्यो तरी जाती हांगा पळोवपाक मेळ्ळ्यो. घरा परत आयलीं. मस्त मालवणी जेवणाचो आस्वाद घेतलो. भुरगीं खूब मजेंत आशिल्ली. रातचीं २-३ वरांचेर न्हिदूंक गेलीं.

दुसऱ्या दिसा आमकां २५ कि. मी.चेर आशिल्ल्या स्वयंभू गणपती पुळे मंदिराक भेट दिवपाची आशिल्ली.

आमी जेन्ना सकाळीं हांगा पावलीं तेन्ना व्हडली गर्दी नाशिल्ली. १० वरां जाल्लीं. देवाचो प्रसाद बारांक आसता अशें कळ्ळें. पूण आमकां वेळ नाशिल्लो म्हणून आमी बेगीबेगीन दर्शन घेतलें. दोन खीण देवाच्या दारांत उबीं रावलीं. हें देवूळ दर्यावेळेरूच आसा आनी भुरग्यांक तर उदकांत वचपाक आमी परवानगी दिवंक नाशिल्ली म्हुण ताणीं दुकानांनी वचून ल्हान व्हड खरेदी केली. आमीय थंय आशिल्ल्या नर्सरींतल्यान झाडां खरेदी केलीं. थंयच्यान उठून आमी 'प्राचीन कोंकण' ह्या स्थळाक भेट दिवपाक गेलीं. हांगा आमच्या महेद्र आल्वारीसान जशें Ancestral Goa स्थापन केलां तशेंच महाराष्ट्र सरकारान हांगा प्राचीन कोंकण ही कल्पना राबयल्या.

एका व्हडल्या रानांत ही वास्तू उबारल्या. हाची संकल्पना अशी आसा. महाराष्ट्रांतले बारा बलुतेदार हांगा दिसतात. तशेंच शिवाजी महाराज, खोतांची वाडी, वाघ, सिंह सारख्या जनावरांच्यो प्रतिकृती तयार केल्ल्यो आसात. हांगा प्रत्येक प्रसंग जिवो तट्टटीत कसो कलात्मक रितीन उबो केल्लो आसा त्या कलाकाराक खरेंच नमन. इतल्या व्हडल्या प्रकल्पाची जबाबदारी तशीच व्हडली आसतली! हांगा महाराष्ट्रांतले कांय पदार्थ 'झुणका भाकर, थालीपिठ, उकडीचे

मोदक, अळुवडी' अश्यो वस्तु विकत घेवन खावपाक मेळटात. म्हाका थंय आशिल्लो शंख शिंपल्यांचो म्युझियम पळोवंक मेळ्ळो. हांगा नाना तरांचे जातीचे ५०-६० तरांचे शंख शिंपले पळोवंक मेळटात. हांगा वाजपी शंख पळोवपाक मेळटात. मागीर आमी सगळ्यांनी ते वाजोवन पळयले. हांगा वेगवेगळीं माणकां, मोतयां, नुस्तीं सगळें प्रदर्शनांत पळोवंक मेळटा. भुरग्यांनी तर खूब गिरायक घातलें. शंख मोतयांच्यो माळो, कानांतलीं विकत घेतलीं. थंयच्यान जेवन आमी रत्नदुर्ग भगवती मंदिर पळोवंक गेलीं. हो किल्लो आकारान घोड्याच्या नालेसारखो दिसता. वयर देवीभगवतीचें मंदिर आसा. किल्ल्याचे अवशेश पळोवंक मेळटात. वयल्यान सगळो रत्नागिरीचो परिसर दिसता. कोंकण किनारपट्टी पळोवंक मेळटा. किल्ल्यांच्या एका कोनाडींत वचून हांवें बसका घेतली आनी सगळो परिसर दृश्टींत सांठोवपाचो प्रयत्न केलो. शब्दांनी वर्णन करपाक येना असो तो परिसर आशिल्लो. पयस समुद्रांत लाटांचेर स्वार जाल्लीं जहाजां, बोटी, ल्हान नुस्तेमारी मचवे, व्हडीं दिश्टी पडटाल्यो. थंयच्यान लायट हावस पळोवंक मेळ्ळें.

देवी भगवती नवसाक पावता अशें म्हणटात. सांजेच्या ६ वरांचेर किल्ल्याचे प्रवेशद्वार बंद जाता अशें म्हणटात मागीर कोणाकच भायर येवपाक मेळना.

थंयच्यान उठून आमी 'थिबा' राजवाडो पळोवंक गेलीं. थिबा नांवावयल्यान परकी राजवाडो कसो दिसलो. इतिहास वाचलो तेन्ना कळ्ळें की ब्रिटिशानीं ह्या म्यानमार (थायलंड) राजाक हांगा रत्नागिरीक हाडून नदरकैदेंत दवरलो. तेन्ना ताका ह्या जाग्यार राजवाडो बांदपाक परवानगी दिली. कैदेंत आसतना ह्या थिबा राजान हो राजवाडो आपल्या पध्दती प्रमाण बांदलो. सगळ्यो सोई आपल्याक जाय तश्यो स्थापत्यकलेन बांदल्यो. कांय वर्सां हो राजा ह्या राजवाड्यांत रावलो आनी हांगासरच तो मेलो. रत्नागिरी ह्या परिसरांत ताची समाधी आसा. आतां थंय म्युझियम केल्लो आसा. राजाच्यो तरेकवार वस्तू लायिल्ल्यो आसात. राजाचें सिंहासन पळेलें आनी सिंहासन चड वयर कशें दिसलें. राजा उडकी मारून कसो बसतालो हें चिंतून हांसूंक आयलें. राजाच्या फोटवावयल्यान तो एक बुटको राजा कसो दिसलो. हांगा कांय कुडी बंद करून दवरल्यात. केन्ना केन्ना इतिहासाचीं पानां परतितना असल्यो गजाली सामकारा येतात. कोण खंयचो राजा आनी पयस महाराष्ट्रांत ताचो राजवाडो. हें पळोवन मन उदास जालें. त्या राजान कितलें भोगलें आसतलें अशें दिसता.

मागीर पळयली ती इतिहासीक वा म्हळ्यार लोकमान्याचें घर. लोकमान्य ब गंगाधर टिळक जंय रावताले ती वास्तू रत्नागिरी आसा, तीय पळोवपाचें भाग्य आमकां लाभ हातूंत टिळक आनी तांचे अनुयायी, सहाध्या हांचे फोटो पळोवंक मेळटात. आतां हें टिळकाचें स्मारक म्हणून पुरातत्व खात्य घोशीत केलां. 'स्वातंत्र्य हा माझा जन्मसीध हक्क आहे आणि तो मी मिळवणारच' अ गर्जना करपी टिळक आनी तांचें घर पळोव मनाक खूब आनंद जालो. वास्तूंत टिळ राविल्लो ही गर्वाची गजाल आशिल्ली.

दुसऱ्या दिसा दनपरां आमकां रत्नागिरींतल्या वचपाचें आशिल्ल्या कारणान थोडोच वे आशिल्लो म्हणून थंय आशिल्ली एक नुस्त्याच फॅक्टरी पळोवपाचें थारायलें. ही फॅक्टरी नाई ह्या मनशाची आशिल्ली. ताणें भुरग्यांक सगळ फॅक्टरी भोंवन दाखयली. नुस्तें कशें हाडटात साफ करतात, तांचें पॅकींग कशें जाता ह्यो खूबश्यो गजाली म्हाका कळ्ळ्यो. पॅकिंग करून व्हडल्या फ्रिजरांत कशें दवरतात आनी भायल्य देशांनी कशें धाडटात तें दाखयलें. लिना, मंजिरी धर्मा म्हजेबरोबर आशिल्लीं तीं अजापान पळोवंक लागलीं. २० भुरग्यांक सामावून घेवपा सारकी स्पेस त्या फ्रिजरांत आशिल्ली. भुरगीं भितर वचून आयलीं आनी थंड थंड झेला सारकी जाल्लीं. म्हाका बेश्टोच भंय दिसलो एक भुरगें आनी भितर उरत म्हणून. उरलें जाल्यार ताचें किदें जातलें हें चिंतून म्हाका ओगीच भंय दिसलो. हांवें भायर आयल्याबराबर परत परत तांकां मेजून पळयलीं. तेन्नाच म्हाका सूऽ जालें.

थंयच्यान उठून परत स्टेशनार आयलीं आनी गोंयां येवपी मांडवीची वाट पळोवंक लागलीं. दोन-तीन दिसांनीं रत्नागिरी पळोवन जालें ना तर अख्खो महाराष्ट्र पळोवंक कितले दीस, म्हयने लागतले? असोय विचार मनांत आयलो आनी एक समाधानाची तृप्त नदर घेवन हांव परतलें.

■

– सुचेता कामत पै

गणपती देवळा लागीं, खोलीं – म्हापशें.

ओ ऽऽऽ गाऽ, आसा रे कोण लागींसराक?

- गजानन जोग

पंचवीस वर्सां फाटीं मेरेन आपापल्या घरांत जी मेळटा ती, तितली शीतकडी खावन वेळेक पेज जेवन लोक आतांच्या मानान चड समाधानी आसताले. आतां एकेवटेन म्हारगायेक लागून, दुसरे वटेन, जायराती,हेर माध्यमांक लागून हेराकडेन जावपी तुळा वाडून,जगपाची पद्धत दिसान दीस बदलता. ताका लागून दिसपट्ट्यो गरजो कितल्योशोच वाडल्यात, त्या मानान येणावळ वाडना. धरूया वर्सांक येणावळ वर्सांफाटी शेंकड्याक १० वाडटा, जाल्यार म्हारगाय ते परस चड, शेंकड्याक सुमार १५ नी वाडटा.

हालींच संगणकीय प्रद्योगिकीतले जगविख्यात उद्देजक भौ. नारायण मूर्ती हांचें व्याख्यान (डॉ. डी.डी. कोसंबे व्याख्यानमाळेंतलें पयलें उलवप) आयकलें. आमच्या देशामुखारचे गरिबी, बेरोजगारी सारके आमचे प्रस्न चीन आनी हेर उदेंत देशांनी कशे सोडयल्यात, तांची देख घेवन आमच्यानीय आमचे प्रस्न कशे सोडोंव येतात हाचेर तांणी भासाभास केली.

व्याख्याना मजगती तांणीं एक मजेशीर गजाल सांगली. आमी फकत देवाचेर विश्वास दवरतात, हेरांनी पयशे रोख फारिक करचे अशे तरेचें एक सुवचन पाटयेर बरयलें मार्केटांत आदीं दिसतालें. तेच धर्तेर तांणीं सांगलें की तांच्या आस्थापनांत जेन्ना तांचो एकाद्रो वेवस्थापक येवन सांगता की, 'ह्या कामांत हीं हीं आडमेळी आशिल्ल्यान तें जावपाक शकलें ना. तेन्ना ते ताका म्हणटात खंय, हांव फकत देवाचेर विश्वास दवरतां. बाकी सगल्यांनी जें कितें सांगपाचें आसा तें फाक्त आनी आंकड्यांचो तख्तो मुखार मांडूनच सांगपाक जाय, जीं जीं आडमेळी आसात, अडचणी आसात तांचे फॅक्ट आनी फि गर दी. हाव तुकां फाव ते उपाय सुचोवंक शकतां. हरदासाबुवाल्या ढगळ डगल्याभसेन अघळपघळ तरेन उलोवन म्हजो वेळ खांव नाका.'

म्हाका दिसता, आमी गोंयच्या संदर्भांत म्हळ्यार गोंय, गोंयकारपण , गोंयचे संस्कृतीक, समाजिक, अर्थिक प्रस्न कितें आसात ते संबंधान म्हत्वाचें विधान करतले, कसलीय ते संबंधान

मांडटले जाल्यार आमकांय गोंयां संबंधान, गोंयकारां संबंधान, भायल्यां संबंधान फात्त आनी आंकडे लागीं करचे पडटले. सांख्यिकी खात्यांत जें मेळना तें जाग्यांजाग्यांनी वचून पुंजावचें पडटलें. एकठांय हाडचें पडटलें, तांचेर विचार करून तातुंतलीं तथ्यां, आप्रोस काडचो पडटलो. तातुंतल्यान सद्याच्या गोंयचें एक प्रातिनिधिक तरेचें विस्वास दवरपा सारकें चित्र तयार जातलें. ताचेवेल्यान आमकां फुडली वाट मेळटली.

अर्थांत कांय दिसांनी तेंय चित्र बदलतलें. संवसारांत सगलेकडेन बदल हो जाताच, बदल जावप ही एकूच गजाल अचल आसता. पूण गोंयचे बाबतीत सगलेच बदल बेगीबेगीन जातात आनी आमी त्या बदलांप्रमाण बदलपाचो येत्न करता म्हणसर आनीक चड बदल जावन पडटात!

आमचे कडेन हें नाका तें नाका अशें म्हणपी लोक गोंयांत आसात आनी आमकां हें जाय तें जाय म्हणपीय लोक आसात. कांय दिसांनी तातुंतले थोडे लोक नाका आसलें तें जाय आनी जाय आसलें तें नाका म्हणपाक लागतात. हवामानाचे आंकडे कशीं हीं मतां दियार बदलतात. मतांतराचे बाबतींत शेड्ड्याक, चन्द्राच्या कलांक, इन्द्रधोणूच्या रंगपटाक फाटीं घालपी लोक आमचे कडेन आसात. आनी पंडित नेहरून 'अजीब है ये गोवा के लोग' अशें सांगूनूच दवरलां. जाण्ट्यांच्या वचनांक पाळो दिवप ही नाय जाल्यार आयची परंपराच आसा.

म्हज्या दोळ्यांमुखार जाल्यार गोंयचें आमचें चित्र सारकें येयच ना. जें मात्शें झळकता तें अशें:

सर्वसादारण गोंयकार भास, मांयभास, राजभास, लिपी असल्यो गजाली तकलेंत घेयना. ताका म्हारगाये आड झुजपाचें आसा. दोन पयशे गांठीक बांदपाचे आसात. पोटलो करपाक न्हय धुवेचें, चल्याचें लग्न करपाक, घर बांदपाक ना जाल्यार आसा ताका मदेरामेंत करपाक, अकस्मात येवपी दुखणी, शिर्विस जमना, हातांत कांय ऊरना ताका लागून भुरगो घरा केन्नाय रावूं येता. ताचें मन राखपाक, हांसतो पळोवपाक ताका एक कसलीपूण मोटार सायकल घेवन दिवपाक. ती दिल्या उपरांत तो खोशी जावन आसा ती तीन,चार, साडेचार जावं सात हजारांची जी कितें ३० कि.मी. बसीन वचून करपाची शिर्वीस आसा ती आनीक थोडो तेंप करूंक शकता, शिर्वीस ना जाल्यार ताचें लग्न जावंचें ना. सरकारी शिर्वीस ताका मेळत जाल्यार व्हडलो प्रस्न सुटता.

भाईक, भाऊक, बाबाक, ताईक, आण्टीक आनी अंकलाकूय सांगून दवरलां. ते भायर सगल्या पक्षांच्या कार्यकर्त्यांकडेन बरेंपण दवरलां. तेय आपले परीन प्रेत्न करतात. मात हे पावट काय जालेबगर पयशे दिवप ना. फाटीं त्या ह्या खात्यांत लागीं लागीं सगलें जाल्लें, अर्दे आदीं दिल्ले, अर्दे मागीर दिवपाचें थरलेलें, पूण खंय गा, दुसरेच लोक लागले मगा शिर्विशेक. आमचो बाबल थंयच उल्लो आनी दिल्ले अर्दे पयशे हावाशिवा करून अर्देच हाताक लागले. तेणें तकली उडयली जाल्यार? अशे तरेन सादोसुदो गोंयकार जळपांत सांपडले भशेन जाला. आंग मोडून काम केल्यार पयसो खंयूच वचना हें ताका कळटा पूण तें फुडले पिळगेक समजना. ऑफिसांत फॅनापोंदा ना जाल्यार एशी रूमांत कामाक वचून बसपी वाड्यावयले भुरगे बाबलाचे इश्ट आसात. हांडीर खोंटलो घेवन हातांत कांट्याची बडी घेवन वतांत काजींच्या दोंगरार काजी कुडावपाक तो आवय वांगडा वचपाक तयार ना. तो नुस्तें हाडपाच्या निमतान तारीर नाल्यार तिस्कार नाल्यार मळ्यांत ना जाल्यार तळ्यार वचून वेळ सारता. आवय म्हण्टा, कितें करूया, गांवार येयलां तें घराक चुकता?

बरें, कदीम काळा सावन गोंयांत रावपी भायले आसात तांतुतले थोडे सदासर्वकाळ भायलेच उरतले. कारण ते आपणाक गोंयकार समजच नात जाल्यार तूं कितें करूंक शकता? सर्वसादारण गोंयकाराक गोंयचें पडून वचूंक ना जाल्यार भायल्यांक कित्याक तें लागता? तांतुतले कामदार लोक बाबडे यो रे दिसा भर रे पोटा अशेंच करीत उरतात. जांकां बडेलोग म्हण्टात ते भायले बिल्डर बिन गोंयकार ह्या संकल्पनेक एक ज्योक समजून हांसतात. तीन चार वर्सां गोंयांत शिर्वीशे निमतान रावपी बँकर हांवें पळयल्यात. ते कामाच्या जाग्यार लेगीत आमकां मेजिनात. चर्चा चालू आसतनाच मदींकाक आपणाले भाशेंत कटर कुटूर करपाक लागतात. ताळ्यांतल्या ताळ्यांत आपले भाशेंत कितें तरी उलयतात. तांकां हटकिल्यार म्हण्टात, 'बट्ट, इटइज न्याच्यरल सर, ह इज आवर ल्यान्वेज सर.'

काळ खूबूच बदल्ला. येरादारीचीं साध दिसाळीं आनी हेर नेमाळीं, सिनेमा, फोन, टी इंटरनेट ह्या सगल्या माध्यमांक लागून, तातुंत जायरातींक लागून आयज गरिबाक आपणाक कितें आसा तें घडये खबर नासत पूण आपणा कितें ना तें बेसबरें कळटा.

जायरात सांगता, तुजेकडें हें ना, वापर पळय, आतां तें सवाय जालां, एकाक ए फुकट मेळटा, अमकेकडे फोन कर, तुज घरा तें पावता, पयशे मागीर दी गा, बस थंयच्यान फोन कर!!

कांय वर्सां फाटली एक याद जाली. ए जुंग जाण्टेले म्हातारेची याद. हांव वाळपयच्य भितर बरो दोन कोसांर रावपी एकल्यागेर गेल्ले गिमाचे दीस. उदक पिवपा खातीर काजींतल्यान सकयल देंविल्ली. ते जाण्टेलेन म्ह खबर विचारपूस केली. बायल भुरग्यांची खब घेतली. मागीर किरवटेच्या पानाच्या पोतयेंतल्य तिणें धा रुपयांची नोट काडून म्हजे कडेन दिल आनी दुसरे पावट येतलो तेन्ना 'भिसलरी' का कितें म्हण्टात तसल्या उदकाची बाटली हाडपा सांगली. हांवें ती बाटली तिका व्हरून दिली मागीर एक दीस ते बाटलेंतलें उदक कशें लाग गे अशें विचाल्लें तेन्ना म्हणपाक लागली, 'मा शिरें मरे बाबल त्या पाणयाक, रूच म्हण्टा ती मात परयान ना. आमच्या व्हाळयेचें उद काय बरें मरे!'

पंचवीस वर्सां फाटीं मेरेन आपापल्या घरां जी मेळटा ती, तितली शीतकडी खावन वेळे पेज जेवन लोक आतांच्या मानान चड समाधा आसताले. आतां एकेवटेन म्हारगायेक लागून दुसरे वटेन, जायराती,हेर माध्यमांक लागू हेराकडेन जावपी तुळा वाडून,जगपाची पद्ध दिसान दीस बदलता. ताका लागून दिसपट्ट्य गरजो कितल्योशोच वाडल्यात, त्या मानान येणावळ वाडना. धरूया वर्साक येणाव वर्साफाटी शेंकड्याक १० वाडटा, जाल्या म्हारगाय ते परस चड, शेंकड्याक सुमार १५ नी वाडटा. म्हळ्यार वर्साक १५% येणाव

वाडली जाल्यार चडांत चड तुमी आसा तीच जिणेची पायरी चडूच जाल्यार सांबाळूंक शकतले, ती वाडोवपाक जी येणाबळींत वाड जावपाक जाय ती जावपाक शकना. म्हायतीच्या बिंगड बिंगड माध्यमाक लागून अर्थशास्त्रांत डिमोस्ट्रेशन इफेक्ट म्हणटात ते संकल्पनेन गरीब मनशाचे जीणेंत खवदळ घालून सोडला.

सगळ्या ६४ कलांक गोंयांत राजाश्रय आसा अशें म्हळ्यार व्हडलीशी अतिताय जांवची ना. आमच्या सरकारांनी तरतरांच्यो येवजण्यो चालीक लायल्यात. लाखांनी रुपया सरकारी तिजोरेंतल्यान कला संस्कृती, क्रीडा, मनरिजवणांचेर खर्च जातात. कला क्रिडा संकृती हांचो विकास जांव ई-कास जाल्लो आमकां जायूच पूण ती कल्या तोखेवपाक, तीं पुस्तकां घेवन वाचपाक, तीं नाडकां पळोवपाक आमकां आमचो कश्टकार, कामदार लोक जाय. (आम आदमी म्हळ्यार हें चालंत काळांत चड बरें दिसतलें न्हय!) तांचें मनरिजवण जावंक जाय, तांच्या चिड्डील्ल्या, अंदल्ल्या विकार उमाळ्यांचें विरेचन जावंक जाय.

आतां गोंय सांबाळपाची जापसालकी अशा सगल्याच तरेच्या कलाकारांनी आपणाल्या खांदार घेवपाची गरज आसा. आपणाली कला घेवन कलाकारांनी गांवागांवानी, खेड्यापाड्यानी, वाड्यावाड्यानी वचपाचो वेळ आयला.

पणजे, मडगांव सारकिल्या शारांनी जातात त्यो साहित्यिक, सांस्कृतिक समाजिक कार्यावळी एक वर्सभर बंद दवरून पळोवपाक जाय. पळोवया तरी कितें जाता तें. ते बदला त्यो गांवगिऱ्या वाठारानी जावपाक जाय, तशो त्यो थोड्या आतांय जातात पूण तें प्रमाण खूब वाडपाक जाय. बाराय तालुक्यांनी आमच्यो कार्यावळी नेमान जावपाक जाय. नाय जाल्यार अशा कार्यावळींचें अजिर्ण शारांतल्या रसिक वर्गाक जालां अशें दिसता.. स्टेजीर अकरा लोक आनी मुखार बारा जण (आयोजक, च्यापाणीवालो,मायकवालो, सिक्युरिटी नावाचो परगिऱ्यावेलो प्राणी धरून) अशीय परिस्तिती कांय कार्यावळीं वेळार येता तेन्ना अजिर्ण जालां म्हणपाचें कळून येता.

गोंय आमचें जाल्यार आमकांच तें सांबाळचें पडटलें. तें काम खंयचेंच एजेन्सीक दिवपाक जमचें ना. कोणेतरी तें करपाक जाय अशेंय म्हणत रावून तें जावपाक ना. सरकार तें करूंक शकना. एका काळार अवघ्या अकरा लेखक, विचारवंत लोकांनी तिडकीन फुरफुरत गोंयचो आवाज भरिल्ल्या माटवांत गाजोवन संघर्शाची कीट पेटयली. आतां दर गांवांत अशे तरेची आत्मभानाची आत्मसन्मानाची आनी आत्मत्यागाची कीट पडपाची गरज आसा. आमी खूब चळवळी केल्यो, जायत्यो जिखल्योय बी. ही चळवळ खेरीत तरेची जावची पडटली. हिची मोख संदिग्ध आसतली, न्हयकाराचीय आसतली पूण फुडल्या पिळग्यांक गोंयचें गोड अमृतासारखें उदक पिवपाक मेळटलें जाल्यार आमकां हें गोंयचें कोंड साफ करचें पडटलें. चिकोल, पोतरे, गुंडे फातर कुशीक काडचे पडटले. कोंडांतली जिवावळ अतळय कुशीक काडून तिका नितळ जाल्ल्या उदकांत परती सोडची पडटली. पुरवल्यात ते झरे सोदून काडचे पडटले, उदक व्हांवतें करचें पडटलें आनी थंय परती हळशीक करपाक येवपी हिरांट्यांक आनी बुराक मारपी कुल्ल्यांक सांबाळच्यो पडटल्यो.

फाटल्या शतमानाच्या आठव्या दसकांत आमी बशीनी, ट्रकांनी बसून बॉल्सांतले पयशे सोल्जर पद्धतीन खर्च करून 'लळितक' कार्यावळ गांवांनी वचून करताले. प्रसंगाक पांयांनीय भोवून कांयकडेन वताले. येरादारीची वेवस्ता ना जावन रातीं आयोजकांल्या खळ्यांत, माटवांत न्हिदून तें गांवगिरें मेकळेंपण चाखताले. आतां आमकां तो गांवांवाड्यावेलो वाठार साद घालता, कुकारे घालून आपयता. 'ओगा, आसा रे कोण लागींसराक?' ते उले, ते साद ते कुकारे आयकुपाक येतात पूण आमी कानार केंस काडटात. आतां तशें करपाक कोंताक येवपाचें ना. आतां न्हेसणाक उजो लागपाची वेळ आयला, गरमी जावपाक लागल्या. ती आंगावयली ल्हंव जळपाक लागल्या ताची आतां जागे जायात, उठात आनी कामाक लागात. न्हय भाशे खातीर, न्हय लिपयेखातीर, न्हय आरक्षणा खातीर, न्हय पक्षा खातीर. फकत आमच्या गोंया खातीर. उठात, कुकाऱ्यांक जाप दियात. ■

– गजानन जोग

ताळगांव– गोंय. मो. : ९४२१२४६६५५

भलायकी

ऑपरेशनाची गरज आशिल्ल्या रुग्णांचे हक्क

- राज वै

कांय ऑपरेशनां ताबडतोब करचीं पडटातआसलीं तरी चडशीं रोखडींच करपाची गरज नासता. तेन्ना विशीं दोतोरांकडेन भासाभास करून खंयची पद्धत योग्य आसा, ऑपरेशन फुडें धुकलूं येता जाल्यार तें कितलें फुडें धुकलूं येता हाचेर विचार करूंक तुमकां वेळ मेळटा. ल्हान लेगीत ऑपरेशन आसल्यार ताचे वायट परिणाम जावंक शकतात देखून काळजी ही घेवचीच पडटा. तुमकां खंयचें ऑपरेशन ब-याक पडटलें, ऑपरेशनाचो बरो वायट परिणाम कितें जावंक शकता हें जाणून घेवप खूब गरजेचें. जाणकारांच्या म्हणण्या प्रमाण जेन्ना रुग्ण आपल्या ऑपरेशनाविशीं चड जाणकार आसता तेन्ना तो चड समाधानी आसता.

ऑपरेशन करचे पयलीं पर्त्येकान कांय म्हायती करून घेवप खूब फायद्याचें थारता. ती म्हळ्यार :

- आपल्याक ऑपरेशन करतात ताचें सारकें नांव कितें ? कितें करतले आनी तातूंत कितें आपत्ती आसा?
- आपल्याक जाल्ल्या दुर्येसाक हें ऑपरेशन कितले टक्के फायद्याचें पडूं येता? तें कशे तरेन फ़ायद्याक पडूं येता?
- हें ऑपरेशन खंयसर करतले? थंय हे आदीं असलीं ऑपरेशनां केल्यांत व्हय?
- हें ऑपरेशन शरिराचे खंयचे सुवातेर करतले?
- तो दोतोर असलीं ऑपरेशनां करता व्हय?ह्या आदीं ताणें असलीं कितलीं ऑपरेशनां केल्यांत?
- ह्या ऑपरेशनाचे बरे वायट परिणाम कितें?
- ह्या ऑपरेशनांक कितलो खर्च येतलो?आपणें कितले दुडू फारीक करचे पडटले?विमो कँपनी हो खर्च भरून हाडत?
- ऑपरेशनां आदीं आपणें कितें करूंक फावो वो करूंक फावना?
- ऑपरेशनां उपरांत कसले प्रस्न उप्रासूं येतात?
- ऑपरेशना वेळार आपल्याक दुखतलें? दुख उणीं करूंक कितें कितें घेवंक जाय पडटलें?
- बरो जावंक आपल्याक कितलो कळाव लागतलो?अदीक इलाज बी करचो पडटलो? जाल्यार कसलो?
- ऑपरेशना उपरांत म्हाका कितल्या दिसां उपरांत घर वचूंक मेळटलें?
- ऑपरेशना उपरांत म्हाका घरांत आधार घेवंचो पडटलो? कसलो आधार?
- ऑपरेशन हांवें करचेंच पडटलें? बरो जावंक म्हाक दुसरो उपाय ना?
- दुसरो उपाय आसा जाल्यार ताचो खर्च कितलो जातलो? हांवें कितले दुडू फारीक करचे पडटले. विमो कंपनी हो खर्च भरून काडटली?
- ह्या दुसऱ्या उपायान कसले बरे वायट परिणाम जावंक शकता?
- ऑपरेशन करूंक कळाव केल्यार वा करिनासतना रावल्यार कितें जातलें?

– राज वैद्य
पणजे – गोंय, मो. : ९४२२०६२२८६

उतरकुवाडें

– संतोष शिवराम हळर्णकार
बादिवडे-बंदर,
फोंडा-गोवा ४०३ ४०१



आडवे

१. नभोवाणी, रेडियो. ४. बडबड, पचकें उलोवणें, ७. पद्दत, चाल, ८. भोंवडावप, घुवणावप, ९. धंदो, बेवसाय, उद्देग, १२. मुसलमानांची परब. १४. ध्वनी, आवाज. १५. पिसाय, अर्दकुटो, अबुद्दी. १६. सावध, जागरूक, सावचीत. १७. तन्नो नाल्ल, कातली जावंक नाशिल्लो नाल्ल, फ्राक मेंदू आशिल्लो. १८. कावळ्याचो रंग. १९. मनांतलो हेत लिपोवपी, भितल्ले गांठिचें. २२. भोव बऱ्या परमळाचें लाकूड, गंधा झाड. २३. शंबर हजारांचो आंकडो. २५. धावी रास. २८. ड्रामा, नाट्य. २९. आपले मावशेचो पूत. ३२. धनी, मुखेली, यज्ञकर्म करपी. ३३. दाळीचें कालवणें, वन्न (मराठी)

उबे

१. आज मेरेन. २. कूड, आंग. ३. बाय,वारो. ४. सुवास, बरो आनी नाजूक वास. ५. रुच, सुवाद. ६. पोपाय (मराठी). १०. पावसा दीस, पावसाचो तेंप. ११. आमचो देश, इंडिया. १३. डाको, लूट. १५. अरुद. १७. बाळ्या भाशेन एक लांबोडें नुस्तें, बॉम्बे डक. १८. कुडीन आनी अतस्करणान, पोटतिडकेन. १९. मस्ती, खूब गर्व, मदांधकाय. २०. शरीर (हिंदी). २१. कापो पणस. २२. ल्हान भुरग्यांचें भाशेन चंद्रीम (हिंदी). २४. खीण, इल्लो वेळ. २६. गुपीत कारस्थान. २७. उणाव. ३०. रान, जंगल. ३१. साठ मिनटांचो काळ

फेब्रुवारी १४ उतरकुवाड्याची जाप

भा	ग	मि	ल्खा	भा	ग		पा		क
गा		स		ट		का	र	वा	र
का	ज	ळ		का	र्या	ळ	य		म
र		प	गा	र		व		थो	णू
	मे		ज		ठ	णें		ळ	क
य		वा	प	र	प		सु	कें	
ज	डा	य		न	का	सो			त
मा		ख	ळी		र	मा	र	म	ण
न	ज	र		पे	प	र		ट	
की	र		मू	न			च	ण	क

गोंयचो मुळावो प्रस्न

कोणाचें खंय तरी चुकलां तेंवूय सुमाराचें न्हय, भयंकर चुकलां म्हुण्ण मू? गोंय हें गोंय म्हूण अुरचें, काय तें मुम्बय सारकें कोणाचेंच न्हय अशे तरे जावन पडचें - हो जो प्रस्न गोंयचे सुटके सावन आमच्या दोळ्यांमुखार अुब आशिल्लो तो अजुनूय तसोच अुबो आसा.

गोंयचो मुळावो प्रस्न खंयचो? कोंकणी काय मराठी, हो? निखालस न्हय.

कोंकणी-मराठी वाद नेटान चलतालो त्या वेळारूय आमचे मुखार कोंकणी काय मराठी हो प्रस्न नाशिल्लो. गोंय हें गोंय अुरचें, काय तें मुम्बय सारकें कोणाचेंच न्हय अशें जावन पडचें-होच खरो गोंयचो मुळावो प्रस्न आशिल्लो. कोंकणी चळवळीच्या आरंभाक सावन आमचे मुखार होच प्रस्न ह्याच रूपान स्पस्ट अुबो आशिल्लो.

आमकां गोंय हें गोंय म्हूण अुरिल्लें जाय आशिल्लें. गोंयची भूंय, व्यापार, अुद्देगधंदे, प्रशासन-सगळें गोंयकारांच्याच हातांत अुरिल्लें आमकां जाय आशिल्लें. गोंयांत स्वराज्य आयिल्लें. गोंयचो राजकारभार गोंयकारांक धनीपणान चलोवंक मेळचो म्हूण गोंय आमकां गोंय म्हूण राखून दवरपाचें आशिल्लें.

मराठी आमच्या ह्या हावेसां आड गेल्ली. ती महाराष्ट्रवाद नांवाच्या अेका विस्तारवादी विचारधारेची तरसाद जावन पडिल्ली. ती भारताच्या नकशा वयलें गोंयचें नांव निशाण लेगीत पुसून अुडोवपाक भायर सरिल्ली. ती गोंयांक महाराष्ट्र वा म्हणुंया, महाराष्ट्राचो अेक जिल्लो करपाक सोदताली. 'तुमकां अितिहास ना, संस्कृती ना' ह्या अुतरांनी आमकां हिणोवन ती आमच्यांतली धनीपणाची भावनाच मारून अुडयताली. म्हूण आमी मराठी आड प्राणपणान झुजिल्ले. खरेपणानशीं, हें झूज मराठी भाशे आड नाशिल्लें. तें गोंय गिळूंक सोदपी महाराष्ट्रवादा आड आशिल्लें. मराठी भास ह्या महाराष्ट्रवादा कडेन अेकरूप जाल्ली म्हूण आमी मराठी आड अुलयताले आनी बरयताले.

कोंकणी भास गोंयचें गोंयपण राखून दवरताली. गोंयांक ताचें खाशेलें व्यक्तित्व दिताली. ती आमच्यांत धनीपणाची भावना जागयताली आनी आमकां कर्तुत्वाची अेक नवी प्रेरणा दिताली म्हण आमी कोंकणीचो पाखो घेतिल्लो.

आमकां स्वराज्य मेळिल्लें. स्वराज्याचो अर्थ 'ते गेले आनी हे आयले' असो जावंचो न्हय अशें आमकां मनापसून दिसतालें म्हूण आमच्या झुजाक आमी कोंकणी काय मराठी, हें रूप दिल्लें. वा म्हणुया, आमकां तें दिवचें पडिल्लें.

गोंयचे सुटके सावन ओपीनियन पोला मेरेनच्या काळांत गोंय हें गोंय म्हूण राखून दवरपा खातीर आमी रातिचो दीस करून रगत आटयलां. ते अुपरांत ओपीनियन पोला सावन साहित्य अकादेमीन कोंकणीक अेक भास म्हूण मान्यताय दी मेरेनच्या काळांत - आनी ते अुपरांतूय - गोंय हें घटक राज्य जावंचें आनी ह्या राज्याची राज्यभास कोंकणी जावची म्हूण चलिल्ले चळवळी मेरेनच्या काळांत आमी सगळे तान-भूक विसरून अखंड रुपान दीस रात वावुरल्यात.

'आमी म्हळ्यार, कोंकणींतले कवी, कथाकार, नाटककार, पत्रकार, कलाकार तियात्रिश्त आनी हेर कोंकणी भक्त. आयजमेरेन जांणी कोंकणीचो विरोध करून वा कोंकणीचें नांव घेवन सत्या भोगली तांतलो अेकलोय न्हय.

धरुंया, आमी मुखार सरूंक नाशिल्ले. जाल्यार-

गोंयांत ओपीनियन पोल येतलो आशिल्लो?

अपोनियन पोल आमी जिखतले आशिल्ले?

गोंय वेगळें अुरतलें आशिल्लें?

कोंकणीक साहित्य अकादेमीची 'देशांतली अेक स्वतंत्र साहित्यिक भास' म्हूण मान्यताय मेळूंक पावतली आशिल्ली?

गोंय घटकराज्य जातलें आशिल्लें?

कोंकणी ही ह्या घटकराज्याची राज्यभास जावंक पावतली आशिल्ली?

गोंयांक हें जें कितें मेळ्ळां तें ताका मेळ म्हूण स्वराज्यांतल्या कोंकणी-भक्तांच्या पुर तीन पिळग्यांचें रगत आटलां.

अितलेंय करून आतां आमकांच प्र पडला-

जे मोखीक लागून आमी अितलेंय हें के ती मोख आमी गांठल्या व्हय?

गोंय वेगळें अुल्लां. पुणून तें आ भायल्यांच्या हातांत गेलां.

गोंयचो राज्यकारभार गोंयकार चलयनात भायले चलयतात.

गोंयची भूंय गोंयकारांच्या हातांत अुरूं ना. ती भायल्यांच्या हातांत गेल्या.

गोंयचो व्यापार जावं गोंयचे अुद्देगधं गोंयकारांच्या हातांत नात. चडशे भायल्यांच्या हातांत गेल्यात.

गोंयच्या विकासाच्या नांवाखाला जें जें कि गोंयांत फाटल्या सत्तावीस वर्सांच्या काळांत घडले तें सगळें भायल्यांक लाव करून दिवपीच घडलें

गोंय गोंयकारांच्या हातांत अुरूंकूच ना. ते कित्याक, गोंयांत आतां गोंयकार सोदचे पडटात. वचत थंय भायलेच दिश्टी पडटात!

अशें कित्याक लागून जालें?

कोणाचें खंय तरी चुकलां तेंवूय सुमाराचें न्हय, भयंकर चुकलां म्हुण्णच मू? गोंय हें गोंय म्हूण अुरचें, काय तें मुम्बय सारकें कोणाचेंच न्हय अशे तरेचें जावन पडचें - हो जो प्रस्न गोंयचे सुटके सावन आमच्या दोळ्यांमुखार अुबो आशिल्लो तो अजुनूय तसोच अुबो आसा.

पयलीं हो प्रस्न मराठी काय कोंकणी हें रूप घेवन मुखार अुबो राविल्लो. अुपरांत तो भायले काय भितल्ले, हें रूप घेवन अुबो रावलो. आतां तो 'विनाश काय विकास' हें रुप घेवन अुबो रावला. ■

(जाग - मे १९८९)

प्रियदर्शन

ह्या परिशदानी, संमेलनानी म्हजें लुकसाण जावंक ना. जाला तो फायदोच जाला. कितले लोक मेळ्ळे, कितल्या लोकांकडेन नातें जुळ्ळें. आतांच पळय, तुवें सांगलें बेळगांवां मेळुया. जयमालाय येतलें. कसलें नातें आसा म्हजें हांचेकडेन? तरी हीं सगळीं येतलीं म्हुण आमी धांवत वतात काय ना?

प्रिय शीला,

तुजो फोन आयिल्लो तेन्ना हांव राजस्थानचे डेंत कुडकुडटालों. तुजेकडेन फोनार उलयतना हज्या दातांचें वाजप तुज्या कानार पडलां काय बर ना. हांवें कश्मिरच्या झेलांतली थंडी णभवल्या, सोंसल्या. पूण ही राजस्थानच्या वटांतली थंडी आकांताची बाये! हाडां लेगीत जोवपी म्हळ्यार जाता. केन्ना एकदां गोंयां वताशें जाल्लें.

तुज्या साहित्याचेर वार्तालाप आसा हणपाचो म्हाका नयनान एसएमएस केल्लो. ण पावप शक्य नाशिल्ल्यान चिटमिटे पडले. या निमतान तुका मेळप तरी जावपाचें. तुज्या ाहित्याचेर आमचे जाणकार कितें कितें लयतात तेंय आयकुपाचें आशिल्लें.

आसूं! हांव जेन्ना गोंयांत पावलों तेन्ना तूं बय वचपाची ट्रेन धरपाचे वाटेर आसूंक जाय. वें म्हणिल्लें, आपूण सकाळीं वतलें म्हुण! ीला वचूंक भायर सरलां आसतलें असो विचार रता आसतनाच म्हाका नंदाचो फोन आयलो. ाणें म्हाका सुधाबाय गेल्ल्याची खबर दिली. ाणें पेपराचेर वाचिल्लें खंय! हांव हालीं पेपर राकडेन घेना. म्हाका पणजे येतात ते. काळफुडें उठल्या बराबर पेपर वाचपाची संवय हाका काडून उडोवपाची आशिल्ली. मुद्दाम काळीं बाजारांत वचून पेपर हाड आनी ते ाच अशें कितलीं तरी वर्सां चल्लां. सदांच ंच तेंच. बलात्कार, खून चोरयो-मारयो आनी ाजकारण्यांचो भ्रश्टाचार आनी घोटाळे. जीव बगता. पेपर वाचना जाल्यार कांयच अडना. हयनोभर टुरार वतां तेन्ना खंय कितें अडटा? ूण अशी एखाद्री म्हत्वाची बातमी चुकता हेंय खरें.

सुधाबायची बातमी वाचून म्हाका पर्थून तुजी याद जाली. सुधाबायच्या 'आनंद-तरंग' ुस्तकाच्या प्रकाशना वेळार तूं मुजरत गोंयांत आयिल्लें. पुस्तकाचेर उलयिल्लेंय. सुधाबाय खूब भावूक. ताचें बरोवपूय तशेंच आनी तोच

पोत धरून तूं उलयिल्लें. सुधा बायचो 'अरळ' शब्द धरून तुवें केल्लें भाश्य म्हाका अजून याद जाता. सुधाबायची बातमी तुका कळिल्ली जाल्यार तूं ट्रेन चुकयतलें आशिल्लें हें हांव जाणां!

तुवें म्हणिल्लें फोनार, आमी बेळगांवां मेळुया म्हुण! कोंकणी परिशदेचें अधिवेशन आसा न्हय! खरें सांगू शीला, म्हाका आतां ह्या कोंकणीच्या खंयच्याच फेस्ताक वचनशें दिसच ना. हय. हांव फेस्तांच म्हणटां तांकां. कांयच निष्पन्न जायना हांगा. वेळेचो अपव्यय अशें दिसूंक लागता. माचयेर एक चलता, माटवांत एक चलता. माचयेर बशिल्लो एक कवी वो उलोवपी दुसऱ्याची कविता वो विचार आयकना. आपलें जालें काय जालें! परिशदेक वा लेखक संमेलनाक म्हुण येवपीय कोण माटवांत रावनांत. भोंवपाक गेल्ले आसतात आनी माटवांतले गजाली मारतात. हय काय न्हय?

हांव पयलीं एक्कूय परिशद वो संमेलन चुकयनाशिल्लों. त्या निमतान तुमकां सगळ्यांक मेळूंक मेळटालें. कितलें आपलेपणाचें नातें आसतालें न्हय आमचें? कोचीचे मल्ल्यामाम, मंगळुरचे केकेमाम, चाफ्रा, मुंबयचे, बेळगांवचे आनी खंयचे खंयचे एकठांय येताले, आपलेपणान खबर घेताले. भाशेची शैली वेगळी, जात वेगळी, धर्म वेगळे पूण सगळ्यांचें एक कुटूंब कशें! आमीय गोंयच्यान बसी बी घेवन वताले. तेंय एक कुटूंब कशें! दोन तीन दीस कशे सरले तें कळच नाशिल्लें. मागीर फाफसतना एकमेकाच्या दोळ्यांत निरोपाचीं दुकां. आतां खंयचे कडेन कांयच उरूंक ना. सगळे आपापल्या विश्वांत, एकमेकाचो द्वेशकरीत!

तूं म्हणटलें तशें कांयच ना. तुकाच दिसता तशें! आसतूय बी. हांवूय मातसो कडवट सो जालां आसूं येता. पूण म्हाका कशें कळना तर तें? हांव तर सगळ्यांक समजून घेवन माफ करता.

एक मात खरें शीला, ह्या परिशदानी, संमेलनानी म्हजें लुकसाण जावंक ना. जाला तो फायदोच जाला. कितले लोक मेळ्ळे, कितल्या लोकांकडेन नातें जुळ्ळें. आतांच पळय, तुवें सांगलें बेळगांवां मेळुया. जयमालाय येतलें. कसलें नातें आसा म्हजें हांचेकडेन? तरी हीं सगळीं येतलीं म्हुण आमी धांवत वतात काय ना? तूं म्हण, जयमाला म्हण - ह्या जयमालाच्यो सगळ्यो भयणीय मायेस्त कश्यो - सुधाबाय खरंगटे मागीर ती नावेलकाराची घरकान्न, नांव याद जायना आतां. मागीर बंगळुरची इंदू गेरसप्पे, मडगांवचें मीना काकोडकार सगळ्यो म्हज्यो व्हडल्यो भयणीच कश्यो. म्हज्यो टिवल्यो बावल्यो सोसुनय म्हजी अपुर्बाय करपी! केदी व्हडली गिरेस्तकाय दिल्या म्हाका ही कोंकणीन. तेच पासत तर म्हजो जीव ओडटा ह्या परिशदांकडेन. तूं म्हणटलें, पळय आतां कसो जाग्यार आयलो! आतांच वितरागतालो परिशदेच्या नांवान. पूण खरें तें सांगलें न्हय हांवें! आतां खऱ्यानीच मेळुया परिशदेक.

■

इश्टागतीन तुजोच,

दिलीप...

आकर्शण

२३ मार्च २०१४ ह्या दिसा बिम्ब परिवाराचो महिला साहित्य मेळ

महिलांमदीं साहित्य निर्मणेची उर्बा निर्माण जावंची आनी ताणीं आपल्यो भावना उक्तावच्यो ह्या हेतान दरवर्सा बिम्ब परिवार महिला साहित्य मेळ घडोवन हाडटा.

२०१४ वर्साचो साहित्यमेळ, आयतार ता. २३ मार्च हे दिसा धर्मलक्ष्मी, सांत लॉरेन्स हांगा आयोजीत केला.

मेळाव्याचें उक्तावण नामनेच्यो हिन्दी-मराठी लेखिका आनी कवियित्री **डॉ. सुलभा कोरे** हांचे हस्तुकी जातलें. 'चित्रपटांनी चित्रायल्ली महिलांची प्रतिमा' ह्या विशयाचेर तांचें उलोवप आनी उप्रांत चर्चाय जातली.

उपरांतच्या सत्रांत **डॉ. शीला गुप्ते** हांचेकडेन बायलांच्या भलायकी विशींच्या समस्यांचेर चर्चा जातली.

जेवणा उप्रांतच्या सत्रांत उपस्थित महिला आपल्यो समस्या, निरसन करून घेवपा वांगडाच आपली कला, काव्य सादर करतल्यो.

शेवटाक **दिलीप बोरकार** हांच्या **'सखी वसुंधरा'** हे कादंबरीचें विमोचन मुखेल सोयऱ्यांचे हस्तुकीं जातलें.

बिम्बांत सातत्यान बरोवपी लेखक लेखिका, कवयित्री आनी वाचक हांचे भायर जांकां ह्या मेळाव्यांत वांटेकार जावपाचें आसा ताणीं आयोजनाचे सुसुत्रताये खातीर बिम्ब वेवस्थापनाकडेन २४३८३५५/९८२२१३६८८५/ ९८२२१६५२४० ह्या फोनांचेर संपर्क करचो

थॉमस स्टिफन केंद्राचो 'आंतोनिआ पैरेरा कोंकणी पुरस्कार' ज्येश्ठ कोंकणी संगीतकार रामानंद रायकार हांकां भेटयलो

गोंयच्या कोंकणी संगीत मळार सन्मानाचें अग्रस्थान मेळयिल्ले गोंय शासनाच्या 'गोंय राज्य सांस्कृतिक' पुरस्कारान सन्मानी ज्येश्ठ कोंकणी संगीतकार रामानंद रायकार हाणीं संगीताच्य माध्यमांतल्यान केल्ले कोंकणी भाशेचे सेवे पासत 'थॉमस स्टिफ कोंकणी केंद्रा'वतीन भेटयतात तो प्रतिश्ठेचो 'आंतोनिओ पैरे कोंकणी पुरस्कार' भेटयलो. पर्वरी जाल्ल्या एका सुवाळ्यां बोरयेच्या सेंट फ्रान्सीस झेव्हियर चर्चचे धर्मगुरू मानुएल गोम हांचे हस्तुकी हो पुरस्कार भेटयलो. रोख पंचवीक हजार रूपय यादस्तीक, सन्मानपत्र, शाल आनी श्रीफळ अश्या स्वरुपाचो ह जीवन गौरव पुरस्कार जावन आसा.

अखिल गोंय खो-खो संघटनेन ४७वी राष्ट्रीय सीनियर खो-खो सर्तीचें आयोजन केल्लें. ते सर्तीच्या बक्षीस वितरण सुवाळ्याक राज्यपाल भारतवीर वांच्छू हांच्या हस्तुकी बक्षिसां भेटयलीं. हे वेळार सर्त आयोजक मुखेली आनी उद्योजक नारायण (नाना) बांदेकार, थळावे आमदार कार्लुस आल्मेदा, अखिल गोंय खो-खो संघटनेचे अध्यक्ष गोकुळदास शिरोडकार, सचिव गिरीश चोडणकार आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

अखिल गोंय खो-खो संघटनेच्या ४७व्या राष्ट्रीय सीनियर खो-खो सर्तीचें दबाज्यान आयोजन

चिखली - वास्को हांगच्या गोंय क्रिडा प्राधिकरणाच्या राजाराम शेट बांदेकार खो खो मैदानाचेर ४७वी राष्ट्रीय सीनियर खो-खो सर्त खो-खो मोग्यांचे व्हड हाजेरींत १० फ्रेब्रुवारी ते १६ फेब्रुवारी ह्या दिसांनी जाली. जाचे अध्यक्ष गोंयचे नामनेचे उद्योजक, गोवा चेम्बर्स ऑफ कॉमर्सचे अध्यक्ष आनी खेळांप्रेमी अशे श्री. नारायण उर्फ नाना बांदेकार आसात ते अखिल गोंय खो-खो संघटनेन हे सर्तीचें आयोजन केल्लें आनी तें पुरायेन यशस्वी जालें. हे सर्तींत दर्जेदार खेळांचें प्रदर्शन क्रिडा रसिकांक पळोवंक मेळ्ळें.

रेल्वे मंडळाच्या दादल्यांच्या संघान सलग पांचव्या वर्सा विजेतेपदाचो करंडक हातासलो. अंतीम लढतींत ह्या संघान महाराष्ट्राच्या संघाकडेन खर झूज दिलें.

बायलां गटांतली अंतीम लढत केरळ आनी महाराष्ट्र हांचे मजगतीं जाली आनी केरळच्या पंगडान जैत हातासलें. हे राष्ट्रीय सीनियर खो-खो सर्तींत दादल्या पंगडांत रेल्वे मंडळाच्या मनोज पवार आनी बायलां पंगडांत रेल्वेची दिव्या ए. हिची सर्वोत्तम खेळगडी म्हुण निवड जाली. सर्तींच्या बक्षीस वितरण सुवाळ्याक राज्यपाल भारतवीर वांच्छू हांच्या हस्तुकी बक्षिसां भेटयलीं. हे वेळार सर्त आयोजक मुखेली आनी उद्योजक नारायण (नाना) बांदेकार, थळावे आमदार कार्लुस आल्मेदा, अखिल गोंय खो-खो संघटनेचे अध्यक्ष गोकुळदास शिरोडकार, सचिव गिरीश चोडणकार हांची हजेरी आशिल्ली.

अखिल गोंय खो-खो संघटना फाटलीं ३३ वर्सां खेळां राष्ट्रीय चॅम्पीयनशीप आनी हेर खेळांचे मळार यशस्वी आयोजन करीत आयल्या. तांच्या ह्या वावराखातीर राष्ट्रीय पातळीचेर समितीची आनी खास करून अध्यक्ष नाना बांदेकार हांची तोखणाय जाल्ली दिसता.



Prime Minister's Employment Generation Programme

A credit linked subsidy programme to generate employment.
Easy eligibility | Subsidy upto Rs. 25 lakhs available

For application forms and more information: **www.goaditc.gov.in**
OR Contact: Mrs. Bertha Gracias, Mr. Satish Gaonkar OR
Mr. Tushar Sawant AT 0832 2222241
Udyog Bhavan, Panaji, Goa.

सत्यमेव जयते
GOVERNMENT OF GOA

Directorate of Industries, Trade & Commerce

PARTNERING INDUSTRIAL GROWTH

With Best Compliments

from

DEMPO

DEMPO GROUP OF COMPANIES

Corporate Office: Dempo House, Campal, Panaji, Goa - 403001, India.
Tel.: 91-832-2226281-86 / 2441300 **Fax:** 91-832-2225098 / 2228588
Web: http://www.dempos.com **Email:** mail@dempos.com

Published & Printed by Dilip Borkar Owner of Bimb Monthly, 'Dharm-Laxmi', St. Lourence, Agasaim - Goa &
Printed at Impressions, Belgaum. Editor : Dilip Borkar, Ph.: 2438355, E-mail: bimbkonkani@yahoo.co.in

POSTTAL LICENCE NO. G-2/RNP.Goa/01/2011-12

RNI Regd. No. GOA KON/2008/30

NARAYAN (NANA) BANDEKAR GROUP

Our business has grown.
Our clients have multiplied.
Our values however have stayed the same.

A leading business group in Goa, NRB has always stayed true to its core values of integrity and social responsibility. Today, these values extend into our hospitality chain- Palette Hotels, our manufacturing division- Bandekar Speciality Valves Corporation (BSVC), retail and entertainment businesses. In short our transparent business associations, professional employee relations and strong commitment to community welfare make NRB a modern dynamic company with good old-fashioned values.

10 CALANGUTE
An Exclusive Boutique Hotel
Calangute - Goa
9011056625
www.10calangute.com

THE HQ
Vasco - Goa
250 0015 / 16 / 17 / 18
www.thehq.in

NRB-Norbert's fitness Studio
Vasco - Goa
9822120180

PanAsian BOWL
Miramar - Goa
645 5547

MEKONG
Miramar - Goa
645 5547

NRB GROUP©

MINING & EXPORT | MANUFACTURING | HOSPITALITY | EVENTS & CONCEPTS | WELLNESS

Redg. Office: 601, 6th Floor, Dr. Ozler Forum, Near St. Andrews Church, P. O. Box 31, Vasco-da-Gama, Goa – 403 802.
T: +91-832-2512563/2848 F: +91-832-2501997 www.nrbgroup.biz